# बंकिमचंद्र चटर्जी

सुबोधचंद्र सेनगुप्त



KO
891.440 92
C 392 S

भारतीय
...य

KO
891.44092
C392S

बंकिमचंद्र चटर्जी

पुस्तकाचे फाटले वटेन एक शिल्पाकृती दिल्या. शिल्पांत तीन जोतिशी बुद्धभगवानाची आवय राणी महामाया हिका पडिल्ल्या सपनाचो अर्थ राजा शुद्धोधनाक सांगतात अशे दाखयलाँ. शिल्पाचे सकयले वटेन एक बरोवपी तें सांगप बरोवन घेता. भारतांतल्या लेखनकलेची ही अशे तरेची सगळ्यॉंत पुर्विल्ली नोंद आसूंये.

नागार्जुनकोंडा, दुसरो शेंकडो, इसवी.

नॅशनल म्युझियम, नवी दिल्ली हांचे बरेपणान.

भारतीय भासांचे साहित्य घडोवपी

# बंकिमचंद्र चटर्जी

बरोवपी

सुबोधचंद्र सेनगुप्त

अणकारपी

प्रकाश जी. थळी

साहित्य अकादेमी

Bankimchandra Chatterjee (बंकिमचंद्र चटर्जी) :
Konkani translation by Prakash G. Thali, of Subodhchandra Sengupta's English monograph
Sahitya Akademi, New Delhi
SAHITYA AKADEMI
REVISED PRICE Rs. 15-00
KO
891.44092
C392S
© Sahitya Akademi
First Edition : 1991
Indian Institute of Advanced Study
115764
9/11/04
SHIMLA
*Published by :*
Sahitya Akademi
Head Office :
Rabindra Bhavan, 35, Ferozeshah Road, New Delhi 110 001
Sales Department :
Basement in 'Swati', Mandir Marg, New Delhi 110 001

*Regional Offices :*
172, M. M. G. S. Marg, Dadar (East), Bombay - 400 014
'Jeevan Tara', 23A/44X, Diamond Harbour Road, Calcutta - 700 053
29, Eldams Road, Teynampet, Madras - 600 018

ISBN 81-7201-035-4
Library IIAS, Shimla
KO 891.440 92 C 392 S
00115764
*Printed by :*
Rite Print
77, Shivadas Champshi Marg
Mazgaon, Bombay - 400 010
SAHITYA AKADEMI
REVISED PRICE Rs. 15-00

# मांडावळ

## विशय प्रवेश


1) सुरवेच्यो कादंबऱ्यो 9

2) मदल्या काळांतल्यो कादंबऱ्यो 17

3) निमण्या काळांतल्या कादंबऱ्यो 30

4) साहित्य समीक्षा 37

5) सरभरस बरपावळ 43


## परिशिष्ट


* वंदे मातरम् 1876 –1976 46

* बंकिमचंद्रांची ग्रंथ संपदा 53

# प्रस्तावना

अर्विल्ल्या भारतीय साहित्याच्या घडोवप्यांमदी बंकीमचंद्राची सीवात एकमेव अद्वितीय अशी. तांची जल्मशताब्दी 1938 त मनयल्ली. पुण शताब्दी सुवाळे म्हणटात ते हालीसाराक वचत थय जावनआतां सवाय जाल्यात - एक फॅशनशी - आनी जायत्या कमी प्रतीच्या बरोवप्यांच्रेय अशेतरेन स्मरण जालां. पण दुर्गेशनंदिनी (मुखेल्याची धूव) हे तांचे पयले कादंबरेची शताब्दी 1965 त मनयली ही गजाल मतीत धरींसारकी. अशेतरेन एकादया पुस्तकाचो भोवमान करपांत किर्ते आगळें वेगळें आनी खाशेले अशें कोणाक दिसलेनां कारण दुर्गेशनंदिनी हे कादंबरेन बंगाली ललित साहित्यातच न्हय तर अर्विल्ल्या भारतीय साहित्यात एक नवी दिशा दाखोवन दिली. ही कादंबरी उजवाडा येत सावन बंगाली आनी अर्विल्ल्या भारतीय ललित साहित्याच्या प्रवाहाचोच अदमास मेळटा. 1865 त बंगाली ललित गद्यांत नांव घेवपासारकें व्हडलेंशे कांयच नाशिल्लें. दुर्गेशनंदिनी उजवाडा आयली आनी अचकीत बंगाली ललित साहित्य वयात आयलें.

ह्यांपयलींय कांय व्हड पुस्तकांची शताब्दी मनयल्ली आमी आयकल्ली, ना अशे न्हय. देखीक, शेक्सपियराचो पयलो फोलियो. पुण अशेतरेचो भोवमान फक्त एका गीताक मेळिल्लो कोणे आयकला? आयज देशभक्त आनी काव्याचे तशेच संगीताचे मोगी बंकिमचंद्राच्या 'वंदे मातरम्' ची शंबरी तरातरांनी मनयताना आमी पळयतात. हे गीत ताणी आनंदमठ हे आपणाले कादंबरेत घाल्ले. ह्याच थरथरावपी स्फूर्तिगीतान विंगड विंगड भासो उलोवपी, भिन्न धर्मीय, विविध प्रांती लोकांक एकठाय हाडून हे राष्ट्र एक म्हणपाची भावना जागयली आनी एकवटान सुटके झूज चलोवपाची प्रेरणा दिली. आता देशाक स्वातंत्र्य मेळळांच ह्या फुर्डेय हे गीत लोकांक फुडले जिवीत समृद्ध करपाक स्फूर्त दितले. अशे तरेचे जिवीत स्वतंत्रतायेतूंच फुलुक पावता. बंकिमचंद्रानी आपणाल्या सृजनात्मक आनी समीत्मक साहित्यात हाचीच फास्की चितारल्या.

बंगाली फुडाऱ्यांचोच विचार केल्यार आमच्यांनी म्हणू येता की भारतीय पुनरूज्जीवनाचे दोन टप्पे आशिल्ले. पयल्या टप्प्यात राममोहन रॉय उद्गाते आशिल्ले. पुर्विल्ले व्याकरण, निरूपयोगी सूक्ष्म धर्मिक भोगावळ आनी अंधश्रद्धेचेर

आदारिल्ले आचरण हांच्या बंदेपणांतल्यान आमकां ताणी मेकळे करपाचो प्रयत्न केलो. ही चळवळ पुरोगामी जाल्यान आमकां तांणी अस्तन्तेच्या बुद्धीप्रामाण्यवादाक आनी विज्ञानाक फुडो करपाक शिकयलें. दुसऱ्या टप्प्यांत आमी फुडें पळोवपी तशेंच फाटीयं पळोवपी आसले. अति अस्तन्तेकरणाचे आड प्रतिक्रिया जाताली आती पोरणें - नवें एकठांय हाडून घडयल्ल्या अशा एकत्रित जिवीत - तत्वज्ञानाचो सांगड बांदपाचो वावर जालो, बुद्धीवादाक पोसवण मेळळी. हाचे म्हालगडे पुरस्कर्ते जाले ते बंकिमचंद्रच. ताणी आपणाले संस्कृतायेच्या धर्माची शिकवण दिली जातूत भगवत्‌गीतेतलें देवाचे अस्तित्व मानपी तत्व आनी आगुस्त काँतेचे 'पॉझिटीवीझम्' एकठाय. हाडिल्ली.

'जोव्हा'चे तकलेंतल्यान 'मिनर्व्हा' येवंची त्याप्रमाण बंकिमचंद्रांचे लिरवर्णेतल्यान केवळ ललीत गद्य फुलून फळाक आयलें हे तर जालेंच. त्या भायर तांणी आपणाल्या साहित्यातल्यान साहित्याचे अभिरूचीचे मानदंड दिले आनी सर्जनशील वरपावळ जोखपाचीयं तत्त्वां रूजवणा घाली. हें ताणी आपणाल्या कादंबऱ्यांतल्यान आनी निबंद-लेखांतल्यान केले. तांचे चडशे निबंद तांच्या 'बंगदर्शन' ह्या नेमाळ्यांतल्यान उजवाडा आयलें. हें नेमाळे तशें बंगालीत पयलेंच ललीत नेमाळें नासलें जाल्यारूय पयलीच्या सगल्या साहित्यीक नेमाळयांपरस हाचो कस खूब वयलो आसलो, ताच्या उपरांतच्या क्वचीत एकाद्या नेमाळ्याक एदी उंचाय होलमल्या. ताचो म्हत्त्वाचो गुण म्हळ्यार निःपक्षपातीपण, आपले खातीर आपणेच थारायल्लो एक खाशेलो कस दाखोंवपी पावंडो, फावोशी अभ्यासपूर्णताय, विशय आशयाची नितळ बरी विस्कटावणी आनी समीक्षात्मक निबंदांतले तटस्थ धोरण ह्याच साबार कारणांक लागून बंकीमचंद्रांक वंदे मातरम्‌चो संदेस दिवपी केवळ एक व्हड कादंबरीकार वा रूशी मानताले, इतलेंच न्हयं तर तांकां साहित्याचो सम्राटय मानताले. भारताचो सर्वश्रेष्ठ कवी रबिन्द्रनाथ टागोर हांकांलेगीत हो मान मेळूंक ना, तशे पळयल्यावर टागोरांनी वेगवेगळ्या तासांचे तांचेपरसूय चड बरप केल्लें. बंकिमचंद्रांच्या मरणाउपरान्त बंगदर्शनाचे पुनरूज्जीवन जावन एका वेळार टागोर ताचो संपादक जाल्लो; पुण बंकिमचंद्राच्या मरणान जी पोकळसाण बंगदर्शनांत आयिल्ली, ती भरून काडप मात टागोरांकय जमलेंना. हे बाबतीत तुळा करचीच जाली जाल्ल्यार डॉ. जॉन्सना वांगाडाच करूं येता.

जॉन्सनाक साहित्याचो हुकूमशाह म्हणटाले. ह्या दोगांय मनशां मदलो फरक आनी साम्य आमकां थोडेभोंव शिकोवपी. सार्वभौम कल्पनाशक्ती लाबिल्ले बंकीम आपले फाटल्यान खूब वयल्या पावंड्याची साहित्य संपदा दवरून गेले. जॉन्सनाची व्हडांत व्हड गिरेस्तकाय म्हळ्यार तांची असामान्य सामान्यबुद्द आनी तांचे चडशें अजरवर साहित्यीक देणे सर्जनशील साहित्याभायल्या वाठारांत चडशें करून

आसलें - तांचो शब्दकोश, शेक्सपियराच्या आवृत्त्यांचे संपादन आनी काय कवींची जीवनचरित्रां हे निमणे पुस्तक चरित्र साहित्यापरस, चड समिक्षात्मक स्वरूपाचे आसलें. दोगांयमदी इतले वेगळेपण आसतनाय आनि बंकिमचंद्र जॉन्सनाची टीका करताले आसतनाय दोगूय जाण एकमतान मानताले कि जिवीत आनी साहित्य हांचो परस्पर संबंद आसता. दोगांयनी शास्त्रशुद्ध आनी शैलीदार साहित्याचे निकश आनी तत्त्वा घालून दिवपाचो यत्न केलो. बरी अभिरूची आनी अचूक मुल्यमापन करपाची तत्त्वां पुरस्कृत केली. दोगांयनी कल्पनारम्य साहित्यिक कृतीक एका उच्च जीविताचो आदार अशेंच मानलें.

निमाणेकडेन, येद्या व्हडल्या मनशाचेर हें येदेंशें सुपुल्लें पुस्तक हांवें बरयले म्हुण म्हाका माफी मागची अशें दिसतां. ह्या पुस्तकांच्या त्रुट्यांची बरप्याक जाणवीकाय असां तितली दुसऱ्या कोणाकूच आसची नां. हांव फक्त इतलेंच म्हणन की म्हजो पयलीचो विद्यार्थ्यी कलकत्याचा प्रेसिर्डेसिसी कॉलेजचो प्रो. अशोक कुमार मुखर्जी हाणें बारीक लक्ष दिवक नाशींल्लें जाल्यार ह्यो त्रुट्यो चडूच स्पष्टपणान दिश्टी पडपाच्यो.

पाँडिचरीच्या श्री. अरविंद आश्रमांन म्हाका श्री. अरविंदांनी केल्ल्या 'बंदे मातरंम्' च्या भाषांतराचे पुनर्मुद्रण करपांक मान्यंताय दिली म्हूण हांव तांच्या रिणांत असां. त्याचप्रमाण ही मान्यताय रोखंडीच मेळोवन दिवपाचे काम करपी कलकत्याचे श्री. एच्. के. नियोगी हांचोय हांव उपकारी आसां.

सप्टेंबर 1976 एन्. सी. सेनगुप्ता.

# विशय प्रवेश

बंकिमचंद्रांचो बंगाली साहित्यांतलो उदय हो मळबांतल्या सुर्योदयांभाशेन अशें मानतात. फांतोडेर मातशी काळखी आसतां आनी अचकीत धारेर सूर्य दिसता, उजवाड फांकतां आनी सगले कर्डेन लोक कामांक लागतात. बंगाली साहित्य, तशें पळयल्यांर भारतीय साहित्यच एकतरेचें झेमेल्लें आवतीकायेत आसलें. 1865 त 'दुर्गेशनंदीनी' उजवाडा आयली आनी उपरांत 'कपालकुंडलां' आनी हेर कादंबऱ्यो सटासट भायर सल्ल्यों. म्हणजेच साहित्यीक संसार व्हड सुस्त न्हिदेंतल्यांतन जागो जालो आनी रोखडोच 'वंदें मातरम्'चो संदेस दरेकाच्या ओंठार घोळूंक लागलो.

पुण दिसतां तितले अकस्मात हें सगळें घडले काय किर्ते? एक गजाल म्हणजे भोंवतणी विविध शक्यतायो आसल्यो. अशा काळार बंकिमचंद्र 26 जून 1838त जन्मलें. तिनूच वर्सा पयली इंग्लिश ही भारतांची राज्यभास आनी शिक्षणांचे माध्यम म्हूण आसनार बशील्ली. कलकत्याचें हिंदू कॉलेज बदलून 1855त ताचें प्रेसिडेंसी कॉलेज जालें. 1857त तीन विद्यापिठां स्थापन जाली आनी बंकिमचंद्र कलकत्ता विद्यापिठाचे पयले स्नातक 1858त जालें. पुण त्याच बराबर हाचेर प्रतिक्रियात्मक घडणूकोय जावक लागिल्ल्यों. ह्यों घडणूको ब्रिटिशाक विरोधी आसल्यों तश्योंच अस्तती जिवीत पद्धती आनी विचारांकूय विरोध करपी आसल्यों. हाचो परिणाम म्हणून 1857चें बंड जालें. सांगपाचे म्हळयार फावोसो 'काळ-वेळ' तयार आसलो आनी उत्फर्क्याक वाट करून दिवपाक मुदयेर थिकसो 'योग्य' मनीस आशिल्लों.

1858त बंकिमचंद्र डेप्युटी मॅजिस्ट्रेट म्हूण सराकरी नोकरेंत रूजू जाले. अस्तंत बंगाल, उदेंत बंगाल, ओरिसाबी सांबार वाठारांनी तांच्यो बदल्यो जाल्यो. हे सगळे वाठार त्याकाळार बंगांलातूच मोडटाले. 1891त ते सेवानिवृत जाले अधिकारी म्हुण तांचे बरें नांव जाल्लें. चोख काम करपी, कुशळ प्रशासक आनी आयल्या वावरांत मनीसकाय घोळोवपी अधिकारी म्हुण तांका वळखतालें. उपरांतच्या काळांत तांका सदांच एक खंत भोगताली. परकी शेकाक लागून हांगांच्या लोकांच्या नीज गुणांक फावो तितलो वाव मेळना. मतीत घेवपासारकी खेदाची गजाल म्हळयार त्या काळावेल्या एकोणिसाव्या शेंकड्यांतल्या सर्वश्रेष्ठ प्रतिभावंताक बंगाल सरकारांत कार्यकारी पालवी सचीवापरस व्हडलो हुद्दो मेळूंक पावलोना. 1891त बंकिमचंद्र सेवेंतल्यान निवृत जाले त्याआदीच भारतीय राष्टीय कॉंग्रेस स्थपन जावन फकत स वरसां जाल्ली. त्या वेळार ते बंगालीतले सगळ्यांत व्हड साहित्यीक तर आशिल्लेंच त्याभायर भारतांतूय सर्वश्रेष्ठ म्हूण तांची नामना जाल्ली. तांच्या कांय

पुस्तकांची भाशांतरां इंग्लीश आनी हेर कांय भासांनी जावन आइल्ली. पुण निवृत्तीवेळारच तांची भलायकी बरी नासली. 1894 वरसाचे सुरवेक ते गंभीर वायटान हातरूणार पडले आनी अखेरक त्याच वरसा 8 एप्रिलांक ते भायर पडले.

बँकिमचंद्रांचो साहित्यिक वावर म्हळयार चवदा कादंबऱ्यो (एक इंग्लिशीत) आनी विविध गद्याची हेर जायती पुस्तकां; (कवितेची दखल घेतली ना जाल्यार) ही लेखन संपदा दोन वा तीन कालखंडात मोडटा. तांच्या पयलीच्या आनी मागीरच्या साहित्याची वर्गवारी करताना श्री. अरविंद म्हणटात : 'पयलींचो बँकिमचंद्र हो फक्त कवी आनी शैलीकार- उपरांतचो बँकिम हो द्रष्टो आनी राष्टनिर्मातो'. हेर जायत्या जाणांक घडये मागीरच्यां तांच्या कादबंऱ्यांत देवते कळेच्यो कुरवो आनी सुर्वेच्या कवीत खरेलो निखटो कवी आनी शैलीकार दिसूं येता.

खरे म्हळ्यार एकाद्या व्हड प्रतिभावंत बरवप्याचे मोलमाप तांच्या संपुर्ण साहित्यावल्यान जावंक फावो. चेस्टरटनान म्हळां ते भाशेन एक बरी काणी म्हळ्यार उपदेस आनी तात्पर्य जाल्यार वायट काणीय एक धडो दिवं शकतां जाल्यारय विश्लेशणांचे सोयीखातीर विचारवंत बँकिमचंद्राचो विचार हांगा आमच्यानी पयली करू येता आनी उपरांत तांच्या कादंबरीकार म्हूण मोळिल्ल्या चड चिरंतन येसाची चर्चा करू येता. तशें पळयल्यार ही पद्धत कार्यक्रमाचे नदरेन समा जावची ना. कारण तांच्या अखेरच्या साहित्याचो निबंद आनी कादंबरीमार्फत - आमकां पयली नियाळ करचो पडत आनी उपरांत तांच्या ऐन जुवानपणातल्या कादंबऱ्यांकडेन वळचें पडत

19व्या शेंकड्यात जें पुनरूत्थान घडून येवंक पांवलें ताका बंगालचे पुनरूत्थान वा भारतीय पुनरूज्जीवन अशें म्हणटात. हाचे प्रणेते आनी म्हालगडे आसले राजाराममोहन रॉय पुण काय बाबतीत हें वर्णन चुकीचें म्हणूंक जाय. 1453त कॉन्स्टेंटिनोपालचो पराजय जाल्याउपरांत पोरण्या ग्रंथाच्या अभ्यासकांनी अस्तंत विस्वाकडेन धांव घेवन जो प्रभाव घालो ताची कायकडेन चडूच अपूरबाय जाल्या. पुण आदल्या ग्रीक महाग्रंथाच्या नव्या परिचयाक लागून युरोपी पुनरूत्थानाक वाट मोकळी करून दिली ही गजाल खरी. मुखेलपणान तें आदले परंपरेचे पुनरूज्जीवन आसलें. हांगचो भारतात पुनरूत्थान म्हळ्यार आमच्या पुर्वापार साहित्य, आध्यात्म, समाजवेवस्था हांचे वेले स्त्रद्धेक हालोवप असो आसलो. ह्यो स्रद्धा हालीच्या आनी परकी गजालीचेर आदारून आसल्यो देखूनच सुरवेक लेगीत पोरणे आनी नवें, हांगांचे आनी भायलें हांचेमंदी तणाव आनी विचाराचो संघर्ष आसलो. राममोहनान सरकारी संस्कृत कॉलेजीचे थापणुकेक विरोध केलो. तांका दिसतालें, हें कॉलेज म्हळ्यार अंधस्त्रध्दांक पोसवण दिवपी गजालीचो अड्डो जातलों. तरीयजावन कॉलेज जालें. आनी अजाप म्हळ्यार पंडीत इश्वरचंद्र विद्यासागरासारकिलो मनीस तातूंतल्यानूच फुडें आयलो. विद्यासागर जल्मान सनातनी ब्राम्हण आसले पुण मनान युरोपी आसले. ताणी आपणाली विद्वत्ता

वापरून पोरण्या ग्रंथांतल्यान दृष्टान्त दिवन आपणाले आधुनिक सुधारणेचे विचार लोकांच्या मनात रिगयले. ख्रिस्ती मिशनरी खूब वावुरताले असतानाच नवो धर्म मुखार आयलो तो ब्राह्मोवाद जाचेर इस्लाम आनी एकत्ववाद हांचो प्रभाव आसलो. पुण तो उपनीषदां आनी अद्वैत्व वेदांताकडेन दाट संबंध राखून रावलो. ब्राम्होवादाक लागून हिंदू विचाराक एक नवे मोडण मेळ्ळें पुण जाती - पातीनी पोखरिल्ल्या हिंदू समाजान जाती - पाती ना केल्यो नात. आनी पुजा आनी भक्तिंचे बाबतीत असंख्य देवदेवतांची उपासनाच चालू उल्ली.
हे फाटभूंयेचेर आमी बंकिमचंद्रांचे विचार तपासून पळोवयाचे आनी तातूंत तरातरां संस्कृतायांचे कशें मिश्रण जाल्लें तेंय नियाळपाचें. तांच्या सगल्या बरपात एक सूत्र मेळटा आनी तें म्हळ्यार सुख आनी व्हडपण मेळोवपाक संयमाचो भर दिवप. शशिशेखर भट्टाचार्य एक बेबंद जुवान मनीस आसता जाचें ध्येयूच जशें किते अनौरस संतत जल्मा घालप. पुण बंकिमचंद्रांची पयलीच कादंबरी 'दुर्गेशनंदिनी' सुरू जाता तेन्ना तो एक संन्यासी, साधू आनी विरक्त मनीस आसता. ताणे आपणाल्या वान्सांचेर पुराय तावो जोडिल्लो आसता. तांची दुसरी कादंबरी 'कपालकुंडला'. हातुंतली माटी विबी मोगल दरबारांतली एक सुख भोगी बायल; हया फुलावेल्यान त्या फुलार बसून फकत म्होव चाखपी. पुण अशेतरेच्या सुखाचो सोद व्यर्थ म्हणपाचें तिका कळटा ते खूब वरसांपयली वेगल्या जाल्ल्या आपणाल्या घोवाच्याच मोगांत ती पडटा तेन्ना. तांची चवथी कादंबरी 'विषवृक्ष' वा विखाचो रूख. ही कादंबरी म्हळ्यार सयमाची देख दिवपी एक पाठच म्हणू येता. हो पाठ दिवपाचे प्रयत्न बंकिमचंद्रानी मुद्दाम दिवपाचो प्रयत्न कादंबऱ्यानी आनी लेखानी जायतेकडेन शास्त्रांच्या आदारासयत केल्लो दिश्टी पडटा.

बंकिमचंद्र सुरवेक कवी आनी मुखार दृष्टो आनी उपदेशक जायत गेले अशें म्हणूं नजो. उपदेश दिवपाकडेन तांचो मागीरच्या काळात चड अेडो दिसता हें खरें आनी तांचे सर्जनशीलतायेक अदीमदी सुकती येवंक लागिल्ली हेंवूय खरें पुण तांच्या विकासाची प्रक्रिया आनी दिशा तुटनासताना फुडें गेली. मनीस सुखाचे जैत जोडटा तो भोगान न्हय तर संयमान पुण वैराग्य वा विरक्ती ही नकारात्मक साधना जाली. आनी मुखार व्हडलें उद्दीष्ट नासल्यार जिवीत रितें पोकें जावं येता. जिवीत हे समृद्ध जावपाकडेन वचूंक सोदता ते फुलाभाशेन सगल्या पाकळ्यांनी फुलून धाय दिको परमळुक जाय. डार्विन आनी हार्बर्ट स्पेन्सर हांचे बरपावळीकडेन बंकिमचंद्रांची वळख आशिल्ली. पुण तांचे विचारसरणीचो संबंद चड आसलो तो सृजनात्मक उत्क्रांतीकडेन. जिवीत म्हळ्यार आमच्या सगळ्या विविध सुप्त गुणांचो विकास, पुराय व्यक्तिमत्व पूर्णपणान विकसीत जावपाचो सतत हावेस बाळगप. भौतिक, आधिभौतिक आनी वैचारीक. धर्मतत्व म्हळ्यार संस्कृताय, उच्चतम जिवीताचे फळ अशे सीलीयन म्हणिल्ले आणि आपणाले 'देवी चौधुराणी' कादंबरीचे ब्रिदवाक्य म्हुण बंदिमचंद्रान ते आपणायल्ले.

बंकिमचंद्रान आपणाले नदरेतल्यान भगवान श्रीकृष्णाचे कथेचो अर्थ दिला.

ताणी कृष्णाक देवाचो अवतार मानूक ना तर ताका मनशामदलो मनीस मानला. अशेतरेन ताणी थोड्याभोव प्रमाणात उर्देती आनी अस्तेती विचारांचो सांगड सादला. संस्कृतायाधिष्ठीत धर्माचो विचार ताणी अस्तंतेकडल्यान घेतलो जाल्यार हांचे मूर्त रूप ताका उदेन्तेंत मेळ्ळें ते महाभारतातल्या कृष्णांत ताणी आरव्यायिका आनी दंतकथां कडेक काढून कृष्ण महाभारताच्या मूळ थरांर जसो मेळटा तसोच ताका चित्रायला. हातूत ताका पुराय येस मेळूंक ना. रवीद्रनाथ टागोरांनी म्हळा तर्शे हो कृष्ण मनशामदलो ल्हान मनीस. एके संकल्पनेचे आनी निराकार प्रतिकाचेचं तें व्हडलें रूप. पुण हांगा आमका चड म्हत्त्वाचे ते कलात्मक मांडणेपरस वा सादरीकरणापरस मूळ कल्पना. महाभारतांत आनी उपरांत कृष्णाची कथा सांगल्या ते तीनूय पोड सोडोवन वेगवेगळें करपाचो येत्न बंकिमचंद्र करतात. पुण ते तीनूय धागे महाभारतात आसात पयल्या पावंडयार कृष्ण मनशावरी चलता, आनी ताचो देव म्हणून उल्लेख येना. उपरांत चड करून भागवत कथेत तांका देवाचो अवतांर मानला आनी अध्यात्मिक प्रतिक असो ताचो वापर केला. ताच्याय उपरांत कृष्ण हो वैष्णवांचे देव जाता जो भोगाचे प्रतिक आनी तरातरांच्यो रतिक्रिडा तांचे भोंवतणी एकठांय येतात. बंकिमचद्र तांचे नदरेन मुळावे अशिल्ले महाभारतांचे कथेचेर थिरावतात आनी तांका थंय कृष्ण हो पुरायेन मनीसूच म्हणपांचे दिसतां. ह्या कृष्णांन आपणाले सगले शारिरीक वैचारिक, नैतिक बी गुण फुलोवन आपणाले पुराय व्यक्तिमत्व फुलयला आनी ते पुराय विकसीत व्यक्तिमत्व महाभारतातल्या वेगवेगळ्या आरख्यानांनी आनी प्रसंगांनी कार्यरत आसा चड करून पांडवांचे कथेच्या संदर्भात कुरूक्षेत्राचेर जे म्हाझूज जाले ताचे फाटल्यान कृष्णांचो हेतू आनी उद्देश किर्तें आसूं येतां? बंकिमचंद्रांच्या मतान, महाभारतांत त्यावेळार ल्हान ल्हान राज्यां आशिल्लीं जी आपांपसांत झगडत आसतांली. म्हण्टकच सबंद देस एके सत्रेखाला आनी एकाच राज्यकर्त्याच्या शेकखाला हाडलेबगर दुसरो उपायूच नाशिल्लो. हे उद्दिष्ट सादून घेतलो जाल्यार ल्हान ल्हान राज्यांक ना करून उडावप गरजेचे आशिल्ल. लांब काळाच्या त्या झूंजाचे हेच मूळ कारण. ह्या झूंजात धाकलें धाकलें राजा ना नपश्चात जावन गेले. ह्या विवेचनोतलो ऐतिहासीक तपशिल घडये काल्पनीक आसत. पुण आमका ताचे लागना. आमका महत्वाची गजाल ती बंकिमचंद्रांच्या तत्वज्ञानाची. हेर जायत्या गजालीच्या संदर्भात केले तर्शेच बंकिमचंद्रानी हांगाय कर्तव्याची आपणाली अर्शी तत्वमिमांसा मांडल्या. कुरूक्षेत्राचेर जाल्ल्या रणखेवांचे गवाय जावन तें सगले भिराकूळ नाटक कृष्ण पळयता. तो सव्हार टाळपाखातिर ताणे येत्न केले ना. वेल्यान जाल्यार ते जावचे म्हूण ताणे थोडोभोव हातभार लायलां अर्शे म्हणू येता. हे ताणे कित्याखातिर केलें? बंकिमचंद्राचे कल्पनेतले तत्त्वूच हाका कारण जाले. हे हवेतल्यान येना. परिस्थितीच ताका कारण आसता. हालिच्या काळार काय लोक ताका सामाजिक - आर्थिक कारणां म्हणटात. देव म्हणून कृष्णाक भारताची जी आवतीकाय दिसली तेन्ना तांका पटलें की शांतताय आनी उदरगत ह्या

सव्हारातल्यान घडून येव येता. देखुनूच ते ताचे आनी अर्जुनाचे कर्तव्य जाले. नवो फुडार घडोवपापासत पोरण्याचो नाश करपाचो वावर ताकाच पुराय करचो पडलों.

हांगां बंकिमचंद्रांच्या विचारातल्या सनातनी गजालीच्या मुळाकूच आमी आफुडटांत म्हळ्यार जाता. ज्या समाजांत आमी बंदिस्त आसतांत ते समाजवेवस्थचे प्रत्यक्ष आवतिकायेचेरूच कर्तव्य हे आदारून आसता. अचकित उप्रासपी भावना वा नवे सिद्धांत ताका कारण जाय नांत. कृष्णांची जी जायती लग्नां जाल्यात म्हणटात त्याविशी येवजिताना बंकिमचंद्रानी अशेंच स्पष्टिकरण केला. कृष्णांच्या सबार लग्नांच्या संदर्भात अतितायेच्यो दंतकथा आसात हे ताणी सांगला. पुण ते म्हणटात की महाभारताच्या सुरवेच्या भागांत कृष्णांक एकापरस चड बायलो अशिल्लें अशेंय जरी सिद्ध जालें तरी ताका दोशी थाराव नजो, कारण त्या काळांत घडये अशी सर्रास प्रथाच आशिल्ली. ह्याच कारणाक लागून मलबारी साराकेल्या समाजसुधारकांक बंकिमचंद्राचो विरोध आशिल्लो. बहुभार्या पद्धतीचे वा अशें तरेच्या समाजातल्या पाड्या प्रवृत्तीचो पुरस्कार केला अशें न्हय. तांका दिसताले. की नैतिक वा राजकी उदर्गतीमार्फतीनूच खरेली उदरगत साध्य करून घेवं येता. अशें जातकच समाजीक आगळीको आपसुकूच ना जातल्यो. तत्त्वाचेरूच आदारून तांका ईश्वरचंद्र विद्यासागरासारकेल्या श्रेष्ठ समाज सुधारकाच्या वावरातूय अतिउत्साहाचो वास जाणवलो.

'धर्मतत्त्व' आनी हेर कायं पुस्तकांनी ताणी महाभारतातलो कृष्ण आपणाले काम सादोवन घेवपाखातिर कोणाचोय आनी कसोय गैरफायदो घेवपी संदसादू पळयलेभितर दिसता. तांका पळयव्यार आमका बर्नार्ड शॉच्या सीझर आनी हांचो उलस जावंये गडा तेवूय. अशेच संदसादू पुण भौतिक येस हे जिवितांचे एकमेव ध्येय अशें बंकिमचंद्र धरिनात. मनशाच्या सगल्या कतुर्वाचे एकच ध्येय आसूं येता. फक्त चडांतचड लोकांचे बरे इतलेंच न्हय तर समस्त मनीस कुळयेचे वा प्राणीमात्राचे कल्याण कृष्णांक जर संबंद प्रणिमात्रांचो कर्तो मानला जाल्यार सेवा होंच प्रार्थनेचो उत्तम प्रकार मानू येता. बंकिमचंद्र एक राजकी चिंतक आशिल्ले. भारतातले ब्रिटिश राजवटीचे तशेंच क्रांतीकारक हाणी बंकिमचंद्रांचे प्रभूत्व मान्य केल्ले दिसता. पुण तांच्या राजकी विचारांत विरोधाभास दिसना. लोकांक सर्वांगिण सुरळीत विकासाच्यो संधी मेळवन दिवपांखातीरूच सरकारा आसतात. अशो संदी जर लोकांक मेळळ्यो जाल्यार विदेशी राजवट ही एक बरी गजाल थारू येता. ते बंगालांतली मोगल राजवट आनी पठाणी राजवट हांची तुळा करतात. प्रशासक म्हुण पठाणापरस मोगल श्रेष्ठ आसले. पुण तांणी देशी कर्तबगारयेक वाव दिलो ना. पुण पठाणांनी मात तो दिलो आनी बंगालांत हिंदूंचे पुनरूत्थान जाल्ले. नव्यन्याय आनी वैष्णव तत्वज्ञाना वांगडाच हेर कायं गजालीचे उदरगती वेल्यान हे स्पष्ट जाता. ब्रिटीशांची वा हेर खयच्याय लोकांची भारतांतली राजवट ही ह्याच कसाक लावन मेजूंक जाय.

लोकांचें कल्याण म्हणजे रघुनाथ शिरोमणी वा रघुनंदन वा श्रीचैतन्य हांचे

सारकिल्ल्या अवघ्याच हुशार लोकांचें कल्याण न्हंय. हे कल्याण ल्हानाव्हडाचें, गरीबा गिरेस्तांचें. आनी हेर सगल्याचेंय जावंक जाय. हांगां आमकां बंकिमचंद्रांच्या विचारांचे दुसरें तोक दिसतां. तें म्हणजे ताचो क्रांतिकारी आदर्श वाद. ते समानतायेचे पुरस्कर्ते पुण तांकां सगले भेदभाव आनी भिन्नताय ना जाल्लीय नाका. बरकाचे म्हणणे उफराटे करून तें घडये म्हणटले की समान पावडयाक हाडप म्हणजे सपाट करप न्हय. वेगवेगळे पावडें आसचेच. ट्रायलस आनी क्रिसिडांत युलिसिसांत दाखयला त्याप्रमाण. पुण समाज व्यवस्थेंत आनी सरकारांत लोकांक संदीचे आनी सवलतीचे बाबतीत समानताय दिवंकूच जाय. शॉच्यां आल्फ्रेड डूलीटलावरीच बंकिमचंद्रांचो कमलाकांत गरीब - अडचल्लयांचो कैवारी. कमलाकांताचे माजर म्हणटा, हांवे तुगेले दूद चोरून पियेल्ले म्हुण तू म्हाका बडयेन मारता - हेचं कोणे गिरेस्तान वा व्हडल्या एकाद्या पंडितान पियेल्ले जाल्ल्यार तू वेल्ल्यान खोशी जावपाचो. अशें कित्याक? म्हाका किते कमी भूक लागता अशें आसा? ह्या उमाळ्याच्या प्रभावानूच बंकिमचंद्रांनी जाहीर आवाहन केल्ले. खूब पयली म्हळ्यार फाटल्या शेकड्याचे सत्तरेत कायम राबित्याची वेवस्था कायदो रद्द करून सगळी जमीन भूमीहीनांक वाटून दिवपाचे. कसता तो वसता ह्या तत्त्वाचेर आदारिल्लो हो विचार. नितिशास्त्राचे मुळावे तत्त्व जावन आशिल्या आत्मसंयम आनी मानीसपणाच्या वेव्हाराविशी किते अशें कोणूय विचारीत. बंकिमचंद्र देवाचे आसप मानताले आनी तांच्या मतांक देवाचे अस्तित्व पयलीं मानून घेतलेबगर फुडे चर्चा आनी भासाभासूच करू नजो. त्याचबराबर तें बुद्धिप्रामाण्यवादीय आशिल्ले. हे बाबतीत तांच्या विचारांचेर आनी तर्कपद्धतीचेर 18व्या शेकड्यातल्या युरोपी विचारवंतांचो आनी वेव्हारवादी तर्शेच हयकारवादाचोय पगडो अशिल्लो. पुण ह्या नास्तिकवादी तत्त्वांचेर ताणी प्रतिक्रिया उक्तायळी आनी मिलाच्या प्रभावाखाला येवन बरयल्लें कांय निबंध आडावन दवरले; कमलाकांता मार्फतीन व्यवहारवादाचीय मस्करी केली. मनशांन आपणाली सगली कर्तुब्रा देवाक ओपची अशें तें म्हणटाले. आनंदमठ पुस्तकाचे प्रस्तावनेंत ताणी म्हळां कि भाक्ती वा धार्मिकभाव वांगडा नासल्यार आत्मबलिदानाचो कांयच उपेग ना. हे बाबतीत तें कसल्याच दुबावाक आनी वादाक सवलत दिनासले. देव सगल्या चराचरांत वसता आनी तोच अंतीम संचालक आनी न्यायाधिश हे मान्य केल्यार आमी सगल्या संवसाराचेर आनी मनीसकुळयेचेर खरेलो आनी निःस्वार्थी मोग करतलें. आमी निःस्वार्थीपणांन कामां करतले अशें ते म्हणटात. खरे म्हळ्यार हो विचार बुद्धिप्रामाण्यावादी न्हय, जालोच जाल्यार हो दैववाद म्हणपाचो जातूत जे विज्ञानीक तरेन सिद्ध जायना वा दाखोवक मेळनां ताचे अस्तित्व आमी जमेक धरून फुडें वतांत. अशें करतकच मागीर जणअेकलो सध्याचे वास्तव आनी फाटलो इतिहास हांच्या आदारांन तार्किक चर्चा करपाक मेकळो. पुण लोकांविशी कळवळो आनी देवाविशी भक्ति दाखयतकीर लोक बरेतरेंन वागतले आनी लोकांचे कल्याण जातले हाची खात्री कोणाच्यान दिव येता व्हय? मनीस कुळयेक आनी जायत्या लोकांक

पिडपी कांय अती दुष्टांकूय त्या त्या वेळार दिसताले कि आपूण जें करता ते देवाचे इत्सेनूच. म्हण्टकच एकाद्रो अंधश्रद्ध अतिरेकी आनी देवभक्त आदर्शवादी आनी व्यवहारवादी हांचे मदली शीममेर नितळ बरी कोणे आखपांची? बरें, जाणी लोकांचे कल्याण नदरेमुखार दवरूनूय जायती आडांगपणा केल्यातं पिशा देवभक्तापरसूय चड जाणांक निष्ठुरपणांन कावार केल्ल्यात. बकिमचंद्रांनी आपणाल्या मुद्यांची चड चर्चा करूक ना. पुण कोणेय हरकत घेतल्यार तांचे म्हणणे आसताले कि लोकांचे कल्याण निखटे येवजूनूच कामायेना. तांच्या हक्काची आनी सवलतीचीय जाणविकाय आसूक फावो. हाशीम शेख आनी परण मंडळासारकिल्या जमीन कसतल्याक आनी रामा खारव्याकूय तांचे हक्क मेळूक फावो. कार्यक्षम सरकाराची ही म्हत्वाची कुरू. राष्ट्रिय प्रतिभेचो विकास घडून येतलो म्हणपाची खात्री बाळगप शक्य आसा. अशेतरेन जायत्या गजालीनी पुराणमतवादी आशिल्लें बंकिमचंद्र हांगां आयच्या समाजवादाचे द्रष्टे पुरस्कर्ते म्हुण मुखार येतात. मुखेलपणांन लोकांच्या आवाजाचे प्रतिनिधीत्व करपी म्हणुनूच आनदमठ ही एक उंचेल्या पावड्याची राजकी कादंबरी आसा. संन्याश्यांनी संवसाराचो त्याग केला तरीपुण ते लोकांवांगडा, लोकांखातीर आनी लोकांचे जावन रावल्यात. तांच्या हालचालीनी आनी चळवळीत लोकाचे उत्फर्के आनी अंदल्ले उमाळे उक्ते जातात. राष्ट्रभक्ती स्वदेशी तत्त्वाचे ते खरें गर्डे. कारण तेच हे भुयेचे खरेलें पूत. आता हे झगर्डे मुसलमानांआड काय ब्रिटीश शेकाविरूद्ध हो वाद अर्थ नाशिल्लों. शेक गाजोवपी पुण बरे शासन दिवंक अपेशी थारिल्ल्या दुर्बळ मुसलमान राजकर्त्यांआड संन्याशी आसले ही खरी गजाल. पुण ते चडशे झुजतात ते ब्रिटीशाआडूच. 'आनंदमठ' हे जायत्या क्रांतीकारी देशभक्तांचे, ब्रिटीशांक देसाभायर धावडावप्याचे आवंडे अशिल्ल्या फुडाऱ्यांचे बायवलूच जाल्लें. लोकांच्या हक्काखातीर झुजपी, कालातीत आनी खयंचेय सुवातेर चलपी चळवळीक ताणे उर्बा दिली. संन्याशी म्हणटा, ''जुवानपणाच्या ह्या हुवारा ल्हारांक कोण आडायत?''सगल्या देसांतल्या खयच्याय काळावेल्या तरण्याटाक आनी युवतीक हो एक उलो आनी सादूच आशिल्लों.

हेच नदरेन आमी बंदे मातरम् गिताचे खरें मूल्यमापन करपाचे आनी ताचे व्हडपण जाणपाचे. हे गीत म्हळ्यार भारताचे एक गिरेस्त, अप्रूप साहित्यीक भांडार. बंकिमचंद्रांचे प्रतिभेच्यो सगल्यों वळी एकठाय येवन हांगा तांचे एका मोगाच्या उच्च गीतांत रूपांतर जाला. सुजला, सुफला, सस्यशामले धर्तरी मातेक ते येवकार दितात, नमन करतात. पुण ती फक्त धरणी माताच न्हय तर ती परमेश्वराची सासाय. बंकिमचंद्रांनी हांगां दुर्गा, लक्ष्मी, सरस्वती आनी हेर जायत्या हिंदू देव देवतांकय होरायल्यात. देखून कांय धर्मकोल्ली लोकांची तक्रार आसली की हे गीत हिंदू मूर्ति पुजेखातीर बरंयला. सत्याचो हाचेपरस चड विपर्यास आसू नजो. हे कादंबरेचे अखेरेक आनी हेर जायतेकडेनय बंकिमचंद्रांनी स्वतःच बहुमूर्ती पुजेक लागून हिंदू धर्म इबाडला म्हूण खंत आनी राग

परगटायला. हांगा हिंदू देव देवता आयल्यात त्यो काव्यप्रकाराची गरज म्हुण. ख्रिस्ती काव्यातूय ग्रीक देवदेवतांचो असोच सुळसुळाट पळोवंक मेळटा. देशभक्तांचे नंदरेन देव म्हळयार एक सर्वव्यापी सासाय. मागीर तिका खयच्याय नावान वळखूंचे. हो खरेलो म्हत्वाचे मुद्दो. घडये हो मूर्तिपुजेचो एक नवो प्रकार जावं येता - टागोरांच्या द होम ॲन्ड द वर्ल्ड हातूंतले एक पात्र अशेतरेची भावना उत्कायता. पुण जर सगली सेवा देवाक ओपपाची आनी हे सेवेचे फळ म्हणचे जर लोकांचे कल्याण जाल्यार मागीर देशभक्तीकूय धार्मिक बुन्याद आसप गरजेचे अशें बंकिमचद्राक दिसताले. मातेनूच दैवी रूपानूच आमच्या भुजांक घटाय आनी कुडीत प्राण भरपाची आनी माता असले बळगे कोणाक दिता? एकादया राजाक, हुकुमशाक वा खंयंच्या पक्षाक ती दिना. ती दिता फक्त हे मातयेच्या सगल्या पुतांक आनी धुवांक तांची भुजा आवयखातीर झुजतली आनी चड म्हत्वाची गजाल, तांच्या मेकळ्या आवाजांतल्यान व्हडली गाज येवन झुजाचे बंड पेट्टले आनी राष्ट्रीय उमाळ्यांक आनी हावेसांक वाट मेळटली. बंकिमचंद्रांची एकूण संकल्पना हांगा उत्तुंग शिखरावरी, लांबरूंद आनी देशप्रेमाक ताणी धार्मिकतेची जोड दिली देखुनूच हे गीत राष्ट्रभक्तिचे स्फूर्तीगीत, बुन्याद जाले. हरशी बंगालाच्या एका ल्हानश्या गांवांत खांची कोनशाक ल्हानश्या मेळाव्यात म्हणिल्ले हे 19व्या शेकड्यांतले गीत भारतीय राष्ट्रवादाचे उत्कट अभिव्यक्तिचे प्रतीक जावंक पावंचे नाशिल्ले. अशें तरेचे देसभक्ति गीत क्वचित खंयचे भाशेत वाचूक मेळटले. हांगा तरेकतरां पोड आनी नक्षी, कलाकुसर भरशिल्यात. उत्तुंग, उत्कट उमाळ्यांक फावोशी अभिव्यक्ति दिल्या.

* * * * *

प्रकरण - 1

# सुखेच्यो कादंबऱ्यो

बंकिमचंद्रांच्या विचारांचे मौलिकतेचे वा कसाचे आमी इतले मोल मानून घेतात हो प्रस्न कडेक दवरल्यारय तांची अर्विल्ल्या भारताचे पयले कादंबरीकार म्हुण सुवात वादाविरयत थिर आसा अशें म्हणु येता. खुब फावटी तांची तुळा इंग्लीशीतल्या वॉल्टर स्कॉटावांगडाय केल्ली आसा. स्कॉटावरीच तांची नामना अदीमदी मात्शी पङ्ग्याआड गेली तरीय बकिमचंद्र व्हडांतल्या व्हड कादंबरीकारांमदले एक आसले अशेंच लोक मानीत रावतले. बंगाली कादंबरेच्या मळार देवंचेपयली बंकिमचंद्र 'संबद प्रभाकर' आनी 'संबद साधुरंजन' नेमाळ्यांनी आपणाली बरपावळ उजवाडायताले. ह्या नेमाळ्याचे संपादक आसले ईश्वरचंद्र गुप्त. बंकिमचंद्राची त्यावेळची ही बरपावळ चडशी पद्यांत आसताली. 'ललिता' आनी 'मानस' हे दोन कविता झेले 1856त उजवाडा आयले त्या वेळार बंकिमचंद्र विद्यार्थीदशेंतूच आशिल्ले. 1864त 'राजमोहनस वायफ्' (राजमोहनाची धरकान्न) ही तांची इंग्लीश कथा वांट्यावांट्यांनी 'इंडियन फिल्ड' नेमाळ्यात उजवाडा आयली. हे नेमाळे किशोरचंद मित्र संपादताले. पुण ह्या सुर्वेच्या बरंपानी तांचे प्रतिभेचो वा फुडल्या साहित्याचो मातूय अदमास मेळना देखून ताचेर चड चर्चा करचेली गरज ना. मतींत धरपाची गजाल, 'राजमोहनस् वायफ्' ते जिते आसतना पुस्तक रूपांन उजवाडा आयली ना. ती उजवाडा आयली बद्द 1935त. दुसरी गजाल, बंकिमचंद्र उपरांत आपणाले प्रतिभेच्या आनी येसाच्या घोसांर आशिल्ले त्या वेळार ताणी ही कथा बंगालीत अणकारपाक घेतली पुण सातव्या प्रकरणा उपरांत सोडून दिली. हाचे वेल्यान कळटा कि तांकाच हे कथेत आपणाले प्रतिभेचो वास दिसलो ना जावये.

'दुर्गेशनंदिनी' (1865)हे बंकिमचंद्राचे बंगाली कादंबरी क्षेत्रातले पयले पावल म्हणूक जाय. पुण तांका 'साहस' म्हणपूय चुकीचे, कारण तातूत काय दोश आसले. जाल्यारूय ती एक वयल्या पावड्यांची कलाकृती जाल्या. ही कादंबरी म्हळयार एक युगप्रवर्तक रचना थारली. एका घोडेस्वाराच्या विष्णुपूर ते गढ मंदारन मेरेनच्या प्रवासाच्या वर्णनान हे कादंबरेची सुरवात जाता. एका टीकाकारांन म्हणला तें खरे. घोडेस्वारांन आपणायल्लो हो महामार्ग म्हळ्यार बंगाली कादंबरेचो महामार्ग, घडये भारतीय कादंबरेचोय म्हणू येतां. ह्याच मार्गान मागीरचे कादंबरीकार गेल्यात आनी काय वेळा जरी ते हेर वाटांनी आनी पायवाटांनी गेले तरीय ह्याच महामार्गाक परतेय येवन मेळल्यात. 'दुर्गेशनंदिनी' ही एक मनोरंजक आनी श्वास रोखून धरूक लावपी धाटणेन बरयल्ली कथावस्त. अदीमंदी मात्सो

हाललो जाल्ल्यारय कादंबरीकार म्हळयार एक कथा सांगपीच हे विसरूंक फावना. कथानक पात्रांपरस वा मुखेल कल्पने परस गौण उरू येता, पुण शेकी कथानक हे सदा जायच. दुसरे, तातूत एक वा दोन मुखेल भावना वा उमाळे स्थायी रूपान वसतात, मोग आनी वीरताय प्रेम कथेत गरजेचे हे दोनूय भावना प्रभावी चरित्रचित्रण आशिल्ले हे कादंबरेच्या पात्रामंदी रूजयल्यात. काय अशक्य तरेच्यो गजाली आनी अती ओडून ताणिल्ले हे प्रसंग आनी एक दोन अती भावूक प्रसंगूय आसात. पुण ह्यो गजाली मनीसपण जागोवपी उमाळ्यांतल्या प्रभावी चित्रणाच्या आड येनांत. हातूत उन्माद, वेदना, विरक्ती, खोस हे उमाळे आसपावतात; आनी मनशांमनशांमदल्या वेव्हाराफाटल्यान सुत्रा हालोवपी नियतीचे हात वावर करीत आसतनाय दिश्टी पडटात. ताचो वावर पुराय अतार्किक नासल्यारूय बरोच कोल्ली आनी दुर्विलासी म्हणू येता.

'दुर्गेशनंदिनी' ही मोग आनी झुजाची कथा. पुण ताची फाटभूंय इतिहासीक आनी ताका लागून ही एक इतिहासीक कादंबरीय म्हणू येता. पुण खासा बंकिमचंद्रानी तिका तशी लेखूक ना. मानसिंग हो सम्राट अकबराच्या दरबारांतलो एक सगल्यांत व्हडलो सरदार आसता. पठाणाकडल्यान ओरिसा जिखून घेवपाखातीर ताची नेमणूक जाता आनी ह्या झुजाचे मजगती ताच्या पुताचो, जगत सिंगाचो पठाणाच्या गडगंज सैन्याकडल्यांन पराभव जाता. तो तात्पूरतो एका कोटांत आसरो घेता. त्याच अदमासाक पठाण राज्यकर्तो कतलू खान मरता आनी पठाण मानसिंगांकडेन समझौतो करतात. हो सगलो खरेलो इतिहास पुण तांतूत लेखकांक आपणाले कल्पनेन सर्जनशिल बदल केल्यात आनी उपरांतच्या लोकवेदाचो आदार घेतलां. इतिहासांतल्या प्रसंगाक मोडण दिवन लेखकांन जगतसिंग आनी मुखेल्याची चली तिलोत्तमा हांची मोगा - काणी रंगयल्या. एकें अपघाती चुकीक लागून पराभव जालो अशें दाखयला. गढ मंदारनचो किल्लो अजापता. मुखेल्याक बंदी करतात आनी ताची गोमटी मारतात आनी मुखेल्याची सुडान पेटिल्ली विध्वा बायल जीवानिशी मारून उट्टे काडटा. मोगाची काणी युद्धाच्या प्रसंगाक जोडल्या कारण जगतसिंग थंय आशिल्लो तेच रातीकडेन किल्लो जिखून घेतील्लो. मुखेल्याचे चलयेचे आनी जगतसिंगाचे सूत हांगाच जमतां. कादंबरेच्या दुसऱ्या वाट्यात कथानक आनीक इल्ले घुसपा गोदळाचे जाता. बंदखणीतलो जगतसिंग कतलू खानाची चली आयेशा हीच्या मनात मोग वासना उचांबळायता. खरो तिचेर भाळिल्यो आसता कतलूखानाचो भाचो, सरदार उस्मान. खरेपणी इतिहासांत उस्मानाचो उल्लेख आसा पुण आयेशा काल्पनिक. देखून उस्मान आनी जगतसिंगाचे भितल्ली मोगांक लागून उप्रासपी दुस्मानकाय ही कल्पकथा.

बंकिमचंद्रानी ही कादंबरी बरयतना भरपूर मेकळीक घेतल्या पुण इतिहासाची मुखेल तेंमका ताणी तोडूक नात. पठाण युद्ध, जगतसिंगाचो पराजय आनी उपरांत समझौतो आनी मेकळीक घेतनाय त्या त्या प्रसंगाक जाव येताल्यो त्यो घडणुको

तशोच रंगयल्यात. किल्ल्यांतल्या प्रसंगाक प्राधान्य दिताना लेखकान मुखेल्याच्या भूतकाळाकडेन मानसिंगाचे आग्रयाचे पलासीकडेन सांगड घाल्या. अशेतरेन एका कथानकाचो दुसऱ्या कथानकाकडेन संबंद जुळयताना लेखकांन पुरायेन काल्पनिक पुण 'शक्य' दिसपी पात्र रंगयला - मुखेल्याची बायल विमला जगतसिंग आनी मुखेल्याची चली तिलोत्तमा हांचे मदल्या मोगाचे कथानक कमकूवत, कच्चे उल्ला. इतिहासातलो मुळ जगतसिंग हरशी बेबदो पुण हांगां ताका शूरवीर दाखयला. पुण तांचे उलोवप आनी कृत्या वीरश्री युक्त म्हणचेपरस अती भावूक जाल्यात आनी मुखेल्याची चली, ती तर भरपूर रंगयल्ली एक बावलीचशी दिसता. पुण विमलाचे बाबतीत मात अर्शे घडूक ना. तिगेली धिटाय, हुशारी, मेक्ळेपणांन तिका आपणावंक शकना अशा घोवाविशीची लेगीत तीगेली भक्ती आनी तिची विनोद बुद्ध जी कठीण वेळारूय तिका सोडून वचना. सगल्यो विस्मीत करपी गजाली. तांका लागून कथानकाक पयल्या भागांत एक वेगळीच धार आयल्या आनी दुसऱ्या भागांत ते मातर्शे लुळे पडला जाल्यार ते विमला फाटभुयेत कडेक सरता देखून.

कादंबरेच्या दुसऱ्या वाट्यातलें खरें मुखेलपात्र म्हळयार कतलू खानाची चली आयेशा. हें एक काल्पनीक पात्र. बंकिमचंद्रानी तिका बायलामंदले माणिक मोंती कर्शे चित्रायला. आत्मसंयम आनी विरक्तीचे पयले वयले मुर्तरूप बंकिमचंद्रानी दाखयला तें हांगाच. इतिहासीक नदरेन हें पात्र खरेंर्शे दिसना कारण आमचे बुद्धीक पटनाशील्ल्यो काय गजाली हांगा आसात. देखिक एका नबाबाची चली एका दुस्मानाक, राजपूत राजकुवरेंक वखतपाणी करता, तेवूय बी खासा जनानखान्यात. त्याभायर कलात्मक पावंड्यारूय ती स्कॉटाचे 'आयवनहो'तल्या ज्यू रेबेकावरी विश्वसनीय दिसना. (काय लोकांच्या मतांन बंकिमचंद्रांनी एकेकडेन म्हळा की ही कादंबरी बरोवंचे पयली आपणे 'आयवनहो' वाचूक नाशिल्ली) आयेशाचो आत्मसंयम खरेंच उंच पावंड्याचो पुण लजे भिडेची बंधना धिल जाल्ल्याउपरांतचो तीचो मोगविलाप नाटकी दिसता. त्याचप्रमाण तिणे नाकारिल्लो तिचो आतेभाव उस्मान आनी तिचो दुसवासूय तितलेच नाटकीर्शे दिसतात. अखेरेक एक व्हडपणाचे तेजोवलय घेवन ती कथेंतल्यान कडेक सरतां पुण एकादी संतीण कशी. मनशातली जीवसाण तीचे ठाय दिसीना. ज्या घडणूकांक ती कारण जाता तांकांच पर्जळीत आनी रंगीत जीवसाण दिवपाची ह्या पात्रांक तांक दिसना. हाचे उफराटे उस्मान हे एक मजेशीर पात्र. पुण तिच्या सांगांतात तो वावरूक लागता तेन्ना तो यांत्रिक आनी आक्रस्ताळोसो दिसता.

'कपालकुंडला' (1866) हे बंकिमचंद्रांचे दुसरे कादंबरेत हे सगळे दोश दिसनांत. पुण हे कादंबरेत हाचे परसय चड कित्तेतरी आसा. ही एक निर्दोश कलाकृती. तिचे एकूण वैचारिक बसकेचे आनी चालीक लावपाच्या कसबांतले मोल खुब व्हड. संवसारातलें खयचेय व्हडात व्हड कादंबरेवांगडा तिची सर करू येतां. कथानकांतलो केंद्रबिंदू सूक्ष्मपणान मानसिक आनी थोडोभोव आधिभौतिक. मनशाच्या चारित्र्याचेर संयमाचो परिणाम किर्ते जांता? समजा

एकाद्रे चली ल्हानपणांतसावन मनीस समाजापासून पयस सैमाच्याच सांगातांत ल्हानाचे व्हड जाले जाल्यार लैंगिक आनी वासनेच्या उल्यांक ते कसो प्रतिसाद दितले? सैम हो लैंगिकताय आनी सृजन (भुरग्याक जल्माक घालप) जागयतां अशें मानू येतां. त्याचप्रमाण लैंगिक वासना समाजाकडल्यान जागोवपाची वा फुलोवपाची वाट पळयत रावना. कालिदासाचे शकुंतलेबाबतीत वा शेक्सपीयराचे मिरांडाचे बाबतीत अशेंच घडटा. ही दोगाय कुडीचे बाबतीत सुरूप आशील्ली. पयलो तरणाटो मुखार येतां तेन्ना लैंगिक उल्याक मनमेकळो प्रतिसाद दितात.

बंकिमचंद्रांचे कल्पकतेन हांगां एका अशा स्त्री पात्राक घडायला जे मुळांत शकुंतला आनी मिरांडा हांचे परस वेगळे. त्याभायर तांणी तिची कथा फावो त्यां भोवतणांत आनी फाटभूयेर चित्रायल्या. मिरांडावरीच तिवूय दयविळेर वाडल्या आनी कपालीकाची खोंप सैनिक भोंवतणाचे बाबतीत प्रोस्पेरोच्या घरापरस चड वेगळी ना. पुण खुद्द कपालीक मांत प्रोस्पेरो वा ऋशी कण्व हांचे भाशेन दयावंत शिकोवपी न्हय. तो एक तांत्रिक संन्याशी. ताच्या पंथाच्या रहस्याप्रमाण तो कर्मा कर्ता. मड्याचेर बसतां आनी मनशाचे कवटेतल्यान मनशाचे रगत अर्पण करतां. अशां ह्या निष्ठुर पुण देवधर्मी आनी मनशांक मारपी मनशाच्या नित्य सांगातांक लागून कपालकुंडलेच्या मनांत मनीस जातीविशी एक आपुलकी आनी बांगडाच स्वताच्या बऱ्याच्या गजालीवीशी एकेतरेची बेपर्वाय उपरासतां. त्याचबराबर चूकोवक येना त्या गजालीक कुड्डेपणान आपसूक स्वीकारपाची वृत्ती येतां. बंकिमचंद्रांच्या हेर जायत्या कादंबऱ्यांतलेवेरी नियती हांगा ज्योतिश सांगीना. मनशांच्या चरित्रांतूच ते हांगा वसतां. देखून शकुंतला परदीता आनी मिरांडा हांचे परस वेगळी प्रतिक्रिया अशें तरेचे चलयेन उक्तायल्यार अजाप न्हय. सैमांतले उत्स्फूर्त पांचवेपण आनी झाडापेडा पळोवन पर्दितेक इतलो हर्श जाता की मनशांनी रूजोवन, फुलोवन वाडयल्या पांनांफुलांचेय तिका ती सुंदर आसूनूय व्हडले अप्रूप दिस ना. कुंवारी शकूतला फुलांचेर, वालांचेर आनी जनांवरांचेर आवयचे मायेन मोग करतां. कपालकुंडला तशीं न्हय. तिकां सैमाचे बेबंद आनी निष्ठूर रूप भुलयता. दयविळेर रेवेच्या राशी आनी झुडपां आसतात, शेळो आसता. तातूतल्यान तिका जिवीताचे गिरेस्तकायेची जाणविकाय जायना. दादलो मनीसपण जाका मिरांडा काय फावटी 'वीर' म्हणटा, तातूतल्यान तिगेली मिथून आनी सृजनात्मक वानसा जागी जाता. पर्दिता आनी शकुतलेचे बाबतीत अशेंच घडटा. पुण संकष्टात आशींल्या मनशाक पळोवन कपालकुंडलेचे काळिंज कळवळटां आनी तिका काकूळट दिसतां. देखूनूच ती नवकुमारांक वाटावपाचे जीव तोडून येत्न करतां. पुण तिच्या स्वताच्या अणभवां वेल्यांन आपणाल्याच जीविताचे बाबतीत मात ती तटस्थ जाता. कपालकुंडलेचे चित्रण बंकिमचंद्रांनी तिच्या उमाळयामार्फत आनी भोवतणाच्या आदारांन केला. त्याचबराबर एक विरोधाभास दाखवनूय तांणी तिका चित्रांयल्या. तिचे दुस्मान - तिच्या घोवाची पयली बायल पद्मावती वा माटीबीबी - तिचो इतिहास कपालकुंडलेच्या इतिहासापरसूय विचित्र आसा. तिचेय

जीवित एका गूढान भल्ला. पद्मावतीचो बापूय बाटून मुसलमान जाल्लो. उपरांत तो अकबराच्या दरबरांतलो एक नामनेचो शागीर्द जालो. ताची धूव लुत्फून्निसा माटीबीबीक मोगल दरबारचो विविध अणभव आसलो; मोग क्रिडांचो, मुत्सेद्धेगीरीचो आनी घरच्या झगड्या झुंजाचोय. ही अशी एक बायल जिका भोगविलास, सत्ता, मनापासून जाय. हाचे उरफाटे कपालकुंडलेक हयो गजाली सोसनात. दोगांयचो एकामेकांच्या जिविताकडेन संघर्श जातां. माटीबीबीक दरबारी भोगविलासी जीवीताचो वाज येता. आनी ती आपणाल्या आदल्या हिंदू घोवाकडेन ओडटा. पुण ताचे आता कपालकुंडलेकडेन लग्न जाल्ले आसता. ह्या दोगांय बायलांक दिसतां की नियतीच तांच्या जीवितांकडे खेळटा. पुण दोगांय आपणाले पद्धतीन चिंततात. कपालीकाक सोडून आपणाल्या नव्याच लग्न जाल्ल्या घोवावांगडा पळून वतना ती भबानी देवीक एक पान भक्तिभाववन अर्पण करतां. पुण ते पान सकयल पडटा. तिका दिसता, देवीन आपणाले अर्घ्य नाकारला आनी लग्नाक प्रसाद दिवंक नां. देवभक्त कपालकुंडलेक अशेय दिसतां की आपणाल्या लग्नाक आनी फुडाराक होव अपशकून, फुडल्या संकष्टांक सुलूस. तिची संवसाराविशींची अनास्था आनी मनास्थिती ह्याच विचारांक आनिक पोसवण दितां. माटीबीबीची नितीविशीची कल्पना मात वेगळी. तिका दिसतां, म्हणल्यार मनशांच्या वान्सांचो घुस्पां - गोदळ, जाका शरण वचपावगर पर्याय ना. कपालकुंडला संसारिक न्हय. माटी पूराय तरेन संसारिक. कपालकुंडला आपले वाटेर आड आयल्यार तिका कडेक कांडूक जाय अशें तिका दिसता; तिका जिवी मारून न्हय जाल्यार तिका हद्दपार करून.

'कपालकुंडला' एखाद्या ग्रीक नाटकावरी काव्यात्मक रितीन रचल्या. दोन असामान्य बायलांची ही कथा. चडकरून एकलेची, जिका सैमान आनी शिक्षणांन असवंसारीक केल्या. ही इतिहासीक कादंबरी न्हय. जाल्यारूय इतिहास तातूंत फावोशें थोडेभोव वास्तव भरशीतां जातूंतल्यान विचित्र प्रणय फुलतां. हातूंतलो एक प्रसंग, जो प्रभाविपणान रंगयल्लो, दिसतां : माटीबीबी आनी मेहरून्निसा हांचे मेळप. फुडे इतिहासांत सम्राज्ञी नूरजहाँ म्हूण गाजली तीच ही मेहरून्निसा. घोवाकडेन निष्ठा आनी राजकुंवर सलीमान तिचेर घाल्लो खोल प्रभाव हांच्या विंगड उमाळ्यांतल्यान उप्रासपी मानसीक संघर्शाचेर बंकिमचंद्रांनी आपणाली रंगयाळी कल्पना हांगा केंद्रीत केल्या. होवूय प्रसंग सुक्ष्मीपणान मूळ कथानकात भरशीला. ह्याच प्रसंगाक लागून माटीबीबी आग्रा दरबार कायमचो सोडपाचो निर्णय घेतां. अशेंतरेन भारतीय इतिहासांतली कुवाडे कशी चित्तवेधक बायल हांगा काल्पनीक विश्व पर्जळीत करपाक येतां आनी मागीर नाच्च जाता. संकल्पनेचे आनी चरित्रचित्रणाचे काय रचनेचे मौलिकतेवेल्यान आमी एकादे कादंबरीचे मोलमेजप करप हो प्रस्न वेगळो पुण कपालकुंडलेपरस चड देवस्थित एकाद्री कलाकृती आसू येता काय ना हे सांगप कठिण जातां.

बंकिमचंद्रांची तिसरी कादंबरी 'मृणालीनी'. ही 'कपालकुंडले'इतली बरी

उतरूना; पुण ती आपलेपरीन एक व्हड कलाकृती म्हणूंक फावो. फक्त 17 घोडेस्वारांनी बुख्तीयार खिलजीच्या मुखेलपणाखाला बंगांलाचेर जैत मेळयलें अशें जे इतिहास सांगतालो तार्चे कुवार्डे बंकिमचंद्रांक सदांच अस्वस्थ करतालें आपणाल्या जायत्या लेखांनी ताणी सांगिल्लें की ही मिन्हाजुद्दीनान रचिल्ली कल्पकथा जी फुडल्या इतिहासकारांनी सारकी तपाशीनासताना मानून घेतलेली. तांच्या मतान बुख्तीयार खिलर्जीन आनी ताच्या वंशजानी गौड वा बंगालाचो एक ल्हानसो कुडकोच जिखललो. हे कादंबरेंत हेर पात्रांपरस कमलाकांतुच लेखकाचे भूमीकेचे प्रतिनिधीत्व करता. तो बंगाली राजकारण्यांची फकाणा मारताना म्हणटा की फक्त 17 घोडेस्वारांनी जें राष्ट्र जिखले त्या राष्ट्राचा लोकांक राजकारणाचेर उलयतना लज दिसूंक फावो. एरिस्टॉटलाच्या उतरांनी सांगचे जाल्यार जाका गरजेचें आनी शक्य कोटीतले म्हणू येता अशे तरेची इतिहासीक घडणूकांची पुनर्रचना करपाचो प्रयत्न जिवीताचे तरणे पिरायेर हांगा केल्लों दिशी पडटा. हांगा इतिहास आनी काव्य सामकी एकरूप जाल्यांत जाचे वरवी मुसलमानांनी बंगाल जिखलो तेन्नाचें चित्र आमचे नदरेमुखार उबें रावता. एक कमजोर, म्हातारो राजा, ताचो कुड्डे श्रद्धेन पोखरील्लो दरबार, खुशमस्करे दरबारी आनी शागीर्द तर्शेंच विश्वासघातकी मंत्र्याचो देश. 'मृणालीनी' (1869) कादंबरेंत दोन कथानकां आसात. एक वयलेवयर दिसपी आनी एक खरें. वयलेचाराची मृणालीनी आनी हेमचद्रांची कथा फुडले भुंयेर वावुरता आनी फाटभूयेखातिर जेतो बुख्तीयार खीलजी, बंगालचो प्रधानमंत्री पशुपती आनी तांची दुर्दैवी प्रेयसी आनी बायल मनोरमा हांची कथा वावुरता. मोगांत पडिल्ल्या मगध राजकुवंर हेमचंद्राची कथा बरिचशी भावूक आनी मातशी विनोदीशी दिसतां. हेमचंद्र आपणालें राज्य जिखपी मुसलमानांबांगडां युद्धाचो प्रखर येत्न करता आसूनूय 'दुर्गेशनंदिनी'त जगतसिंग आनी तिलोत्तमा जे ढोबळतायेन चितारल्यात तीच गत हांगा हेमचंद्र आनी मृणालीनीची जाल्या. झुजाची खुमखुमी, मोगाचो किंवाटो, पिशेपणाचे दुस्वास आनी निमाणची गोड अखेरवी एकाच सांच्याची.

पुण हेमचंद्र हो कादंबरीचो नावापुरतो नायक. खलनायक पशुपती होच खरेलें मुखेल पात्र. तो एकाद्या कापड्यावरी कटकारस्थानांचे जाळें विणीत वेता पुण झगडना आनी ताचे फाटल्यान मनोरमा सावट कर्शे वावुरता. 'दुसऱ्या गियोकोंद्रां'त लियोनार्ददा विंचिन ज्या सुक्षीमपणान बायलमनीस एकाद्या दादल्याचेर आपणालो जादू करता अशें दाखयलां तेच तरेच चित्रण बंकिमचंद्रांनी हांगां केला. उंचेलो ध्येयवाद, कल्पनेचें उड्डाण आनी दुरदर्शित्व मेळोवन दिता. पुण आत्मकेंद्रीतपणा ताका संकुचित करता आनी सकयल ओडटा. ताकाच लागून पशुपतीची तुळा एका कापड्याकडेन केल्या. कापड्यो फकत एक जाळें हिकमतीन विणूक जाणा पुण शेकी तो स्वतःच त्या जाळ्यात शिरकता. पुण मुसलमान फकत सतरा घोडेस्वार जावन राजपाटणांत भितर सल्ले आनी ताणी ते राजपाटण जिखलें कारण देशात कुड्या श्रद्धांचे सावंट घेरो घालून आसलें. खुशामतीचो सुळसुळाट

जाल्लो. ह्या गजालीची थोडेभितर पुण प्रभावी वर्णना हांगां मेळटात. देशद्रोह्यांनीच ह्या मुसलमानांक भांगरासारकी संद दिली हेवूंय एक कारण. त्या सतरा घेडेस्वाराफाटल्यान पंचवीस हजार मनशांचे बळीष्ट सैन्य आसले,, जें दाट रानांत लिपून राविल्लें. बंकिमचंद्रांचे नदरेमुखार प्लासीचे झुज आसलेंच. कल्पनेच्या आदारान फाटल्यान पळोवन ताणी बुख्तीयार खिलजीची काणी नव्यान रचली आनी तातूंत पशुपतीच्या विश्वासघाताची खबर घोळयल्ल्यान जैताची काणी खरीशी दिसूक पावली. पशुपती आनी मनोरमाचे कथानक पुरायेन खासा बंकिमचंद्राचें. बंगालीत वा खयच्याय साहित्यांत मनोरमा एक व्हड नवलायेची निर्मिती. एवरीमनाक दिसता ते तरेची मनोरमा ही एवरीवुमन. भूलोवपी, अजापांत उडांवपी आनी वाटमारपी एक प्रतिक. कुवरी क्लियोपात्रावरी तिची सुरूपाय न्हय. पुण तीय सदा जुवान, एका निष्पाप भुरग्या परी, जुवानपणाची ओड लावपी आनी पिकिल्ले समाजीकायेची.

त्याबराबर तिच्यात कितेय पुण अर्शे असा जे ओड लायता तितलेच भेसटायता. कॅना कॅना ती वाट चुकील्लेवरी आनी अर्द – पिशीशीय दिसता. पुण तिच्या सगल्या विचार आचारात एक तार्किकताय दिसता. तिचे निरागसपण तिचे सामजिकायेइतलेच थीर.

मनोरमा भूल घालपी तितलीच पशुपतीचे जादूचे भकीक पडपी. पुण तिच्या काळजात हुशारकायेची ज्योत पर्जळटा आनी ती एक अध्यात्म सादर करता. पुण प्रभावीपणान फुडे हाडिल्ले तिचे आध्यात्म हे अतार्किक. हो विरेधाभास दुसरे एकेतरेनुय पळोवं येता. बंकिमचंद्र जणविकायेन नितीमुल्यां पाळपी. ते विरक्तीचे, कर्तव्याचे आनी परीत्याग, सयंमाचे पुरस्कर्ते पुण मनोरमा तांची एक व्हडातली व्हड निर्मणी बेबंद वासनेचे पुरस्कार करता. ती स्वतः रांड आसुनुय आनी मोगाची परीणती लग्नांत जावपान तिका मोल दिवंचे पडटले हाची जाणवीकाय आसूनुय ती परवा करीना. मोग पवित्र आसता आनी ताका आडाव नज म्हणपाचो तिचो घट विश्वास, बुद्ध आनी निती मोगा आड येवंक दिवप म्हळ्यार पिशेपणा.

भगिरथापन मेकळे सोडिल्ले गंगेंक आडावंक सोदपी हतयाच्या पिशेपणावरी, अर्शेय तिका दिसता. अखेरेक आपूण पशुपतीची खूब वरसापयली वेगळी जाल्ली बायल म्हणपाचे तिका कळटा पुण तिका विश्वासघाताचे बुन्यादिचेर आपणाले लग्नाचे जीवित सारपाचेना. पुण ही एक परीकथा, परंपरा आनी ज्योतिषशास्त्राक दिल्ली सवलत. मनोरमाचे व्हडपण म्हणजे तिगेली अप्रुप सुंदरकाय आनी तिचो बेबंद मोगाचो पुरस्कार. ह्या बदल्याक एकाद्या देशाची सुटकाय मोल म्हणून मेजू येता काय किर्ते असो विचार तकलेत येता. वंयर सोंगला त्याप्रमाण 19व्या शेकड्यातल्या बंगाल पुनरूथानाचे एक खाशेलेपण म्हणजे पोरण्यो कल्पना आनी नवो विचार हातूंतलो संघर्श. मनोरमाच्या कथानकांत ह्या संघर्शाची प्रभावी अभिव्यक्ती दिसता. अुपरांतच्या आनी चड करून मदल्या काळातल्या कादंबऱ्यानीय हे सूत्र दिष्टी पडटा. पारंपारीक नीत आनी काळजाचे उमाळे हे रूप

ह्या संघर्शान फुडे घेतला. दोनूय बाबतीत मुळावे संघर्श सुटावे जायनात. तातूतल्यान येवपी निशकर्श विनोदी नाटकात सोडल्यार समाधानकारक नासतात. हेवूय व्हड साहित्याचे लक्षण. रुढी, परंपरा आनी परीकथेच्यो सवलती दित दाखयल्लो विरोधी शक्तीचो तणाव हांकालागूनच 'विषवृक्ष', 'चंद्रशेखर', 'रजनी' आनी 'कृष्णकांता'चे मृत्यूपत्र ह्योवूय कादंबऱ्यो आपणाली खाशेली ओड वाचप्यांक लायतात.

प्रकरण 2

# मदल्या काळातल्यो कादंबऱ्यो

'विषवृक्ष' ( विखाचो रूख 1873) कादंबरीकार बंकिमचंद्राचे कारकीर्दीतलो नवो पावडो दाखयतां. ही तांची चौथी कादंबरी. ती फाटली मोगाची काणी सांगपी कादंबरी न्हय. ती एक सामाजिक आशयाची कादंबरी जातूंतल्यो घडणूको बंकिमचंद्रांच्या काळातल्या बंगालात घडू येताल्यो अशा घडणूकांची कथा. ह्या कथानकात विधवेचे परते लग्न आनी दादल्याच्या एका परस चड लग्नाची चर्चा आसपावतां. बंकिमचंद्रांच्या काळार हे दोनूय प्रस्न ज्वलंतपणान लोकाच्या मुखार आसले. पुण ते तांची चर्चा सामाजिक प्रस्न म्हूण करीनात. देखून 'विषवृक्षा'चो विचार समस्याप्रधान कादंबरी म्हणून करप चुकीचे जातले. नगेंद्रनाथाची दुसरी बायल कुंदनंदिनी ही विधवा आसचेसुवातेर जर आंकवार चली आशील्ले जाल्यारूल फरक पडचो नासलो. त्याभायर दोगीय बायलो - बायलो म्हणून एक ठाय रावनात. बंकिमचंद्राक पात्रांच्या व्यक्तीगत इतिहासात रस आसा. तांच्या ह्या इतिहासाक लागून उपरासपी समाजिक प्रस्नाचे तांका पडूक ना. घडये केणूय तिका उपदेसात्मक कादंबरी म्हणत. ही उपदेसात्मकता कादंबरेच्या नावावयल्यानूव कळटा, पुण कितेय जाव ही कादंबी समस्याप्रधान मात न्हय.

सूर्यमुखी ही नायिका सगल्यात मुखार आसा आनी कथानक तिचे भोवतणी घुवतां अशें दिसता. ती घरातल्यान पळून गेल्या. बंकिमचंद्राक तिकाच मुखेल सुवात दिवपाचें आसले आनी एका काळार वाचपी आनी टिकाकारांक ही मुखेलपणान सूर्यमुखीचीच काणी कशें दिसताले. पुण बारीक पळयल्यार मुखेल पात्राभितर तिच सगळ्यात उणो प्रभाव घालपी. तिचे काम फक्त तिच्या घोवाचे नगेनद्रनाथाचे आनी ताची दुसरी बायल दुर्देवी कुंदनंदिनी हांच्या कथानकाक गती दिवपाचे. सूर्यमुखी ही 'स्वयम प्रेरीत' पात्र न्हय. फक्त पळून वचप सोडल्यार तिच्यो हेर करण्यो ती स्वतःचे प्रेरणेन आनी उमाळ्यान करीना. समाजान घालून दिल्ले आनी तिणे स्विकारलेले आचारसंहितेप्रमाण चलपाचो ती यत्न करता. देखूनूच तिचो विश्वासघात करपी घोवाकडेन ती परतून उमेदिन येव शकता आनी अशें करताना ती आनी तिच्या घोवामदी आशील्ले दुसरे बायलमनशेंची तिका आडखळ जायना. तिचो घोंव नरेंद्रनाथ हो चार चौगांसारको म्हणजे सामको दुर्गुणी न्हय आनी चड गुणाचोय न्हय अशें तरेचो मनीस. ताच्या सामान्यपणातूच बंकिमचंद्राच्या चरित्रचित्रणाची खूबी सापडटा. जे वासनेचे भकीक तो पडटा ती इतली जबर की थय मागीर तो व्हड मनीस काय ल्हान असो प्रस्न उरना. बंकिमचंद्रानी ह्या ताच्या चरित्रचित्रणाक चड धार हाडील्ली जाल्यार वाचप्यांचे लक्ष हे गजालीकडेन थिर उरचे नासले. जे अपरिहार्य तरेन ही शोकांतिका घडत वेता ते

पळयार सोफोक्लिसाच्या कलाकुशळतेची याद जावची. नियतीन आपणाली शिटकावणी पयलीच दिल्ली आसा आनी नगेंद्रनाथूय आपणाले वासनेचेर जैत जोडपाचो खूब प्रयत्न करता. पुण स्वतःचेर नियत्रंण दवरप ताका जमना आनी कुंदनंदिनी केन्नाच ना परतुपाची आपणाल्या सर्वनाशाची वाट चलत वेता. हांगाच खरेपणी जगातली श्रेष्ठकला उपदेसात्मक आसता म्हणपाचे आमका पट्टा. अदीमदी येवपी उपदेसाच्या चर्चानी न्हय. मनशांचो चूकों आनी दुःख ही नशिबानसार आयील्ली नासतात, तर ती एके संसारी पद्धतीचो वाटो आसता आनी मनशांची चूक सैमी शक्तीच्या घातक परिणामांचे प्रतिनिधीत्व करता.

नर्गेद्रनाथ आनी कुंदनंदिनी हांचे प्रेमप्रकरण द्वदगीता सारके ओडलायणे. कुंदाचे मन आनी चरित्र अनपेक्षितपणान बदलना आनी ताका लागून फुलूक पाविल्ले नगेंद्रनाथाचे व्यक्तिमत्व मागीर हळूहळू परते देवक लागता. सुर्वेक कुंदा ही सुपुल्ले चली आसता आनी अखेर मेरेन ताका स्वतःचो असो शेक गाजोवप जमच ना. पुण मोंगाक लागून ते एक वाडिल्ली चली, बायल म्हणू फलता आनी अखेरेक तिच्या मरणाची तुळा खासा बंकिमचंद्रांनीच बाविल्ल्या फुलां कडेन केल्या. अशें तरेन बायलेक सहानभूतीन चितारपांत बंकिमचंद्रांनी अनैतिकतेचो पाखो ओडिल्लेवरी जाता अशें काय जाणाक दिसले. बंकिमचंद्राचे हे चित्रण वाट चुकपी मनीसकायेक खोल दयामाया दाखयता ही खरी गजाल. सर्वश्रेष्ठ कला ही उपदेसात्मक आनी नैतिक आसता अशें वयर म्हळांच पुण त्याच बरोबर ती अनैतिकूय आसू येता. कारण ती सामाजिक कायद्यापरस खरसाणीन मनशांमदी वसपी खर पाशवी वासनेचेय दर्शन घडयता. आमच्यो वासना आमका हाडामासातल्यानूच मुळात मेळ्ळ्यात. मनशाची विवेकबुद्धी आनी नैतिकताय ह्यो मागीरच्यो. कोणूय घडये विचारतलो, नातरांनी आज्याक शाणपण शिकयलयार जायत व्हय?

'विषवृक्ष' हे कादंबऱ्येत पुर्वील्ले ग्रीक शोकांतीकेची झाक आसा. तातूतली काव्यात्मता, कथानकाच्या मुळाव्यापणाचेर दिल्लो भर बी बाबतीत हे जाणवतां. दुसरेवटेन अर्विल्ल्या श्रंगारीक कादंबरे वांगडा तिचे नाते आसा - आवाठ आनी कथानकापरस चरित्रचित्रणाक चड म्हत्व दिवपाचे बाबतीत पुर्विल्ल्या क्लासिक शोकांतीकानी नियती हेवूय एक पात्र आनी देखूनच भकिक पडटल्याक पयली सुचवणी आनी चत्राय मेळील्ली आसतनाय ताकां सुटका नासता. प्रणय शोकांतिकेत चरित्र हीच नियती. दादले आनी बायलोच कथानक घडयतात आनी तातूंत स्वतः घुस्पतात. सोफोक्लिसाच्या नाटकांत लेसयस, जोकास्टा आनी इडिपस हांका पूर्वसुचना मेळटा तशिच हांगा कुंदनंदिनीकुय मेळटा पुण ताचो उपेग जायतचना. इडिपस टिरॅनस शोकांतिकेत पात्रा आपणाले सुटके खातिर जी पावला घालतात तीच तांका तांच्या अटळ नाशाकडेन व्हरपी आसतात. हेच भाषेन कुंदाक नर्गेद्राकडल्यान राखणेची गरज आसता तेन्ना ती असहाय्य जावन वावूरता. आपणालें पयलीचे विधवापणय काय करूंक पावना पुण नर्गेद्रनाथापासतची तिची

वासना आनी आसक्ती ही तिगेल्या स्वभावांतली. ताका लागून तिचो नाश जाल्यार तिच्या नशिबापरस खासा तीच चड जापसालदार म्हणूक जाय.

कुंदाचे बाबतीत पयली चत्राय मेळपाची आनी दैवी दिष्टाव्याची नगेंद्राक गरज नासता. तो परिपक्व आनी नितळ - निवळ नदर आशिल्लो मनीस. ताका फावोशी बुद्ध दिवपाक तांचे भोवतणी लोक आसात. देखून ताचे बाबतीत कुदा परसूय चरित्र हीच नियती. तो आनी सूर्यमुखी वायटातल्यान बरेपणी भायर सरतात. तरीय जावन तांका मनाची सदाकाळ थाकाय मेळटाच अशें म्हणू नज. आपणाले हावेस भागोवपाच्या निमतान आनी सूर्यमुखींक सोपोवपाच्या हेतान तांच्या जिवीताक आयील्ली हिरा हेरांपरस स्वतःचेरूच चड संकष्टा ओडून हाडटा. अशें तरेन चरित्र नियतीक घडटा आनी नियती चरित्रक आकार दितां. रचणूकेचे नदरेतूय 'विषवृक्ष' ग्रीक शोकांतीकेची घटाय आनी 19व्या शेकड्यांतले प्रणय कादंबरेचे अंश दाखयता.

'विषवृक्ष' कादंबरे उपरांत बंकिमचंद्रांनी दोन लघुकथा बरयल्यो तातूतले एकेचे कथानक तेन्नाच्या भोवतणच्या जिवीताचे जाल्यार दुसरेत फाटल्या इतिहासाचो आसपाव आसा. फुडले पुराय लांबायेचे चंद्रशेखर (1875)हे कादंबरेत तर परतोय ताणी इतिहासाचो आदार घेतला. पयलीच्या तांच्या कादंबऱ्यापरस हे कादंबरेत इतिहासाचे व्हडले लांबचे लांब चित्रण मेळटा. हांगा बरोवप्यान लागीच्या इतिहास काळातल्यो व्हडल्यो घडणूको रंगयल्यातूच. त्याभायर ताचे सामान्य गावगिऱ्या लोकांचेर जावपी परीणामाचेय प्रभावी चितारप जाला. देख्खि, मिर कासिमाचो पाडाव आनी ब्रिटीश सत्तेची पाळामुळा बंगालात घटमुट जावप हाचेसारकिल्यो घडणूको हांगा चितारल्यात. काय जाणांनी आक्षेप घेतला की बंकिमचंद्र इतिहासाचे इबडिल्ले रूप चितारतात. देखिक मिरकासिम हो समज नशिल्लो, बेबंद घोव दाखयला तर झुजांत ब्रिटीशांक हारोवपी देशभक्त हांगा नजरेक पडना. पुण ही जाली इतिहासीक कादंब्रेची चुकीची नदर. इतिहासीक कादंबरी इतिहासाचे वास्तव चित्रण करची ना. ट्रेवल्यान ह्या नामनेच्या इतिहासतज्ञान म्हणला ते भाशेन इतिहासीक कादंबरी एक उत्सुख हावेस, जाका सतत बदल नियतीनच फर्मायिल्ल्यो आसता आनी जो केन्नाच परिपूर्ण असो नासता तरीय जावन मनीस जाती इतलीच जिती - जीवी वस्त अशी दाखयता. इतिहासांक घुसपागोदळ आसता तो सामाजिक, आर्थिक आनी सैनीकी शक्तीचो घुसपागोदळ. पुण इतिहासिक कादंबरेत हांचे बदला येतात ती मनशा मनशा मदल्या संबंदाची जाळा आनी झुजपी महत्वाकांक्षा आनी संघर्शमय हावेसाची कुवाडी. सर मुताकेरीन ही जंत्री मीरकासीमान आपणालो सरदार गुरजितखान हांका दिल्ल्या खासा सवलतीची गजाल सांगता. गुरजीदखान बलीष्ट, उर्मट आनी आविश्वासू आशिल्लो. आर्मोनियासावन आयीलो हो लुगटा वेपारी इतलो वयर कसो सल्लो आनी नबाबाची ताचेर इतलो कुड्डो मोग कित्याक आशिल्लो ते कादंबरेत सांगूना. आपणाले प्रतिभेच्या लिखणेच्या एकाच फारान बंकिमचंद्रांनी दलानी हे पात्र

निर्मिला. ही गुरजिनाची भयण आनी मीर कासीमाची राणी इतिहासातले कुवाडे अशें तरेन सुटावे जाता पुण जिवीतातले अजाप तशेंच उरता आनी चडूच गुढ जाता. गुरजिन हिस्पाभायर म्हत्वाकांक्षी. आकांताचो हुशार पुण सामको मोटवे नदेचो. इंग्लीश लोक हांगा उरप खयच्याच नबाबाच्या फायद्याचे न्हय म्हणपाचे तो जाणा आनी देखुन कशेय भशेन तांका हांगाच्यान हुमटून उडोवंक जाय म्हणपाचे तांका खबर आसा. त्या उपरांत मीर कासीमाक कडेक काडप सोपे जातले असो ताचो विचार. मागीर तो स्वतःच नबाब जावक पावतलो देखून दलानिक दुसरी नुरजहाँ करपाचे हायस तो तिका दाखयता. हांगा जिवीत एक सारके बदलत रावता आनी वचत थंय हावेस आनी आकांक्षा फुलून आयिल्ल्यो दिसतात. दुर्देवी नबाब ब्रिटिशांच्या वायट शेकाक ताळयार हाडपाक वावरत आसतां. पुण ताका धिरांकूळ अपेस येता मात ताची उरबा उणी जाय ना. काय वेळा तो पिशे लागील्लेवरी वागता पुण ताची नदर धुवरात शेणना. कथानकाचो नायक प्रताप हे पात्र इतिहासात ना.

इंग्लीशांवांगडा झगडपाचो ताचो स्वताचो वेगळोच हेत आसता. तो अखेरेक झुजाऱ्याचे मरण पत्करता पुण तोवूय बी अजरंवर आकांक्षेचे एक प्रतिक. ताच्या आत्मीक हावेसाचे बाबतीतूच न्हय तर जातूत तो म्हत्वाचो वाटो घेता त्या व्हडल्या घडणूकांचे बाबतीतूय. ताका प्रिय अशील्ल्या सगल्या गजालीक विदेशी सत्तेचे हांगा उरप हे त्रासदायक जातले अशेंच ताकां दिसता. इस्टइंडिया कंपनीच्या नोकरांक हांगा एक एकसंघ पंगडसो दाखयला - निश्चयी, धिट, सामान्याभायलो कार्यक्षम, नितीची चाड नाशील्लो. प्लासीचे लडाये उपरांत ताचो ब्रिटिश साम्राज्याचे हांगाचे सत्तेवयलो विश्वास चडूच बळावता. ज्या हिंदू दुडवांकारांक लोक भियेताले आनी तांका भजताले ते स्वतःच भियेल्ले आसताले ह्या कथानकांतल्या घडणूकांकडे तांचो सरळ सबंद ना. पुण तांची वृत्ती आनी चालचलणूकूय अस्थिरतायेच्या आनी बदलाच्या ह्या वातावरणाक हातभार लायतात. हे कादंबरयेंत मुखार आनी फाटभूयेर इतिहास पातळला आसलो तरी मुखेल कथानक इतिहासीक न्हय. तातूतल्यान कसलीच सामाजिक समस्या म्हणटात ती उप्रासना. इतिहासीक दाखल्याप्रमाण मीर कासीमाचो ज्योतिषशास्त्राचेर विश्वास आशील्लो आनी तो खूब फावटी हिंदू ज्योतिषांची बुद्ध घेतालो. हाचेवेल्यान कल्पना घेवन बंकिमचंद्रांन हे कादंबरेचे नाव विद्वान ज्योतिष्याक धरून चंद्रशेखर दवल्ले. तो नवाबाचो गुरू आनी सल्लागार आशील्लो. हाकालागून इतिहासीक घडणूकांचो सबंध चंद्रशेखराच्या खाजगी जीवीतांतल्या घडणूकांकडे लागता. देखून हेर पात्रांक अदीमदी म्हत्व मेळला जाल्ल्यारूय ही कांदबरी ही मुखेलपणान ताची बायल सैबलीनी हिची कथा सांगतां. बंकिमचंद्रांच्या विश्वांत तिका वेगळीच सुवात असा. ती ल्हान असताना सावन प्रतापाचेर मोग करताली आनी लग्नाउपरांतूय निश्चयान, जिद्दीन ती ताचो सोद घेता. प्रताप हो एक धिरोदात्त पात्र. तांका वीराचे मरण येता आनी अशेंतरेन तो तिच्या मार्गावरल्यान कायमचो कडेक सरतां. इतल्या बऱ्या गुणांचो हो मनीस

कादंबरेत येता तो फक्त सैबलीनीच्या काळजातलो कसकस आनी कळ जाग्याच घालपाक. हे बाबतीत ती 'विषवृक्षा'तले सुर्यमुखीवरी वावूरता. सैबलीनी आठ वरसांचे चली आसले तेन्नाच प्रतापाच्या मोगात पडटा. व्हड जाता जाता तिका हो मोग सफळ जावचो ना हे कळटा, कारण हिंदू कायदो आनी समाज हांची लग्नाक मान्यताय आसची ना. ती दोगाय जीव दिवपाचो यत्न करतात. पुण सैबलीनी डगमगता आनी प्रतापाक मेळून एक ठाय जावपाचो एक प्रयत्न करता. हे तिचे साहस अयोग्य आनी अशक्य तरेचे आसता. हातूतल्यान ती प्रतापाकडेन सोडून हेर खयचेयकडेन पावू शकता पुण अनपेक्षित अशी गजाल घडटा. तिची आनी प्रतापाची भेट जाता. परतून एक फावट आत्महत्तेचो बेत करपाची संद उप्रासता पुण हे फावट प्रतापूच तिका बेत बदलूक लायतां. ती परती येता आनी रामानंद स्वामी नावाच्या संन्याश्याकडेन शुद्धीकरणाच्या सोपस्कारांतल्या न वता. ह्या सन्याश्याक योगाची सिद्दी मेळिल्ली आसता. दांतेसारकील्ल्याचो जबर दबाव दाखोवपी गजाली आसूनूय सैबलीनीचे कथेतलो हो भाग मनाक पटनां. सुर्वेची मोगान आकूळ पिकूळ जावपी, सोद घेवपी आनी हारपी सैबलीनी मात आमचे लक्ष ओडून घेता. कादंबरेचो शेवट परंपरेक आनी प्रथेक सवलत दिवपीच म्हणूक जाय. सैबलीनीन कादंबरेच्या मध्याक सुमार एके कडेन म्हळा त्याप्रमाण कादंबरी वाचून सोपयताना आमचे मुखार प्रस्न येता : ती आनी सैबलीनी झाडाचे एके खांद्येर फुलपी दोन फुलांवरी फुलील्ली धर्माक आनी समाजाक ताका दोषी करपाचो किते हक्क आशील्लो?

'चंद्रशेखर' उप्रातच्यो दोन कादंबऱ्यो म्हळयार 'रजनी' (1877) आनी 'कृष्णकांतेर विल' (1878) आनी हांचे मदल्या काळात बरयल्ली 'राधाराणी' ही कथा हांचो इतिहासांकडेन कायच सबंद ना. त्यो सामाजिक, घरगुती आनी वैयक्तिक विशय - आशय आनी धाटणेचे बाबतीत 'रजनी'ची काय खाशेंलपणा आसात. तिची नायिका एक कुड्डी फुलकांन्न जी मोगांत पडल्या. हे नायीकेची कल्पना बंकिमचंद्रांक लिटनाचे ' द लास्ट डेयस ऑफ पोम्पी' हातूंतले निडिया वेल्यान सुचली. एक कुड्डी चली आपणाली संवेदना कशी घेता आनी आपणाल्यो भावना, उमाळे कशी उकतायता तें बंकिमचंद्रांनी वेवस्थितपणान हांगा दाखयला. तातूत तें पुराय जैतवंत जल्यात. पुण लिटनाची कादंबरी इतिहासाचे फाट भुयेच्या आदारान जी भव्यताय मेळोवंक पावता तशें मात हांगा घडनां. लिटनाचे कादंबऱ्येत आशील्ल्यो हेर ओडलायण्यो गजालीय हांगा मेळनांत. अदीमदी मातसो दुबाव उप्रासलो तरी मेकळेपणान आमका पयलीच कळटा की कादंबरेची अखेर सुखी आसतली. बंकिमचंद्राच्या कादंबऱ्यांनी खूब फावटी येवपी परीकथेची झाक हांगाय दिसता. एके गरीब पुलकान्नीक गीरेस्त दायज मेळोवेन दिवपाची घडणूक आनी अशक्य गजाली खऱ्यो करून दाखवपी संन्यासी ह्यो काय देखी दिव येतात.

पुण हे परीकथेचे फासक्रेत एक लक्षवेधी मानवी कथा बांदून काडल्या हे मात खरे. 'हॅमलेट' नाटकातलें भूत जशें आमी गृहित धरून चलतात तेच परी हांगा

115764
9/11/84

आमच्यानी संन्याशाची सिद्धी गृहित धरू येता. लवंगलतेक ती बौद्धीक थाकाय दितां आनी मृत्यूपत्र मेळटकच रजनी आनी अमरनाथ ह्या पात्रांक फा़व थय जाग्यार बसयतां.

बंकिमचंद्राची कल्पकता इतिहासाच्या प्रांतात जायती उड्डाणा करपी आसूनूय हे कादंबरेत इतिहासाचो मागमूसूय दिसना हे आजपाचो. लिटनाचे कादंबऱ्येत तशीं सुचोवणी आशील्ली. ते सुवातेर ताणी कादंबरेचे कथानक दुसरे एके बायलेचे, लवंगलतेचे कथेकडेन जुळोवन घुसपांगोदळ वाड्यला. हांचेपैकी एकले कडेन प्रेमभंग जाल्लो आनी दुसरे कडेन लग्नाक तयार जाल्लो अमरनाथ या दोनूय कथानकांचो संबद जोडटा. लवंगलता ही एका जाणटेल्या घोवाची दुसरी बायल. ताची बायल जिती आसा. लवंगलता तीख बुद्धीची आनी सदाच हासती खेळटी. हांगा प्रस्न उप्रासतां, काळजातल्यान पोरन्या मताचे आशिल्ले बंकिमचंद्र हांगा अशें दाखोवंक बी सोदीनात मू की बहुभार्या पद्धत खाशेंल्ले परीस्थितयेंत आक्षेपार्ह नासता! अशें आशील्ले जाल्यार, आमच्यानी इतलेच म्हणू येता की तांची कल्पना तांच्या मूळ हेतापेल्यान गेली आनी ताणी निशीद्ध मोगाची एक काळजाक भिडपी काणी बरयली. अशें करतना ताणी तांचे उप्रांत आशील्ले व्हड कादंबरीकार शरत्चंद्र हांका हात दिलो कारण लवंगलतेचो भावनीक घुसपा गोंदळ 'देवदास' कादंबरेतले पार्वतीच्या भावनीक गोंदळापरस चड वेगळोसो दिसना. एका काळार ती आपणाल्या पयल्या मोग्याकडे क्रूरताय दाखयता, उप्रांत तो रजनीक मेळोवपाक सोदता म्हणू ताका हुलकायता आनी अखेरेक ज्या म्हाताऱ्याकडेन तिचे लग्न जाला ताचेवयल्या मोगाचें ती गुणगान करपाक फाटी रावना. तिच्या मोगाचे अभिव्यक्तिक तिचे सचोटीचो दुबाव घेवपाक मातूय सुवात ना, पुण ती आपले आपणाकूच फटवल्या काय किर्तें हे मात आमका कळना. तिचे मोगाळ अभिव्यक्तीन आनी हेर बाबतीत तिच्या काळजात अमरसिंगाक एक खाशेली उंचेली सुवात आसाच. ती म्हणटा त्याप्रमाण ती आपणाले वाक्य लेगीत पुराय करूक पावना. ह्या संवसारात दिवो पेटचोना, फुल फुलचेना, पुण तिका वेगळे हावेस आसात जे ती मेकळेपणी सांगुक पावना. ती एक हुशार आनी प्रभावी व्यक्तीमत्वाची बायल, पुण अमरनाथ मुखार येतकच ती गर्भगळीत जाता आनी आपणालो अंत पळोवनाका अशें ताकां पराथता.

ही कथा सांगताना बंकिमचंद्रानी एक वेगळीच धाटणी आपणाल्या. हांगा प्रत्येक मुखेल पात्र आपणाली कथा आपूणच सांगतां. रविद्रनाथांनी आपणाले 'घरे बैरे' (घर आनी संवसार) हे कादंबरेत हीच तरां घेतल्या. अशें करपातलो एक फायदो लेखक सदाच सांगतात. हातूतल्यान नाट्यमय अचूकताय येता. दरेक पात्र आपणाले नदरेतल्यान आपणाले मन उत्कायता आनी खाशेंले उमाळे व्यक्त करता तातूतल्यान एक मुखेलपात्र दुसऱ्या पात्राविशयी कित्ते चिंततां तेवूय आमका कळूक पावतां. पुण हातूत एक मुळावी त्रुटी आसता. हे अडेचे कशें दिसता कारण आमी धरून चलतात की हाणी एक आपले भितर मंडळशें घडला आनी घडणूको

जावन गेल्याउपरांत ह्या मंडळाचे दरेक वांगडी काणयेचो इतिहास आपणाले नदरेन सांगत वता. ही गजाल सोडल्यार हे कथानक सरळ आनी प्रभावी रितीन मांडला हे मानचेच पडटा. अदीमदी परते परते तेच तेच कायवेळा सोगिल्लेवरी दिसले तरी हे कथानक व्यवस्थित आपणालो उच्चबिंदू सापडायता. त्याभायर एके कुड्डे चलयेक प्रतिमांच्या आदारान आपणाली कथा सांगूक लावन एक नाट्यमय नेमकेपण हांगा बरोवप्यान सादला. हाचेवरवी ते चलयेचे अंतर्मन भेसबरे उकते जाला. हे पद्धतीन आनीक एक गजाल वरी सादल्या : थोड्याच उतरानी आनी नेटान अमरनाथ आनी लवंगलता हांचे भित्तल्ले घुसपां गोदळाचे नाते वरे विस्कटावन दाखयला. ही दोगांय एकाच वेळार एकमेकांचेर मोग करतात आनी दुस्वासूय दाखयतात. दोगायमदलो संघर्ष बरोवप्यान आपणाल्या वर्णनातल्यान सांगिनास्तना पात्राकूच आपणाल्या तोंडातल्यान सांगूक लायला. 'कृष्णकांतेर वील' कादंबरी 'आनंदमठा'वरीच बंकिमचंद्रानी चडातचड गाजिल्ली आनी वादग्रस्त कांदबरी थारली. पुण 'आनंदमठा'वरी हे कादंबरेक धर्मीक वा राजकी - हेतु नात. ती फक्त एक निर्मळ कलाकृती. घडणूकांच्या नेटाक लागून पात्रामदी उत्क्रांती घडोवन हाडपी एक कौटुंबीक आनी समाजीक कादंबरी. तिर्चे मूळ आनी मुखेल खाशेलेपण म्हणजे तिचे सादेपण. ती संवादरूपी साद्या उतरानी बरल्या. परीकथा वा ज्योतिषशास्त्राचो आदार घेतास्तना सांगिल्ली ती एक खर वास्तववादी कथा. हांग भ्रमर, रोहिणी आनी गोविंदलाल हांका मदी घालून सांगील्ली एकली एकसुरी कथा. निशाकराक लागून तिका एक सनसनाटीशी मेळटा आनी तोच संघर्ष जमनीर मूर्त स्वरूपात हाडून निमणी शोकांतिका दाखयतां. पुण तरी तो एक भायलो परकीसो. तो जितले बेगीन येता तितलेच बेगीन फाटी वता.

'विषवृक्ष' ही 'कृष्णकांतेर वील' कादंबरी वेरी जायते बाबतीत दिसता. तातूत मुळ कथानकाक चालना दिवपाक देवेंद्र आनी हिराचे उपकथानक आसा. 'कृष्णकांतेर वील' कादंबरेच्या कथानकाक जो किते घुसपागोदळ आसा तो केवळ एकाच कथानकाचो. गोविंदलाल आनी भ्रमर हांचे लग्न जाला आनी ती एकमेकांचेर उत्कट मोंग करतात. पुण ह्या सुखात वीख कालोवपाक गोविंदलालाचेर पुराय भाळपी धूर्त सुंदर विधवा बायल रोहिणी मर्दी येता. गोविंदलाल तिच्या भुलोवण्याचे भकीक पडटा. गोविंदलाल आनी रोहिणी पळून पयस प्रसादपुराक वचून राबितो करतात. ज्या उवाळिल्ल्या घरांत थय ती रावतात ते मुळचे एका निळीच्या जमीनदाराचें. कायं काळ तीं समाजाच्या नदरेआड रावतात. पुण अचकीत एक दीस एक परकी मनीस निशाकर थयं पावता. गोविंदलाल तांका सामको कुसकुटावन धावडावन दिता. पुण रोहिणी ताचेकडेन ओडटा आनी कोणाक सुलूस लागूक दिनासताना ताका मेळपाचे थारायता. पाच मिनीटालेगीत ती दोगाय एकठायं येवक ना जातली, इतल्यान गोविंदलाल तांका आजपाचो धपको दिता. तो रोहिणीक ओडटा, घराकडेन व्हरता आनी एकाच फारान तिका जिवानीशी मारून उडयता.

व्हड साहित्यीक शरत्‌चंद्राच्या फुडारपणाखाला हे कादंबरयेच्या टीकाकारांनी प्रस्न विचारला : कादंबऱ्येचो हो शेवट रोहिणीक न्याय दिता व्हयं? हांगां एक विधवा एका दादल्याच्या मोगांत पडटा आनी उपरांत दुसरे एके बायलेच्या घोवाक भुलयता. पुण परंपरागत नितीमत्ता असले बायलेक मान्यताय दिना. बंकिमचंद्रानी हांगां परंपरेकडेन सामकी शरणागती पत्करल्या अशें दिसना? रोहिणी गोविंदलालाच्या मोयपासात येता आनी गोविंदलालाच्या फायद्याखातीर कृष्णकांताच्या घरांत रिगून एक मृत्युपत्र चोरून हाडपाचे धाडस करता. खरे म्हळ्यार तिका पयलीं एकलेपणाचो वाज येवन ती जीव दिवपाचो विचार करताली. अशी ही बायल पयलेच फावट तिच्या जिवितांत येवपी एका सुंदर दादल्याचेर इतली भाळटा हे मनोविज्ञानीक नदरेन बरोबर दिसता व्हयं? शरदचंद्राच्या मतान हांगां लोकांनी परंपरागत नितिमत्तेच्या आदारान रोहिणीकडेन पळयला देखून ते असले प्रस्न विचारतात, निर्वाळो दितात. अशें तरेचे नदरेन नियाळ करप हो बायलसबावाचेर तसो अन्याय अशें शरत्‌चंद्राक दिसता. ताणी बायलसबावाची उत्कट आनी उत्तुंग चित्रणा खासा आपल्याच कादंबऱ्यानी चितारल्यात.

पुण बारीकसाणेन कादंबरी वाचल्यार, पूर्वग्रहाविरयत येवजील्यार दिसता की अखेरचे रोहिणीच परिवर्तन हे सुखेच्या रोहिणीच्या सबावावांगडा भेसबरें जुळटा. ती कुंदनंदिनीवरी नाजुक, कवळी चली न्हय. ती धूर्त आनी शिटूक आसंता, त्याभायर घट निश्चयाची. आपणालो कायच गुन्याव नासताना नियतीन आपणाचेर केल्ल्या अन्यायाक फुडो करून नियतीवांगडा झुजपाची धिटाय तिच्यात आसता. तिच्यातलो चड खर सभावधर्म म्हळ्यार सुख आनी भोग हांची आसक्ती, जाकालागून ती कितेय करपाक तयार आसता. हेबाबतीतली निर्शेणी तिका नितीमत्तेभायली करणी करपाक कोमार काडटा आनी तिची शिटुकसाण आनी हुशारकाय तिचे लालसा - तृप्तीचे सेवेक आसतात. बंकिमचंद्र विनोदान म्हणटात की फावोशी वस्त नासल्यार ती एकाद्रा माजराक वा कोगळाक पळयल्यारूय तिची प्रणय वासना जागी जाव येता. अशें तरेचे बायलमनर्शेन जर लग्न बी जावन घर - संसार सुखात ती थीर जाल्ली जाल्यार आमची नितीमत्तेविशीची जाणवीकाय आनी सौंदर्य दृष्टीचे नदरेन ते समा जावपाचे न्हय. आपणाली लैंगिक भूक भागोवपाखातीर पिश्यावरी ती प्रसादपुराक धावून वता. हे लैंगिक भूकेक जाय जाल्यार कोणे शृंगार वा प्रणय म्हणचे - पुण तिगेली वासना तृप्ती तिका रूढ समाजाचे फास्केत रावन मेळनाशींल्ली. ते फास्केत फक्त एकच भावनीक गरज भागतां आनी बाकीच्या गजालीक आनी अभिव्यक्तीक आडावन धरचे पडटा. गोविंदलालाक ज्या सोपेपणान ती आपणायता तितल्याच सोपेपणान हरालालाक वेगावपी बायलेकडल्यान तशीं अपेक्षा करप चूकीचेच. हेर तरण्या दादल्यांचे बाबतीतूय ती अशीच सहजपणान चळटलीच. तिका जाणविकायेन गोविंदलालाक आपुण बेईमान जाता हे सिद्द करपाचे नाशींल्ले. सुरवेक खरे म्हळ्यार तिका पांच - धा मिनटा फक्त हरालालाकडे उलोवन सदाच्या कंटाळवाण्या जिवीतापासून मातशी

मेकळीक जाय आशिल्ली. ह्या सदांच्या जिवीतांत नवेशें वा विविधताय कायच नाशिल्ली आनी तिच्या जोडीदाराच्या मनांत सदाच आपणे सोडिल्ले बायलेचेय विचार घोळटाले.

कादंबरेच्या पयल्या वाट्यात रोहिणीचे वाडटे कामवासनेची वर्णना आयल्यात. कथानक संथ गतीन फुडे वता कारण चरित्रचित्रण करपाचे आसा आनी सगले धागे पयली विसकटावन दाखोवचे आसात. नाजाल्यावर कथानक मनाक पटचे नाशिल्ले. पुण उपरांत ही धाटणी फावोशी नाशिल्ली आनी वाचप्याक तिचो वाजूय येव येतालो. हाकाच लागून बंकिमचंद्र वेगळ्या तंत्रान कथानक फुडे व्हरतात. ते मागीर सुचकताय आनी प्रतिकांचो आदार घेतात. खासा गोविंदलाल आनी रोहिणी रावतात तो वाठार आनी घर हांकां खाशेले म्हत्व आसा. ते एक उंवाळिल्ले घर जातूंत फाटल्या काळात गुन्याव आनी आगळिको जाल्यात आनी लोकवस्तेपसून ते खूब पैसूय आसता. घरालागच्यान व्हांवपी झरूय सुकत आयल्या. हांचेवरवी तांच्या अनैतिक संबदातली हुनसाण उणावत चालिल्ल्याचे सुचवप सादला. ही झर ताच्या जिवीताची एक गवाय. घराभितल्लो देखावो हाच्याकय चड सूचक. हिशेब चुकते करपाक येवपी एक पसरकार सोडल्यार आनीक कोणूच तागेर पावना. कुडी रंगोवन सजल्यात पुण कश्याय कशो. घराचो धनी गोविदलाल रोहिणीत गुल्ल आसता आनी त्याचबराबर विसराळूय. संगीताचो एक पाठ आसा पुण तांतूत जीवसाण अशी नां हें वर्णनावयल्यान दुबवाविरयत दिसता. घरातली हेर मनशां म्हणजे फक्त दोग नोकर जे हाडामासाच्या मनशापरस पुतळेचशे अदीक दिसतात. अशा घरात भ्रमर ह्या मनशाचे नावलेगीत घेतल्यार व्हडलो आवाज जाता आनी मागीर सगलेच आरत्याचे परते जावन पडटा. अशा ह्या पूर्वकथानाक निशाकरावांगडा जाल्ली भेंट हे फावोशे फुडले पावल. हांगां बंकिमचंद्राक वासना आनी वेदना हातूंत भरिल्ली एक मानवी काणी सांगपाची आसा आदर्श पतीनिष्ठा वा कायद्याभायली जावं पुण शुद्ध निष्ठा वा भक्ति ध्या गजालीचे तांकां पडूक ना. भ्रमराक ताणे व्हडलो केला पुण सूर्यमुखीभाशेन तो कर्तव्याचे मूर्तीमंत रूप न्हय. सूर्यमुखी ही विषवृक्ष कादंबरेतलो भ्रमर. ती पोरकट, हट्टी आनी कोणाक माफ न करपी. हे सगळे दोष आसात म्हणूनच ती मनीसशी दिसता. रोहिणीत अदीमंदी मायेचे जोगला झगझगतात तरी ती एक अपरिपक्व अंन्तरात्मो आशील्ली बायल. तिची विवेकबुद्ध तिच्या भावनाचे साधन. म्हत्वाची गजाल, तिच्या सातत्यहीनतायेक सातत्य असा. बंकिमचंद्रांक तांच्या सगल्या कादंबऱ्यामंदी 'कृष्णकांतेर वील' सगळ्यात चड आवडटाली अशें म्हणटात. ताचे नदरेन हांका तशी कारणाय अशिल्ली. अर्थात प्रत्येकाची आवड निवड वेगवेगळी आसू येता.

बंकिमचंद्रांची फुडली कादंबरी 'राजसिंह' (1882). ही एक इतिहासीक आनी प्रचारकी कादंबरी. तांकां हिंदूचे सैनिकी नैपुण्य आनी व्हडपण दाखोवपाचे आसा. देखून ते आपणाल्या प्रबांधाक आदार म्हूण राजपूतांच्या शौर्याकिडेन वळटात. धार्मीक कुड्डी श्रंद्धा व्हडल्या व्हडल्या साम्राज्याकं कशी ना करूक पावता हेंवूय तांका

दाखोवपाचे आसा. औरंगजेबाची देख मूदयेर थीक कशी ते वेचून काडटात. खासा बंकिगचंद्राक दिशील्ले की राजसिंह हीच तांची एकली एकसूरी इतिहासीक कादंबरी. कारण, हांगां मुखेल कथानक इतिहासीक. हे मुखेल कथानक म्हळ्यार मोगल आनी रजपूतांचें झूज. ताणी हाचेखातिर वेगवेगळ्या साधनातल्यान म्हायिती मेळयल्ली पुण ह्या मताकडेन सगलेच सहमत जायत म्हूण सांगू नज. इतिहासाच्या हाडांतल्यान खरेल्लो प्राण ताणी फुकलो तो 'दुर्गेशनंदिनी' आनी 'चंद्रशेखर' ह्या कादंबऱ्यानीं. मुखेल कथानक इतिहासीक स्वरूपाचे नासून लेगीत 'मृणालिनी'त तर ताणी पयलेच मुसलमान घुरयेउपरांतच्या ऱ्हास जावंक पाविल्या बंगालाचे फावोर्शे वातावरण परतेय जितेजिवे करून दाखयला. ट्रेक्ल्यांच्या उतरांनी सांगचे जाल्यार आमच्यांनी म्हणू येता, ह्या कादंबऱ्यानी ज्यो घडणूको खरेल्यो इतिहासीक न्हय त्योलेगीत 'इतिहासाची अप्रूप प्रतिकृती' अर्शे दिसतां. 'राजसिंह' कादंबऱ्येत प्रचारकी उत्साहाचे भकिक पडून ताणी आत्म - फटोवप केले अर्शे मुखेल कथनकाचे बाबतीत म्हणू येतां. टॉडऑर्म आनी मानूरस्सी हांचो चिकित्से बगर आदार घेवन ताणी औरंगजेबाक जाणटेपणातलो विसराळू, कमजोर मनीस दाखयला जाका आपणालो जनानखानो सांबाळूंक कळना आनी दूस्मानाचेर जैत जोडप जमना. ऑर्मेचे 'हिस्टॉरिकल फ्रॅगमंटस्' हे अर्दकूटे आनी खरेपणी इतिहासीक न्हय. तेचपरी चिकित्सक वाचप्याक टॉडाचे टिपणूय अर्शेच अति काल्पनीक, अ - इतिहासीक म्हणपाचे जाणवतले. मानूरसी हो दाराचो आनी ताच्या कुंटुंबाचो राजवैज आशिल्लो. अशा मनशाच्या टिपणान पूर्वगृहाकलागून कुडेपण येव येता हाचे भान बंकिमचंद्रानी दाखयले ना. औरंगजेब मागीर हेरशीं कसोय किंदेय आसू. तो दुर्बळ नक्कीच नाशिल्लो. खरेपणी बुद्धीची लवचिकताय आनी कुडीचे ताकीचे बाबतीत औरंगजेबाइतलो चूकून दुसरो शासक आमका खय दिष्टी पडटलो? पुण हे कादंबरेत तो आपणाले हिंदू राणयेक तिच्या धर्माचे परंपरेप्रमाण आचरण करपाक मेकळीक दिता. ही हिंदू राणी लेखकाचे कल्पनेतली. त्याचप्रमाण एक टिट्टिट्पी रजपूत चली ताचे पलासीत पेता तेन्ना तो सहज तिच्या कारस्थनाचे भकीक पडटा. दोगरांचे खिंडीत जाल्ले लडायेचो बंकिमचंद्रानी नाका तितलो गवगवो केला. औरंगजेब खयं हांगां दोन दीस राजसिंहाच्या पुराय कब्जात बंदखणीत उल्लो. हें एक ऑर्मेकडल्यान घेतलेले अतिरेकी आनी चिकित्सेबगर वापरीले अवास्तव टिपण. यदूनाथ सरकारा सारकेल्या अरविल्ले इतिहासकारानी हे प्रकरण सामकेंच फट म्हळा पुण 'राजसिंह' ही कादंबरी खरी इतिहासीक कादंबरी अर्शे सरकारांन मान्य केला हे मतित धरपासारकें. मध्ययुगीन भारतीय इतिहासाचे आनी बंकिमचंद्रांचे समकालीन एलफीस्टन हाणी ह्या प्रकरणाचो उल्लेखलेगीत खयंच करूकना. राजसिंह आनी औरंगजेब हांची लडाय आनी माणिकलाल आनी निर्मलकुमारी हांची काल्पनीक रचणूक हांचेबाबतीत बकिंमचंद्र घाळरा वल्यात. प्रचाराचो अती उत्साह आनी परीकथेचे आकर्शण हांकांलागून ते अर्शे फस्तीक पडल्यात. पुण राजसिंहाचे भव्यदिव्य स्वरूप आनी

तांक हाचेविशी कोणे चूकीचो समज मात करून घेवचो न्हय. कथानकाच्या एका कालखंडातल्यान दुसऱ्या कालखंडामेरेन पातळपी भव्य आवाठाचो खासा रविंद्रनाथानी तोखणायेन उल्लेख केला, हे विसरूक फावना. कलेचे नदरेन, मुबारक, झेबून्निसा आनी दारीया हांची प्रकरणा काळजाक भिडपी. हांगाय मुबारकाच्या पुनरूत्थानाचे बाबतींत परीकथेचे अंश प्रबल धारल्यात हें मत खरें. मुबारक नियतीच्या आनी दोन असामान्य बायलांच्या वासनांच्या प्रबल बादेच्या चेपणाखाला वावूरता. हातूंतली एक बायल वैल्या समाजीक थरांतली आनी दुसरी सामकी सकयल्या पावंड्यावेली. दर्याची भक्ती झपाट्टीलेवरी जाल्यार झेबून्नीसाची वासना विकृत. दोगायचो केंद्रबिंदू एकूच मनीस जाका लागून ती दोगांय एका पावंड्यार येतात. मोटवी दरिया उत्तूंग भव्यतायेक पावता आनी दुसरी एका बळिष्ट सम्राटाची बळिष्ट धूव अखेरेक सामान्य गुणदेशंची बायल हे तिकाय जाणवतां. हांचेमंदी सपनेल्ले झेमेल्लेसो शूरबीर मुबारक आगतीकपणान भोवंत आसता. हांचे सगल्याचे वयर क्रूर आनी अतर्क्य नियती सावटशें जावन रावतां.

मुखेल कथानकांत सगले लक्ष नाट्यमय घडणूकांचेर थिर रावता. ताकालागून टागोरांनी म्हळां ते भाशेंन सुकशीम चरित्रचित्रणाक व्हडलोसो वाव मेळना. पुण मुबारकाचे कथानक मानवी म्हत्वाचे जाका लागून झुजाच्या कथानकाक खोलाय आनी गिरेस्तकाय आयल्या. हर्शी युद्धाचे कथानक उत्तेजित करपी आसले तरी जिवीतांक फक्त सांडटे अशेंच आफंडून वतां. मदल्या काळांतल्या कादंबरीकार बंकिमचंद्रांनी तीन निखट्यो कथाय वरयल्यात तांचीय खबर हांगा सांगूक जाय 'इंदिरा' (1873) 'युगलंगूरीया' वा 'द टू रीगस' (1874)आनी 'राधारानी' (1877)ह्यो खरेपणी तशों लघुकथा प्रकारात मोडनात. आमका खबर आसाच, लघुकथा एकूच एक विशय, घडणूक बी चितारतां. ती चलत रावपी विशय वा घडणूक सांगित बसना. ते काम कादंबरेचे. लघुकथेक सुरवात, मध्य आनी शेवट आसलो तरी ती एकाच केंद्रबिंदूवांगडा घुवतं रावता. ती एके झगझगीत किटीवरी, अचकीत जोगलावता आनी तितल्याच अचकितपणान पालवता. बंकिमचंद्राच्या कथांक ही घनताय ना. त्यो नवलीका वा दीर्घकथा जाल्यात जांका सररूकट कादंबऱ्यांवरी गुणधर्म लांबल्यात. फक्त त्यो इल्ल्यो मोटव्यो आनी कमी संमीश्र इतलेच. त्याभायर त्यो परीकथाशो. खुद्द बंकिमचंद्रानी तांका परीकथेत घाल्यात जांकां ते उपकथा म्हणटात. पयली सांगला ते भाशेन तांच्या चडश्या पुस्तकांनी हे परीकथेचे सपनाळ वातावरण वसताच. पुण तांच्या व्हड कादंबऱ्यानी हो अंश मनोविज्ञान आनी शक्यताय आनी गरज हांच्या शेकातळा उल्ला. ह्या उपकथांनी मात सपनळेंपण सगळयांत वयर रावला.

'राधाराणी' ही हातूंतली सगल्यात दुबळी काणी. तचेर व्हडलेशें सांगपासारके काय ना. हांगां पावलाकणकणी अशक्य गजाली येतात. वास्तववादी भोवतणांक लागून तर ते चडूच जाणवता. 'युगलंगूरीया' एक खरीशी दिसपी अशक्यताय. तांब्रलिप्ट (तांबलूक) हे एका कळार जेन्ना पयसूल्लया सिलोन (श्रीलंका) वांगडा

बरो व्यापार चलतालो तेन्नाच्या काळाचेर हे काणयेचे कथानक आदारला. आयचेवरीच त्या काळारूय लोकांचो ज्योतिषशास्त्राचेर विश्वास अशील्लो. पुण हांगा मनशाचीं करतूबा - कामां आनी गीऱ्यांची पद्धत हांतूतलो जो ताळमेळ दाखयला ताचेर आमचे लक्ष थिरावता. एक न्हवरो आनी व्हकल दोळे बांदिल्ले आसताना कुड्डेपणान एकमेकांक माळ घालतात आनी आपणलो सांगाती कोण हे त्या दोगांकूय खबर नासता. पांच वरसां वतात आनी जेन्ना तांची वळख करून दितात तेन्ना ते मोगाचे लग्न अशें थारता. कारण हिरण्मयी आनी पुरंदर हीं तीं दोगांय एकमेकांक खूब पयलीसावन वळखताली आनी एकमेकांचेर मोंग करताली. जी एक अनैतिक भक्ती अशें हिरण्मयी समजताली तें एक बरें बायलेंची घोवाचेर भक्ती म्हूण थारता. ही कथा खूब बरेतरेन सांगल्या.

ताकालागूनूच मुळांत अशयक्य कोटीतली गजाल आसूनूय आनी इतले हाल उपद्रे, योगायोग बी मदी येवनूय हिरण्मयीची पुरदराकडली ओढ मातूय उणी जायना. तिचे फाटी फुडे येव तिची तडजोड आनी अखेरेची बेईमानी मान्य करप बी गजाली अनीकूय प्रभावी थारतात. इंदिरा ही युगलंगूरीया परस घड लांबायेची आनी सुंदर उतरल्या. जेन्ना कलकत्ता शार उदरगतीक पावूंक लागिल्ले तेन्नाच्या हालिच्या काळाची हिका फाटभूय आसा. पुण गावांची स्थिती दरोडेखोरांक लागून भिरांकूळ आशिल्ली आनी रेल्वे नाशिल्यान मेण्यांतल्यान प्रवास जातालो. देखून भय आसतालो. इंदिरेचें आठ वरसा पयली लग्न जाल्ले. पुण लग्नाउपरांत रोखडोच घोंव नोकरी सोदपक पैस गेल्ल्यान ती आपणाल्या बापायगेर वैनिचे पुण भावनीक एकसूरेपणाचे जिवीत जियेताली. मागिर हांगांच खरी कथा सूरू जाता - जेन्ना तिचो जिवीत घोंव आपणाल्या घरा परतता तेन्नाच खोशेन पिशी जावन ती कुळारा सावन ताका मेळूंक येवपाक भायर सरता. वाटेक दरोडेखोर धूरी घालतात आनी तिचेकडलें सगळें लूटून तिका दाट जंगलात उडयतात. हांगा मागिर इंदिरा एक व्हडलों प्रवास करता, जातूंत वाटेक काय मजेशिर गजाली आसपावतात. अखेरक ती कशीतरी आपणाल्या घोवांक येवन मेळटा. कथेचो शेवट घडेच तुटक दिसत म्हूण बंकिमचंद्रांनी कथेचो हो इतलो भाग घड लांबयला.

तातूंत ताणी जायत्ये ल्हान व्हड घडणूको भरशिलयात. मागिर काय काळ घोवांन बायलेचेर बारीक नदर दवरून खातरी केल्याउपरांतच खूब पयलीची ही घोव बायला एकठाय येतांत. कथेचो पयलो वाण्टो बरो उतरला. पुण इंदिरेन ज्या घरांत आसरो घेतला थय तिका येवन जेन्ना तिचो घोंव मेळटा त्या उपरांत वाचप्यांक इल्लो वाज येव येता. हे गजाली उपरांत बरोवपी ओढून ताणून आमचे लक्ष ओढून घेवंपाचो अडेचो यत्न करता काय दिसतां. 'इंदिरा' हे नवलीकेचे कथानक तितशें बरें आसाच. पुण कथाभागा परस ती सांगपाची धाटणी हांगां घड उल्लेखनीय. कथा सांगपी खुद्द इंदिराच. तिणे घोवाच्या सोदपांत आनी अखेरच्या जजतांखातिर सोशिल्या गजालींची काणी ती आपल्या उतरांनी सांगता. हे ती चमकदारपणान जिव ओतून काय वेळा विनोद बुद्धीन सांगता.ती प्रतिमाचोय

आदार घेता आनी सबंद कथानक जिवे तट्टीत कशें सुर्वेसाकून अखेरमेरेन उबे करता. कथानकाचे अखेरेक वयर सांगला ते भाशेन इल्लो वाज येवं येतां पुण तिच्या खेळकरपणांकलागून आनी सांगपाचे सुंदर धाटणेन कथेक जिवसांण आनी ताजबाण दिल्या. त्याभायर हे यत्न केलेबगर अचळय, सरळ सोपेपणांन जाल्ले दिसता. हे एक तिचे उत्स्फुर्तपणांन आइल्ले उमाळ्याचेल्हान हे कादंबरीकेचे महत्व दाखोवपाक बंकिमचंद्रांनी शेलेच्या उतराचो प्रस्तावनेत आदार घेतला :

" Rarcly, rarcly comes thou
Spirit of Dclight!"
(" क्वचित, क्वचित येता तू
अशां आनंदाच्या उमाळ्या !")

इंदिरा खऱ्यानीच असो आनंदाचो मुर्तीमंत उमाळो, आनी उतरांची जोवेर चरीत्रचित्रणांत ताक पावता तेबावतीत ती बंगाली साहित्यांतली एक खूबूच जिती - जीवी व्यक्तीरेखा.

प्रकरण - 3

# निमण्या काळांतल्यो कादंबऱ्यो

'आनंदमठ' (1882) 'देवी चौधूराणी' (1884) आनी 'सीताराम' (1887) ह्या निमण्या काळांतल्या तीन कादंबऱ्याखातिर बंकिमचेंद्रांनी परतून इतिहासाकडे वळून कथानकाचो मालमसालो घेतला. पुण ताणी तातूंत खूब बदल केले आनी खूब किर्ते किर्ते भरशिल्ले. देखून ताणीच वाच्याक शिटकावणी दिल्या की ताणी ह्यो कादंबऱ्यो इतिहासीक स्वरूपाच्यो अर्शे धरचे न्हय. त्याचप्रमाण एक कथा सांगूक सोदपी आनी व्यक्तीरेखा चितारपी सादे सादे ललित साहित्य अर्शेय ह्या कादंबऱ्याक म्हणप समा जावचे ना. ह्यो विचार करूंक लावपी कादंबऱ्यो. हातूंत सनसनाटी घडणूको आनी प्रभावी व्यक्तीरेखाटन खूबकडेन आसले तरी ह्यो घडणूको आनी व्यक्ती काय थरावीक धार्मीक, तात्वीक आनी राजकी विचाराची साधना जावन येतात.

ह्या काळांतली 'आनंदमठ' ही चड नामनेक पाविल्ली कादंबरी. ती बंगालांतल्या 1770तल्या व्हड दुकळाचे आनी अंदाधूंदीच्या तेन्नाच्या कारभाराचे भयानक वर्णन करतनाच सन्यासाच्या पुनरूत्थानाचे स्वरूप वळखुंक येना इतले वेगळ्या रूपांत बलून दिला. व्यक्तीरेखा काल्पनीक आसात हे तर जाल्लेच पुण खासा एका धार्मिक आनी राजकी पुनरूत्थानाची खबर इतिहासाक खयच आपणाली पाळामूळा दाखयनात. सन्यासी फकीरांची जी इतिहासीक माहिती आमका मेळटा ताचेवेल्यान ते बंगालांतले नाशिल्ले. ते वावूरताले ते जिल्हेय बंगालांत खरंपणी मोडनात. यदूनाथ सरकार सांगतात तेभाशेन ते फक्त सादे नितळ लूटपी आशिल्लें. न्याय आनी राखण हो विचार तांचे तकलेंत केन्नाच धोळ्ळेंना. पुण इतिहासीक फाटभूय तर्शी गैरलागू न्हय. उरफाटे ही फाटभूंय सारकी बरी लक्षांत घेतलीना म्हूण हे व्हडा पावड्याचे कादंबरेचेर फुडे जायती चुकीची टिका जाली. हांगां इतिहास कथानकाचो आवांठ थारायता हे मानूक जाय. इल्बर्ट बिलाक लागून उपराशिल्ल्या आंदोलनाच्या काळांत इंडियन नॅशनल काँग्रेस स्थापन जावचेपयली तीन वर्सा म्हणजे 1882त 'आनंदमठ' उजवाडा आयली. ह्या पुस्तकानच पयलीच बरयल्ले आशील्ले राष्टगीत भारताक दिले. हेच स्फुर्तीगीत राष्ट्वादी चळवळीचे रणशिंग जालें. पुण कथानक फावशां भोवतणात बांदप गरजेचे अशिल्ले. नाजाल्यार ते सामकेंच वाऱ्यावयले आनी अती काल्पनीक जावपाचे. हे भोवतण फावोर्शे, हालीच्या बंगालाचे आसप गरजेचे जाल्लें. मुसलमानी सत्ता सोंपपाक आइल्ली आनी तेन्नाच्या अंदाधुंदी कारभाराक ब्रिटिशांनी अजून जाग्यार घालूक नाशील्लें. हो काळूय म्हत्वाचो अशिल्लो. ही

सगली फाटभूयूच क्रांतीकारी कादंबरेक एक स्थानीक घराबो मेळोवन दितां. ह्या अश्या भोंवतणांत क्रांतीकारक देशभक्त विश्वास दवरपा सारक्यो इतिहासीक व्यक्तीरेखा म्हूण चितारचे जाल्यार तांकां हिंदू साम्राज्यवादाचे पुनरूत्थान म्हूण राजाकी स्वातंत्र्याचो विचार करूक लावप गरजेचे जाल्ले. पुण हे संकूचीतपण ही एक ओघान येवपी गजाल जाचो मूळ विचाराकडेन तसो कायच सबंध ना. कादंबरेची ध्येयधोरणा पळयतना आमी इतिहासीक फासकेच्या मर्यादाकडेन दुर्लक्ष करूंक जाय वा ती फासकी आसा ते तरेनूच स्वीकारूंक जाय. वंदेमातरमूच्यो तुर्वेच्यो वळी बंगालच्या पाचव्याचार शेताचीच वर्णना करतां आनी राजस्थानांतल्या खोल, दोंगरी वाठारांचो प्रस्न हाडिना, वा चाळीस कोटी भारतीयांचे सुवातेर सात कोटी बगाल्याचोच विचार करता हाचेर आमी दुर्लक्ष करतांत तेच भाशेन हें.

मुळ ध्येयधोरणा किते आनी बंकिमचंद्रांनी ते कशें सादला ते पळोवप म्हत्वाचे. आनंदमठ म्हणजे आनंदाचे वसतीस्थान. हाचो संस्थापक सत्यानंद हाणी आपणाक वैष्णवी पंथाचो उदगातो मानले. पुण हो वैष्णवी पंथ श्री चैतन्याचो मंवाळ शांतीकारी वैष्णवी पंथ नासलो, तर तो महाभारतांत मेळपी मुळ वैष्णवी पंथ आशिल्लो. बंकिमचंद्रानी आपणाल्या '' लाईफ ऑफ कृष्ण'' आनी हेर धार्मिक निबंदांनी हाचेर बरयला. हांगा देव हो मोग हाचे परस न्याय हे संकल्पनेचे प्रतिक मानला. तो बळग्याचे साधन जो पालक आनी निर्दालकूय बी. इतिहासीक म्हत्व किर्ते जांव, हो एक सामान्य विचार, केवळ जाचेवरवी बंकिमचंद्राच्या चित्रणाचे व्हडपण सांगूक शकचो ना. हांगां मौलिक आनी विशेष ती देशभक्तीची संकल्पना आनी देसाक आवय लेखपाची दृष्टी. हांगा संतान ही हे आवयची भुरगीं आनी दुसरे कसलेच नाते लागना. आवय म्हुण ती घरगुती जिवीतांतलया सगल्या पवित्र गजालीचे प्रतिनिधीत्व करपी आनी धर्माचेच अंतिम रूप. तिचेपरस व्हड आनी पेल्यान अशें कायच ना; आमच्या देवावीशीच्या सगल्या कल्पनांचे ती प्रतिक. अंतिम स्वरूपाची ती जाल्ल्यान ती आमचेकडेन पूर्ण आज्ञापालन आनी सगळे हेर बंदपास तुटचे अशें मागतां. हाकालागुनूच जाणी संसार त्यागला ते संन्यासी म्हणजे संतान. खंयचोच विचार वा कल्पना केवळ उत्तुंग आसली म्हूण कलात्मक पावंड्यार सर्जनशिळ जायना. त्या खातिर तो विचार वा कल्पना फावो त्या जित्याजिव्या प्रतिकांमार्फत बांदून काडूक जाय. देखूनच कला ही काळजाक भिडपी आनी जिव्या तट्टीत व्यक्तीरेखांची मागणी करीत आसतां. हे कादंबरेन महेंद्र आनी कल्याणी हांच्या गावांतल्या घरांतसून भायर प्रवासांतल्यान कथानकाक सुरवात जाता. पुण हेमचंद्र आनी मृणलीनी हांचेवरी ती फक्त कथानकाक चालना दितात. जायते फावटी ताकां फुडे हाडल्यांत जाल्यारूय तांचो इतिहास चरित्र आपले परिंन तशी म्हत्वाची न्हय. कारण महेंद्र त्या पुनरूत्थानात जे काम दाखयतां तरी तो खऱ्या अर्थान संतान न्हय. सन्यासाची धाडसा आनी झुजा प्रभावीपणान दाखयल्यांत पुण निखटे वर्णन म्हणजे व्यक्तीरेखाटप न्हय. आवयचो उलो कितलो अंतिम आनी खाशेलो आसूक जाय ते सत्यानंदाचे दोन साथीदार भाबानंद आनी

जिवनानंद हांच्या इतिहासावरवी पळोवंक जाय. आवय निर्पस्न पुराय विरक्ती मागतां पुण कुडीचे आकर्शण; लैंगिक उमाळे, मुळांव्यो गरजो कश्यो जाग्यार बसोवप? हे तर मनशाचे अनंतकाळाचे वादळ वावटळीक घडवपी दांन मूळ उमाळे. अखेरीचो विचार केल्यार महेंद्राची बायल म्हूण कल्याणी कमी म्हत्वाची. भाबानंदाची श्रद्धा मुळासकट हालोवपी म्हणूनच ती घड म्हत्वाची थारता. हांगा फकत नाट्यमयता आसा इतलेंच न्हय जाल्यार दरेक क्रांतीकारकाक केन्ना ना केन्ना फुडो करचो पडपी प्रस्नाची चर्चा आसा. होच प्रस्न जिवनानंदाच्या जिवीतांत वेगळ्या रूपात उबो रावता. तो एक लग्न जाल्लो मनीस. ताणे आपणाली बायल शातीची भेट घेवन आपणाले व्रत मोडला. बायलय सन्याशाच्या मठात वचून थंय संतानाच्या सैनिकी वावरांत आकांताचो वावर करता. जिवनानंद आनी शांती एकठायम रावतात. पुण घोव बायल कशी न्हय. देशभक्ती आनी धर्माच्या आदर्शाक लागून ताणी एकामेकांचे आकर्षण सोडला आनी केवळ साथिदारपणान तांचे रूपांतर केला. हे रूपांतर मातशें परीकथेतले कशें दिसतां पुण ताका लागून प्रस्नाची वास्तवताय आनी गरजेच्या संदेशाक बादा हाडीना. एकाद्य वेळार क्रांतीकारी जावप आनी कुटुंबवत्सल मनीस म्हूण जियेवप शक्य नासता हे गोरकीचे कादंबरेतूय आमी पळयलां. बंकिमचंद्र ह्या प्रस्नाकडे केवळ सोय गैरसोयीचे बाबतीतले नदरेतल्यान पळयना. आवय म्हणटात ती खयच्याय क्रांतीकारकाक सर्वव्यापी सर्वसाक्षी देवा भाशेन जी सर्वव्यापी सर्वसमर्पण मागता. हे करताना संघर्ष जावं, परीवर्तन जावं, पुण तडजोड मात ना.

'देवी चौधरीराणी'ची इतिहासीक बुनियाद 'आनंदमठा' चेपरसूय घड धूवराळी बंगालच्या अंदाधूंदीच्या त्याच काळाचेर हीवूय आदारल्या. तो काळ म्हणजे मुसलमान राजवटीचे निमणे दीस आनी वॉरन हेस्टींग्ज भारतात ब्रिटीश प्रशासन सारके सुरळीत जाग्यार हाडचेपयलीचो. हे गैरकारभाराचे आनी अंदाधूंदी परिस्थीतीवेळार बंगालच्या काय वाठारांनी जायत्या दरोडेखोरांनी धुमशेणा कांडील्ली. हातूंतल्या दोगांचो उल्लेख हंटराच्या 'स्टॅटीस्टीकल अकांऊट ऑफ बंगाल - भाग ७वो' हांतूत मेळटा : भाबनी पाठक आनी देवीचौधरानी नावाची एक बायल, दोगांय मेळून बोटीनी रावताली. पुण हांगा मुखेल पात्रांची इतिहासीकताय थांबतां. कारण इतिहांतलो पाठक बंकिमचंद्रांनी रंगयला तसो शिकील्लो वा दुसऱ्याचे बरे करपी नाशिल्लो तेच भाशेन देवीचौधुराणी फक्त वैभव मिरयताली, इतलेंच न्हय तर खासा लूटाल्ली. बेबंद शायेचे चित्रण इतिहासाक स्मरून सामके व्यवस्थीत केला अशे इतिहासाध कारांचे म्हणणे. पुण व्यक्तीरेखा आनी जांची प्रतिका त्यो जाल्यात ते सगले बंकिमचंद्राचे स्वतःचे. त्यापयलीय सांगला त्याप्रमाण, ह्यो निमण्या काळांतल्यो कादंबऱ्यो. ह्यो विचारप्रवर्तक, देखून तांचो परामर्स घेतांना कथानकांकडल्यान व्यक्तीरेखांकडेन वळनासतानां, विचारांकडल्यान कथानकांकडेन आनी उपरांत व्यक्तीरेखांकडेन अशे तेरेचो प्रवास करचो पडटलो. आपणाल्या धार्मीक निबंदानी जाचे तात्वीक विवेचन बंकिमचंद्रांनी

केल्ले त्या संस्कतायचो धर्म ह्या तत्वाचे चित्रण तांका करपाचे आशिल्ले. संस्कृताय वा धर्म म्हळ्यार मनशाच्या शारीरिक, सौंदर्य शास्त्रीय आनी आत्मिक प्रवृत्तीचो पुराय सुरळीत विकास. ह्या विकासाचे फळ म्हणजे सगल्या सुवार्थी इत्सांचेर जैत आनी खयंच्याय दादल्यान वो बायल मनशेंन सुवार्थाचेर नदर दवरी नासताना आपणाले कर्तव्य निभायत वचप. हे अवस्थेतच सगली कर्मा कर्तुबां देवा अर्पण करप शक्य जाता. हो धर्म सर्वसंगपरित्यागापरस संवसारात रावूनूच सगली कामा कर्तव्यभावनेन करपात बरेतरेन जावन येता. विरक्ती आनी सन्यास म्हळयार आपणाले सामाजिक जापसालकेंपसून पळून वचप. भगवतगीतेचोय संदेश होच. महाभारतात भगवान श्रीकृष्णांन हेंच सांगला. काय काळाउपरांत टागोरांनी हेच सांगले. सुटका? मुक्ती? ही खय मेळचेली? त्या विधात्यानूच आपखोशेन निर्मणचे सगले पास आपणाकडेन दवरल्यात. तोच आमच्या वांगडा बंदपासांत आसा.

भाबनी पाठक हो धर्म शिकयता आनी प्रफुल्ला तोच धर्म जियेता. तिका घोवाच्या घरांत घेनासले. तिच्या मावान तिचे आवयवीशी एक (कसलोच आधार नाशिल्ली) गजाल आयकल्ली. अचकीत तिका व्हडलो धनलाभ जात आनी त्याबराबर तिची डाकू भावनी पाठका कडेन भेट जाता. तो मागिर तिका येवस्थीत खूब शिकयता आनी तिच्या व्यक्तीमत्वाचो सर्वांगीण विकास घडोवन हाडटा. उपरांत तो तिका विशाल संवसारात देवी चौधूराणी म्हणून तिच्या राणयेवरी कर्तव्याक पाळो दिवपाक सोडटा. राणयेवरी कर्तव्य म्हणजे दुबळ्यांक तारप आनी दुष्टांक मारप सामके निर्विकारपणे भय मीड आनी कसलोच सुवार्थी हेत मनांत बाळगीनासतना. पाच वर्सां ती हें कर्तव्य राणयेच्या भेसांत आनी फावाशे नमळीकायेन पुरें करता. उपरांत ती आपणाल्या घोवांक मेळटा - जायत्या वर्सांचे ताटातूटीउपरांत अकस्मात तिच्यातली घोवाची बायल म्हणपाची निजी प्रवृत्ती जागी जाता. हाचोच अर्थ भावनी पाठकान घालून दिल्ल्या कर्तव्याच्या धड्यापासून ती घळटा. ती पयलीचे राणयेवरी आनीक एकूय पावल फुडें वचूंक पावंना. पयली ती आपूण समाज विघातक, डाकू म्हूण ब्रिटीशांक शरण वचपाचे येवजीता, आपणांक गोळाक लायात अशें सुचवपाक. पुण अजुनूय आपणालो घोंव आपणाक स्विकारीत ह्या विचारांन ती फाटी सरता आनी जीयेवपाची वांन्सा जागी जाता - दैवी करणी म्हणूक जाय - ती वाटवता आनी घोवाच्या घरां परततां आनी विसावता. पुण पयलीचे तिचे काय गुणधर्म वचून वचनात. तिका आपणवन सगळेच सुखी जातात. नयनतारा म्हळ्यार तिचे सवती सयत. हांगा आनंदाच्या सहस्त्र पासांनी तिका खरेले सुख आनी मुक्ती मेळटा. हांगा सामाजीक आनी जीतेजिवे उतरलां. पुण मुखेल विशय संस्कृताये चो धर्म. ह्या तत्वाक प्रतिक दिवप - तुटकशें आनी कशायकशें सादला. परिकथेंचे अंश खूब पोरण्या इतिहासाचो संदर्भ घेवपी कादंबरेत योग्य दिसू येता, पुण एका कौटुंबिक कथानकाच्या संदर्भात

गैरलागूशें दिसता. ही कल्पना रम्यता आनी अवास्तवता वादळाच्या प्रसंगात सामकी तेंगशेर पावल्या. ही दैवी घडणूक प्रफुल्लाक संकटातल्यान वाटावपाखातीर देवानूच घाडल्या हाचो आमी विस्वासचें अशी अपेक्षा आसा. ही गजाल सोडली जाल्यारूय देवी चौधुराणी म्हूण प्रफुल्लाची कारकिर्द दोन तरेन विश्वासाई जाल्या. पाच वर्सा तिका सगल्या विद्यानी परीपूर्ण प्रशिक्षण मेळटा. उपरांत ती राणयेची कर्तव्या निभावपाक फुडें सरता. पुण ह्या तिच्या कार्यकाळाची काणी मूळ विशयाक खूब गरजेची जावनूय, सरळपणानू सांगूक ना, फक्त स उतरांच्या एका वाक्यात तिचो आपरोस सांगला. मगिरूय प्रफुल्ला तशी खरेपणी विरक्त आसता व्हय? सैमाचो एकूच खरो स्पर्श सगलोच संसार तिका परकी करता. तिगेली घोवाची बायल म्हणपाची मूळ प्रवृत्ती सामकी व्यक्तीगत तिका राणीपदावेल्यान सकल हाडून मातये भरवण करता. आपण्याला घोवाच्या कुटुंबात ती बायल म्हूण रावता आनी संस्कृतायेच्या धर्माची जिण जियता अशें म्हणू येता. पुण हीचेविषी निमण्या प्रकराणांतलो ताकतिकेन सोपयल्ल्यो उतारो सोडल्यार आमका ताचेविशी चड कायंच वाचूक मेळना. हे नदरेन जय कादंबरी खरेपणी सूरू जावंक जाय अशींल्ली थयच ती सोपता अशें म्हणू येता. वा म्हणूया, हे कादंबरेक बरी सुखात, हाताभायर गेल्ले मध्य आनी नाशील्लो अखेर मेळल्यात. अखेरेक आमका कळटा ते इतलेच की प्रफुल्ला आपणाली घरगूती कर्तव्या वेवस्तीत निभायता आनी भोंवतणच्या सगल्याक ओड लायता. हाचो आमच्या मनार व्हडलोसो परीणाम जायना कारण आमी जाणात, तिच्या भावान तिका केल्लो सगलो विरोध ह्या पयलीच सोसून सोंपला. आता आमी पळयतांत की अखेरेक हे बळीष्ट चौधूराणींन शिकून घेतले ते फक्त घरच्या वातावरणात सुखात रमप! खरेपणी हो एक ॲन्टी - क्लायमेक्स थारता.

'सीताराम' हे अखेरचे कादंबरेकडेन आमी येतात तेन्ना कलात्मक कारागिरीचो पावडो हांगा आमका आनीकूय सकयल देवील्लो दिसता. ही कलाकृती म्हळ्यार अध्यात्मीक पावित्र्यावयर रावपी नितीमत्ता, जी गीतेत सांगल्या. त्या अर्थान ती विरक्त. हांगा इतिहासाचो पातळ थर आसा. काय विस्कळ घडणूकांची वर्णना, चडकरून सामके सुरवातीचे, प्रभावी जालां. बंकिमचंद्रांनी इतिहासीक घडणूकांचेबाबतीत खूब मेकळीक घेतल्या. तरीय जावन 18व्या शेकड्याचे सुखेक बंगालांत जे सामाजिक आनी राजकी जिवित आशील्ले ताचे चित्रण सामके वास्तव जाला. त्याचप्रमाण त्या काळावयल्या झुंजापद्धतीची म्हायतीय हुबेहुब चित्रायल्या. आमच्यानी पातयेव येता अशें इतिहासाकारामधले म्हालगडे जदूनाथ सरकार हाणीच खासा अशी गवाय दिल्या. पुण इतिहासाचे फासकेचो विचार कडेक दवल्ल्यार हे कथानक आनी पात्रा एकतर सामकी अशक्य कोटीतली वा गरज नाशील्ली अशी दिसतांत.

ध्येयधोरणाच्या पावडंधार हिचो विशय म्हणजे अति आशाळेपणांकलागून जावपी एका व्हड मनशाचे पतन. ॲन्टनीभाशेनूच सीताराम एके बायलेखातिर आपणालो

संवसार होगडायता पुण तो जिचेर मोग करता ती अस्तूरी - श्री - क्लीओपात्राचे तोडीची गणिका न्हय. ती फक्त ताचेर भक्ती आशिल्ली आनी ताचेकडेनल्यान पैसावली ताचि सादी बयल. ती एक लग्न जाल्ली बायल आनी त्याचबराबर जोगीणूय. तिणे संन्यास घेतला. ती ताका दिसरात आपणाल्या सांगाता रावूंक दिता. पुण ताणे तिका आफड्डूक लेगीत फावना ही एक अशक्य अशी गजाल. आता ही गजाल मनोविश्लेशणात्मक रीतीनी हाताळील्ली जाल्ल्यार मातशी तरी मनाक पटपाची. पुण बंकिमचंद्रांनी हांगां तशें करूक ना. ताणी फक्त ह्या प्रकरणाचो सीतारामाच्या राज्याचेर किर्ते परिणाम जाता ताचेच विस्ताराने वर्णन केला.

घोवाकडल्यान बायेलवटेन आमी वळटात तेन्नाय हे चरित्रचित्रण मनाक पटपा सारके दिसना. एका जोतिश्याचे सांगणेवयल्यान सीताराम आपणाले बायलेक श्रीक सोडटा. ती बाबडी एकली एकसुरी झरत रावता. हांगां आमका तिच्या मनांत ताचेविशी आदर आनी मोग आसलो तेन्नाच्या सपनाळ्या दिसाचे सोबित वर्णन वाचूक मेळटा. उपरांत ती सीतारामाक एका संकटाकाळार मेळटा. रोखडीच भविश्याची गजाल आयकता आनी हे फावट आपुण जावन पयस वता. ती जयती नावाचे एक जोगिणीक मेळटा आनी आपूणूच संन्यास घेता तेन्ना ती साप बदलील्ली बायल आसता. हांगां सीतारामाचे बायलेचेर जोगीण श्रीचो शेक आसता. ती आपणाल्या घेवांवांगडा आता रावता पुण पति आनी पत्नी ह्या नात्यान न्हय. ती तांच्यात कामवासना जागयता पुण आपुण ताका प्रतिसाद दिना आनी अशें तरेन ताचो विनाश घडवपाक पालव दिता. आपणाल्याच मनशाच्या नाशाक कारण जावपाची भविष्यवाणी ती दोन तरांनी खरी करून दाखयता. तिगेलो भाव गंगाराम हाच्या मरणांक तीच कारण आनी आता सीतारामाचे नैतिक पतन जाता आनी राज्य मातयेभरवण जाता तेय तिकाच लागून. घडये कोणूय म्हणत की कर्तव्यभावनोचो तिणे चुकीचो अर्थ लायला. पयले सुवातेर बंकिमचंद्राच्या मत्तान संन्यासापरस संवसारिक जिवीत धर्माच्या आचरणाक चड वाव दिता. खरेलो धर्म मनीसकायेची फोवोशी उदरगत पयलीच जमेक धरता. कर्तव्यातली, ज्ञानातली आनी धार्मिकतायेतली मनीसकाय. संन्यास हो एकतर्फीसो, कारण तातूत एका म्हत्वाच्या क्षेत्रांतल्यान - सामाजिक कर्तव्यातल्यान - पयस वचप आसपावता. दुसरे, कर्तव्य म्हणजे तरी किते? कर्तव्य म्हणजे - हांगांच बंकिमचंद्रांच्या मनातल्या सनातनीपणाचो गाभो होलमता - आमी जे आवतीकायेत सापडल्या तातूत आमी जे किर्ते करप गरजेचे आसता ते. म्हणटकच जेन्ना श्री ही सीतारामाची बायल आसता तेन्ना तिणे आपणाल्या घेवाच्यो सदाच्यो इत्सा भागोवंक जाय. हे तिचे पयले कर्तव्य ती चुकता हाका कारण तिगेलो संन्यासी आदर्शवाद. तिका दिसता, एक बायल म्हूण आसपी तिच्यातलो स्त्रीसुलभ वासना तिणे सोडल्यात.

हे सगले बरे वो वायट तत्वज्ञान जांव मागीर पुण कला केवळ तत्वज्ञान

शिकयना. तिचे मुळावे काम जिती जिवी प्रतिका निर्मुपाचें. कादंबरेच्या दुसऱ्या अर्दातली श्री एक जिती जिवी बायल काय फक्त एक निराकार विचार? तिच्या दाट संन्यासी आवरणापोदा तिणेय बायल सुलभ वासनांची जाणवीकाय अणभवल्याच आसूंक जाय. तिणेच आपणाली शिक्षिका जयंती हिका एक फावट सांगिल्ले आपणाक बारा शत्रू आसात तातूंत राजाय आसपावता आनी जायते फावटी तिका आपूण जोगिण न्हय तर एक लग्न जाल्ली बायल अशें जाणवला. पुण तो खर आत्मीक संघर्ष जावंक फावो आशील्लो ताची ही ल्हानशीच सुलूस. जयंतीच्या सल्ल्यान श्री आपणालो प्रस्न सोडयता. ती पळून वता आनी स्वताक एकलेपणांत लोटटा आनी अशेंतरेन हांगा 'मेलोड्रामा'चे भाकीक कला पडिल्ली दिसता. हे परिस्थितयेची तुळा आमच्यांनी 'रजनी'तल्या लवंगलता - अमरनाथ प्रसंगाकडेन आनी शरदचंद्राचे नामनेचे कादंबरेतल्या राजलक्ष्मी श्रीकांत - हाच्या भावनीक संघर्षाकडेन करू येता. कोणूय वादाखातिर म्हणत, बंकिमचंद्रांनी जर हांगां भावनीक संघर्ष दाखयल्लो जाल्यार इतिहासीक कादंबरेचे बाबतीत चड गरजेची आशिल्ली राज्यांच्या उत्थान - पतनाची कथा तांका सांगूक मेळची नाशिल्ली. पात्रांच्या उतथान - पतनाघी खबर चड म्हत्व घेवपाची. हातूंतल्यान कादंबरी लेखनाचे कारागिरयेविशीचो एक व्हडलो प्रस्न उपरासता. इतिहासीक कादंबरेन मनशांच्याा मनोविश्लेशणांक कितलेशे म्हत्व दिवंचे? अखेरेक सीतारामाचे बाबतीत इतलेच म्हणू येता की हांगां आमका हालोवन सोडपी आनी काळजाक भिडपी घडणूकांची खातड आसा पुण मनशांच्या चरित्र खोलायेत वसपी प्रस्न मात सोडून दिल्ले दिसतात.

प्रकरण - 4

# साहित्य - समिक्षा

बंकिमचंद्र कादंबरीकार म्हूण व्हड तर आशिल्लेच. त्याभायर ते एक नामनेचे समिक्षकूय आशिल्ले. पुण तांची एक सर्जनशिल ललीत लेखक म्हूण आनी भारताच्या संस्कृतीक उत्थानाचो प्रणेतो म्हूण चड नामना जाल्लयान तांच्या समिक्षात्मक विचार आचाराकडेन लोकाचे दुर्लक्ष जाला. अदीमदी केन्नाय ते उपदेशकर्शे दिसले तरी तांची समिक्षा उल्लेखनिय आशिल्ली. ती भेदक आनी अचूक, विशलेशणात्मक आनी देखीपूर्ण आसताली. वापरून वापरून गुळगूळीत जाल्ली मेजमापा ते वापरीनाशिल्ले. एका उत्तरांत सांगचे जाल्यार उदाहरणांसयत, पुराव्यांसयत ते बरयताले. तत्व आनी पद्धतीन बंकिमचंद्र सामके आधुनीक आशील्ले. काय बाबतीत पुनरूज्जीवनाचे पुरस्कर्ते पुण समिक्षेचे बाबतीत ताणी परंपरागत समिक्षापद्धतेक सोडचिट दिल्ली. संस्कृत अलंकार वा काव्यशास्त्रात वापरील्ली उत्तरा हालिसाराक अर्थशून्य जाल्यात अशें ते मानताले. चड करून मनशांच्या अनंत स्वभावधर्माक आटोवन फक्त आठ वा णव रसांत वा भावांत गुठलावप तांका मान्य नाशिल्ले. म्हणटकच आमी पंडितांक पयली मातसो सलाम मारपाचो आनी मागिर तांका आनी ताच्या उतरांक कडेक सारपाचे. मनशाची सोबितकायेक प्रतिसाद दिवपाची प्रवृत्ती तरेकवार आकृती बंदातल्यान उक्ती जाता. रंग, आकार, हालचाल, नाद, आनी अर्थपूर्ण उतरां हांतूतल्यान मनीस ही अभिव्यक्ती करता. रंगारी रंगाच्या माध्यमांतल्यान हे काम करता. आकार दिवपाची आवड आशिल्लो कलाकार हे काम दोन तरांनी करता. वनस्पत आनी प्राणीमात्राच्या पेल्यांच्या व्हडल्या वस्तीक आकार दिवपाक वास्तूशास्त्र येता आनी वनस्पती आनी प्राणीमात्रांच्या आकृत्यातली सोबितकाय रूपकारा हाडटा ती शिल्पकला. नृत्य हे हालचालीच्या सौदर्यातल्यान येवपी प्रकाराची अभिव्यक्ती करता आनी आवाज (नाद) म्हणल्यार संगीताची अभिव्यक्ती. अर्थपूर्ण उतरा हे कवितेचे साधन.

वयर सांगला ते विश्लेशण सामके वेव्हारी आनी खयच्याय सामान्य मनशाक कळसारके. ते वाचल्यार कोणाकूय ऑरिस्टॉटलाच्या 'पोएटीक्स'ची याद जातली. ललित साहित्याचो व्यापक अर्थान विचार करून बंकिमचंद्रांनी आपणाले पद्धतीन कवीतेच्या (काव्याच्या) वेगवेगळ्या प्रकारांची वर्गवारी केल्या - नाटक, महाकाव्य, गीत आदी. महाकाव्य आनी नाटक हातूंतलो फरक दाखयतना ताणी ॲरिस्टॉटलाकडेन फारकत घेतल्या. दोनूय प्रकारांत अभिनय ( घटना) आनी संवाद आसतात पुण नाटकांत सगले पात्रांत वरवी उक्तावच पडटा. कथानकाचेर

पात्रांचो शेक चलता. पुण वर्णनात्मक कवीतेत (काव्यात), व्हड महाकाव्यात वा ल्हान लांबायेच्या कथाकाव्य, अभिनय (घटना) उण्या म्हत्वाची, देखून तांतूत कथानकाचो पात्राचेर शंक चलता. हांगा बंकिमचंद्रांचे म्हत्वाचे मौलिक योगदान खयचे जाल्यार ते गीताची व्याख्या. मनशाच्या मनाक विस्मीत करपी एक खोलाय आसता. काय भावना, उमाळे, अभिनयामार्फत सांगू नज अशेंय आसतात. म्हणजे, महाकाव्यात वा हेर वर्णनात्मक कलांत. त्याचबरोबर दे उमाळे नाटकाचो म्हत्वाचो घटक म्हणजे संवाद हांचे वखीय सारके बरे उकताव नज. अशें तरेच्या भावनांची झलक स्वगतां मार्फतूच दाखोव येता. हेच तर गीताचे वा भावकाव्याचे खाशेलेपण. आता हे महाकाव्य 'लायर' वाद्यावांगडा गायनात आनी ते गावनूय दाखोव येता. हेच तर गीताचे वा भावकाव्याचे खाशेलेपण. आता हे भावकाव्य वा गीत आकारांन ल्हान आसता. हाचे कारण ते हेर साहित्य प्रकार खरायेक पावू शकनात थय संचार करता. आनी महाकाव्याची भव्यताय आनी नाटकांतलो विरोधाभास घुसपागोंदळाविशी उलयतात पुण भावकाव्य वा गीताचे बाबतीत तिची खरसाण आनी घनताय हांचो उल्लेख जाता. बंकिमचंद्र आनीक एक गजाल सुचयतात. ते म्हणटात, भावकाव्य जेन्ना आपणाल्या संदर्भाच्यो कक्षा रूंदायता तेन्ना तिचे खरसाणीचे उंचायेक बादा येता. बंकिमचंद्राच्या काळातलया कवीचे बाबतीत अशें जाल्ले, देखिक विद्यापती वा चंडीदास ह्या वैष्णव कवींच्या काव्याची उडी मर्यादीत आसूनूय ताणी खरसाण आणी खोलायूय घेतील्ली जी बंकिमचंद्रांच्या समकालीन कवींक घेवप जमले ना. आता बंकिमचंद्रांची ही एक सुचोवणी पुण ताचेर विचार करीसारकी. टी. एस्. एलिएटान म्हळा की डनासाकून ताच्या काळातल्या अरविल्या कवीकडल्यान आनी हेर साबार सुवातां कडल्यान मालमसालो घेवन जो कवीता रचता तेन्ना तिचे येस पातयेवन उरता ते सगळो मसालो एकठाय हाडून एक वेगळेंच खर रसायन घडपाचे बाबतीत. हांगा स्वताक जाणिव नासतनाय इलियट बंकिमचंद्रांनी केल्ले सुचवणेक आफुडटा. बंकिमचंद्रांचे समिक्षेचे एक ओडलायणे खाशेलेपण म्हणजे तिचे तात्पुर्तेपण. भावकाव्या वेल्या जयदेवावेल्या आपणाल्या निबंदाचे पुर्नरमुद्रण करचे वेळार ताणी सकयल टिप दिवन सांगलां की हे निबंद टागोरांचे मुखेल काव्यसंग्रह उजवाडा येवचेपयली बरयलेले. देखून एक शक्यताय जाणवता की जर टागोरांचे काव्य ताचे मुखार तेन्ना आशील्ले जाल्यार ते ह्या लेखांनी काय बदल घडये करित अशिल्ले. कायच ना जाल्यार मदल्या काळांतल्या आनी अरविल्या काळांतल्या काव्याविशी ते ताणी अंतर दाखयले थय ते थोडोभोव फेरफार करतले अशील्ले. ते मान्य करतात की साहित्यीक वर्गीकरणाचे बाबतीत वा साहित्यप्रकारांच्यो जाती सांगपाचे बाबतीत अंतिम अशे कोणाच्यानूच सांगू नज. हांगा ते क्रोसे फुडे हेच सांगपाचो आसा अशें भविष्य वर्तिल्लेवरी दिसतात. मिल्टनाचे 'कोंमस', गटेचे 'फाऊस्ट' आनी बायरनाचे 'मॅनफ्रेड', ही संवाद रूपान बरयल्ली आसली तरी ती नाटकापरस भावकाव्यात्मक चड जाल्यात अशें ते सांगतात. स्कॉटाचे 'द ब्रायड ऑफ

लामेरमूर' हाका कादंबरी म्हणचेपरस नाटक कित्याक म्हणचे न्हय, अशेंय ते विचारतात.

. आदर्शवाद आनी वास्तववाद, शिवम् आनी सुंदरम् हिवूय कलेक लागू करताना साक्षेप आसतात अशेंय ते सांगतात. इश्वरगुप्ता ह्या पत्रकार आनी उपहास - काव्य - कार हाणे हास्यकारी वा तांच्या निजी कोर्ड अणभवांची वर्णना केल्यांत त्यां गजाली ताणी पयसूल्यान अणभव घेवन केल्यात. तांच्या निरीक्षणापेल्यान वचून बरोवपाची कल्पकताय तांचेकडेन नाशिल्ली. देखूनूच ते व्हड कवी जावक पावले नात. पुण हांगाय एक गजाल आमच्यांनी विसरू नज की वास्तववाद आनी आदर्शवाद हांचेमदलो फरकूय अखेरेक अंतीम न्हय. नाटक्कार दिनबंधू मित्र हांचेविशी बरयताना ते म्हणटात, सर्जनशिलताय तीन तरांची आसता - अणभव वा निरीक्षण, सहानूभूती आनी सृजनशील कल्पना. व्हड लेखकाचे बाबतीत ह्यो तिनूय गजाली एकरूप जाल्ल्यो आसतात. ' जे आसता ' ताचे परस 'जे आसू येता' हाचेच काव्य अनुकरण करता अशें ॲरिस्टॉटल जे म्हणटा ते अशेच आसपाची शक्यताय दिसता. 'आसू येता' हे शिवम् आनी सुंदरम् ह्या दोनांकूय आसपावन घेता आनी 'जे आसा ' तातूंतल्यान हे उप्रासता.

कवीकडेन निजी, मौलीक प्रतिभा आसता. ताचे हे मौलिकपण (Originality) ताकां हेरांपरस वेगळो काडटा आनी ताकां सर्जनशील करता. बर्नार्ड शॉ म्हणटा ते भाशेन, जेपरी झाड वाऱ्यातल्यान निर्माण जावं नज तशेंचतरेन कवीय हवेतल्यान कायच निर्माण करीना. देखूनूच ताणी बरीकसाणीन निरीक्षण करचे पडटा. आनी हे निरीक्षणाचे क्षेत्र जितले विस्कळ तितलीच ताची निर्मणीय व्हडा पावंड्याची जातली. सर्जनशील कलाकाराक आपणाल्या निजी अणभवाचोच आदार घेवंचो पडटा. देखूनूच साहित्याची पाळामूळा ही जिवीतांतूच घटमूट राविल्ली आसतात. दुसऱ्या उतरांनी सांगचे जाल्यार, साहित्य म्हळ्यार जिवीताचो हारसो. बंकिमचंद्राच्या मत्तान महाभारतांतलो कृष्ण आनी भगवद्गीतेतलो कृष्ण हातूंत फरक आसलो म्हणपाचे गजालीचो संदर्भ पयली सांगलाच. साहित्यांत हो फरक चड जाणवता. बंकिमचंद्रांनी सांगला तेभाशेन जर आमी वाल्मिकीन रंगयल्ल्या रामाची काय शेकड्यांउपरांत भवभूतीन उत्तररामचरितांतल्या रामावांगडा तुळा केली जाल्यार हे खरेच म्हणचे पडटा. कवी हो जर सगल्या थळकाळाचो आसलो तरीय तो ताच्या काळाचोय आसता. दरेक व्यक्तीचित्र कवीन ज्या काळात ते रंगयला त्या काळाचोच परिपाक आनी निष्पती आसता. हांगां बंकिचंद्रांनी भवभूतीन रंगयल्ल्या नायकाचेर इल्लो अन्याय केला जावये पुण तांचो मुळ मुद्दो योग्य दिसता; प्रत्येक कलाकार आपणाले निर्मणेखातिर मालमसालो स्वताच्या अणभवअणभूतीवेल्यानूच घेता. हो अणभव ताचे भोवतणचे परिस्थितयेंतल्यातूनच येता. ही अणभूती आपणाले प्रतिभेच्या प्रभावान आनी आदारान वेगळीच निर्मणी करता ही खरी गजाल. पुण हीच अणभूती ताचे निर्मणेचो आवांठ आनी

थोड्यामोव प्रमाणांत कसूय धारायता. फक्त निरीक्षणावयल्यान बरयल्यार मात लेखक आपणे जें पळयला तितलेच बारिकसाणेन बरोवंक पावतलो. पुण कलाकार जातलो जाल्यार आनीक एके गजालीची गरज बंकिमचंद्र सांगतात. ती म्हणजे मोयपास वा सहानूभूती (सिंपथी). अविर्ल्ले मनोविज्ञानिक तिका 'एम्पथी' अशें तांत्रिक नाव दितात जे किते पळयता ताचे कडेन बरोवप्याचे अंतस्करण जुळूंक जाय आनी ताचेकडेन ताणे मनापासून एकरूप जावक जाय, म्हळ्यार आपणाले लेखन वस्तूकडेन तादात्म्य पावंक जाय. तशें जालेना जाल्यार तागेले नायक हे फक्त देवशे दिसले आनी खलनायक हे दैत्य. शेक्सपियराक आपणाल्या पात्रांवांगडा आनी निरीक्षणाकडेन एकरूप जावप सादले. ताच्या 'भूतांवांगडा' आनी 'देवचार - दैत्यावांगडाच' ताचे 'एरियलूस' आनी 'केलीबान' हीं काय मानवी व्यक्तीमत्वा मेळ्ळ्यांत. ही तांकूच एखाद्या व्हड बरोवप्याक वास्तववादीच न्हय तर आदर्शवादीय करतात. हेंच गजालीकलागून 'नीलदर्पणाचो' लेखक नाटककार दीनबंधू मित्र हो ताचेपयलीच्या उपहासकार कवी ईश्वरचंद्र गुप्तापरस वेगळो थारता.

केवळ एकांगी सहानूभूती आसल्यार फक्त मिळमिळीत भावविवशतायच चड येतली. भारतीय दंतकथेचीच देख घेतल्यार, जर वाल्मिकीक दुखवल्ल्या क्रौंच पक्षाविशी फक्त सहानूभूतीच आशिल्ली जाल्यार तो फक्त रडत आनी शोक करित बसतलो आशिल्लो. एक चलते सदाचे ल्हानशें घडणूकेक अमर काव्याचे रूय तो दिवंक पावचो नाशिल्लो. कवी जातलो जाल्यार मनशाकडेन कल्पनाशक्ती जाय. हिचो मुखेल गुणधर्म म्हळ्यार विरक्ती, पयस रावपाची शक्त. ताची सहानूभूती ही एखाद्या मनशाची भोवतणच्या जगाविशीची सहानूभूती न्हय. साद्या मनशाची कणव ताका गळवन्ना हाडून सामको हालयता आनी त्या अणभवातल्यान स्वताचे वेगळे अस्तित्व आशिल्ली वस्त तो घडोवंक पावना. कवीची कल्पनाशक्तीच ताका ताच्या निरीक्षण, अनुभूतितल्यान ताच्या आदर्शांक आनी उमाळ्यांक एक निश्चित रूप आनी आकार दिवंक शक्य करतात. अशें तरेन जे विशिष्ट आनी वैयक्तीक आसता ते वैश्वीक जाता. हाकाच लागून, पयले कडवे बरयनाफुडेच वाल्मिकीन एका अंतरावेल्यान ताचे कडेन तटस्थतायेन पळोवन विस्मीत जावन म्हळे 'म्हजे सहानुभूतिन म्हाका हे किते घडोवक लायले!' खरेल्या कवीच्यान ही सहानूभूती आपणाले कल्पकतेच्या शेकातेळा हाडू येता अशें बंकिमचंद्र म्हणटात ते सामके बरोबर. नेम करपी कायदेकारांचे एक टिकात्मक नदर घालून बंकिमचंद्रांनी समीक्षा लेखनाक आरंभ केल्लो. तरीयजावन स्वता ताणीच मागीर जायते गरजेचे आनी येवजूंक लावपी सिद्धांत नेमनियम घलून दिले. ताचेवरवी ताणी हेच दाखोवन दिले की उदाहरणाचे आदार घेवन फुडे वचपी प्रत्यक्ष समीक्षकाक लेगीत वैश्वीक नदरेन सरसकट कलेक लागु जावपी काय तत्वाचे सामान्यीकरण करचेच पडटा. हातूंतल्यान ताणी आमची जाणवीकाय आनी तांच्यो कक्षा रूंदायल्यात. शकुंतलेची, डेस्डिमोना आनी मिरांडाबांगडा, शेक्सपीयराची, भवभूती बांगडा बी

सर करून आनी जयदेव - वर्डस्वर्थ हाच्यातलो विरोधाभास दाखेवन ताणी तुलनात्मक समीक्षेची बुनियाद घाल्या जाकाच हाली तुलनात्मक साहित्य म्हणटात. ताणी फुडे हाडिल्ले तात्पुर्ते सिद्धांत आनी संकेत पुर्विल्या ॲारिस्टॉटलामेरेन वतात, तशेंच, फुडे येवपी बेनेदित क्रोचेकूय आफुडटात. पयली सांगला तेभाशेन अर्विल्या समाजवादी समीक्षेचोय तांचेर प्रभाव दिसता - घडये हो हयकारात्मक (पॉझिटिवीस्टक) तत्वज्ञानाचो पगडो आसत. हालिची सामाजिक समीक्षा, साहित्याक सामाजिक, अर्थिक शक्तीची फलनिष्पत्ती मानता आनी त्या त्या काळाच्या आत्म्याचो परिरपाक सांगता.

बॅकिमचंद्रांची प्रत्यक्ष समीक्षा खूब फावटी विस्तारीत आनी विस्कटावणी करून सांगपी, केन्ना केन्ना मेजक्याच उतरांची निश्चित स्वरूपाची पुण सदांच एक आपणालो खाशेंल्लो झेत सांबाळपी आसताली तशीच निरपेक्ष, तटस्थ आनी सडेतोड. पुर्वग्रहाचो वास मारलो जाल्यारूय तांची भेदक नदर लिपना. लोकमान्यतायेच्या कवी जयदेवाक ते सकयल ओडपाक अणमंननात. खरेलो सर्जनशील कलाकार विद्यापती हाचेवांगडा ताची तुळा करून ताचो पावडो थारावपाक भियेनात. जयदेवाच्या काव्याचे वासनामयतेचो उगम तांच्या बाह्य सैमाच्या आकर्शणांत आशिल्लो म्हणपाचे ते दाखयतात. हाचे विरूद्ध वर्डस्वर्थाच्या काव्याचेबाबतीत ताका ते अंतरात्म्यांत पळोवपी कवी मानतात. व्हड निसर्ग कवी वर्डस्वर्थांचेर खरे म्हळ्यार हो इल्लो अन्यायूच. वर्डस्वर्थान आपणाल्या 'द एज्युकेशन ऑफ नेचर ॲन्ड टूथ' हातू सैमाचो प्रभाव आनी परिणाम दरेक मनशांचेर ताच्या स्वभावाप्रमाण विंगडविंगड पडटा ते दाखयला. कपालकुंडलाच्या निर्मात्याकडल्यान हे विश्लेशण मात्शे विचीत्रपणाचेशे दिसता. निसर्ग वा मनोरमाच्या कुसव्यांतल्यान व्हडली जाल्ली कपालकुंडला हिची वासनामय प्रवृती तिच्या पयलीच्या जिवीताक लागूनूच आडावन उरिल्ली. मनोरमाचेय दुखरे मन रातीच्या काळखाक लागून आनी एकसुऱ्या तळ्याच्या उदकाचे थंडसाणेत थाकाय मेळयता. तरीयजावन हे उल्लेखनीय कारण हे वर्डस्वर्थाचे कवीतेची आध्यात्मिक बुनीयाद दाखयता जी वयलेचाराक वासना सक्तशी दिसता.

पयली सांगला तेभाशेन बॅकिमचंद्र हे सौदर्यशास्त्राचे सिद्धांतक आनी विवेचक म्हणचेपरस प्रत्यक्ष आनी वेव्हारी समिक्षक चड आसले. काव्यशास्त्राचो मुळावो प्रस्न म्हणजे कवीतेची व्याख्या. पुण ताका फुडो करपाचे भानगडेक बॅकिमचंद्र पडनात. ॲरिस्टॉटल आनी क्रोचे हांचेकडेन ताचो समीक्षक ह्या नात्यान थोडो भोव सबंद आसलो तरी तांचो संकल्पना आनी मत्ता ही धावत्यो सुचवण्योशो मनमेकळ्चो आनी तांका कायम सिद्धांताचे रूप दिवपाक ते सोपेपणी तयार जावपी न्हय. ताणी काय सोबित समीक्षात्मक लेख बरयले ते वृत्तपत्रिय पुस्तक - परिक्षणांच्या रूपान जे सदाकाळ तिगून उरपासारके नाशिल्ले. देखिक, अश्याच एका नियाळ लेखांत ताणी विनोदी बरपावळीचेर भाष्य करताना म्हळा की 'व्हड अपराधा' परस 'ल्हानशी चूक' हीच हास्याचे लक्ष चडशे आसू येता.

ॲरिस्टॉटलाच्या 'पोएटीक्सा'च्या संदर्भात ही व्याख्या सामकी वेगळेच तरेची. थंय ॲरिस्टॉटल हामारशीया वा विवेक बुद्धीचो व्हड अपराध करून लावपी उपजत वैगूण्य हे शोकोतिकेन कारण अशें म्हण्टा, सुखांतिकेक न्हय. अपेक्षेप्रमाण जेन्ना बंकिमचंद्र शेक्सपियराच्या साहित्याचेर भाष्य करपाच्या निमतान आमका त्या श्रेष्ट कवीम्हऱ्यात व्हरता थय खरेलो व्हड समीक्षक बंकिमचंद्र आमका पळोवक मेळटा. तांच्या स्वताच्या सर्जनशील साहित्याचेर खासा शेक्सपीयराचो बरोच प्रभाव आसा. अशेंतरेचे चड लक्षवेधि भाष्य आमका वाचूक मेळटा ते ताणी केल्ल्या भवभूतीच्या 'उत्तररामचरिता'चेर. स्वताचे शिल दुसरेफावट सिद्ध करून दाखवपाचे नाकारून सीता धर्तरेच्या कुसव्यांत वता आनी राम एकसूरे जिवीत सारता. शास्त्राच्या नेमाआड वचून एक शुद्र ब्राह्मणावरी तपश्चऱ्या करूक लागता आनी ताका लागून आपणाल्या राज्याचेर संकट येवपाचे आसा अशें रामाक कळटा तेन्ना तो तिका सोदून काडित पंचवटीत पावता. हेच पंचवटीत बनवासांच्या काळार ताणे पयली सीतेवांगडा जायते सुखाचे खिण भोगील्ले. मूळ कथेकडेन फारकत घेवन भवभूतीन हांगा रामचंद्राक मेळपाक सीता पंचवटीत येता अशें दाखयला. ती येता पुण रामाक ती दिसना कारण ती फक्त आत्मोच जावन येता. रामाचो थयं येवपाचो हेत कळनाफुडे भवभूतीची सीता म्हणटा : 'वऱ्या नशीबन ज्या राजान म्हाका प्रजेच्या समाधानाखातर सोडली तोच आपूण आपणाल्या राजकर्तव्यापासून ढळूंकना'. हातूंतले वैगूण्य हेरून बंकिमचंद्र म्हणटा : ''ललित साहित्याचे नदरेन ही घटना संवसारातले खयये भाशेच्या व्हड साहित्य वा नाटकाचे पंगतीक बसत. अशें तरेची वाक्या शेक्सपियराच्या नाटकांत वाचूक मेळटली''. हाचेवेल्यान शेक्सपियर बंकिमचंद्राक कितलो पर्जळीतपणान कळील्लो ताचो अदमास मेळटा. भवभूतीक ताणे केदे व्हडपण दिला तेय जाणवता. त्याचप्रमाण बंकिमचंद्रांचे समीक्षेची व्याप्ती, भेदकताय आनी खोलायुय नदरेक पडटा.

प्रकरण - 5

# सरभरस बरपावळ

बंकिमचंद्र हे आमचे सगळ्यांत पयले कादंबरीकार आनी काय समीक्षकांच्या मतान अजुनूय ते आमचे सगळ्यांत व्हडले कादंबरीकार. रविंद्रनाथ टागोर आनी शरदचंद्र चटर्जीसारकेले महान लेखक तांचेउपरांत जाले. तरीयजावन बंकिमचंद्राचे सुवातेक बादा ना अशे काय जाण म्हणटात. कादंबरेवांगडाच ताणी आपणाले लिखणेची जादवाची बडी हेर साहित्य वाठारांतूय प्रभावीपणानं वावुडली. ताचे सुखेच्या बरपाची चर्चा, विषय प्रवेशाच्या प्रकरणांत हांगा केल्या. तांचेर चड लांबायेन फोडणीशी करपासारकी ना. कादंबरेभायले तांचे मागीरचे गद्य बरप सामान्याभायले प्रभावी जाला. 'कमलाकांतेर दफ्तर' तांचे चडात चड आवडीचे. तांतले कल्पकतेचे मौलिकतेचे बाबतीत आनी अभिव्यक्तीचे कलाकुसरीचे बाबतीत तांचे वऱ्यातले बरे कादंबरीचे पंगतीक सोपेपणी वचून बसता. तांचे मागीरचे चडशे बरप 'बंगदर्शना'खातीर बरयल्ले. हे नेमाळे ताणीच 1872 त सुरू केल्ले. ताणी ते स्वतः चार वर्सां चलयले आनी उपरांत परतेय 1877 ते चालू जाले तेन्ना भावाचेर सोपयलें. पुण बंकिमचंद्रच ताचो आदार आसले. 1872 उपरांतचे तांचे लागीलागसार सगळे बरप पयले "बंगदर्शना"त उजवाडा आयले. हे बरपावळीन बंगाली वृत्तपत्रवाठारांत नवी दिशा आनी मोख थारायली. 'प्रचार' आनी 'नवजीवन' नेमाळ्यांनीय आशेच तरेचो वावर केलो. 'बंगदर्शना'त विंगड विंगड तरांचे बरप येताले. कादंबरी आनी कथा, निबंद, गंभीर आनी विनोदी, आनी नियाळय आसताले. मतीत दवरपासारकी गजाल म्हणजे ह्या नेमाळ्यांतल्यान ताणी आपल्यावांगडा हेरांचीय बरपावळ उजवाडायली. त्याभायर बरी बरपावल खंयची तें थारावपाचो कस थारायलो आनी नितीचो पुरस्कार केलो. थोड्या काळाखातीर तांचे नेमाळे म्हणजे एक एकेडमी कशी प्रतिष्ठा घेवंक पावली. तांचे जायते निबंद आनी लेख वयले वयर आनी उपहासपूर्ण आसताले. प्रासंगिक वृत्तपत्रीय बरप म्हूण जरी ते पयले लोकामुखार आयले जाल्यारूय ते काळाचे साणीर तिगून उल्ले. काळाच्या कसार जे वृत्तपत्रीय बरप खरे उतरता ते साहित्यच आसता.

हास्य आनी विनोद बंकीमचंद्रांच्या कादंबऱ्यांनी आदिमंदीच दिष्टी पडटा. चडशो कादंबऱ्यो सुखांतिक आसल्यो तरीय 'इंदिरा' हीच लागीलागसार चडशी विनोदी कादंबरी. बंकिमचंद्राची विनोद प्रतिभा चडशी फुलील्ली दिसता ती तांच्या सरभरस निबंदानी आनी लेखांनीच. (उपरांत ही बरपावळ 'लोक रहस्य' म्हूण पुस्तकरूपांन उजवाडायली.) तांच्या विनोदाची तरा तीख उपहासाची. काय जाण

तीका बुद्धीमत्तेचो विनोदूय मानतीत. उतरांची कसरतूय थंय जायती दिष्टी पडटां. पुण हाचेवेल्यान ताचो पावंडा उणो जायना. उतरांचे कसरतीकूय मदीमदी प्रतिभेची कल्पक जोड आसा, नितिकथेची झालर आसा. देखीक, ते एखाद्यो वाग नेण्टो जावन नदरेंतल्यान आनी अलिप्ततायेन मनीस कुळयेकडेन पळयतलो तशेच पळयतात. दुसऱ्या एका निबंदात ते कल्पना करतात की, हालीच्या बंगाली बाबूचे दैवी भविष्य महाभारतात मेळटा. घोळ्या बंगाली बाबूक ते मागीर अवतारांचे पंगतीक बसयतात. इंग्लीश मनशाच्या भारतीय समाज आनी साहित्याविशीच्या अज्ञानाच्यो ताणी बौद्धीक विनोदाच्या आदारान बऱ्योच भगल्यो मारल्यात. ह्या चडश्या स्फूट बरपांत ताणी उपहासाक काल्पकनिकतेच्या आदारान वयल्या पावंड्यार दवल्ला. हे बाबतीत तांचो उपहास रेबेलापरस स्वीफ्टाचे धाटणेचो चड जाला.

बंकिमचंद्रांचे प्रतिभेचे विवध सूर आनी विंगड धागे एकठाय पळोवक मेळटांत ते तांच्या 'कमलाकांतेर दप्तर' ह्या पुस्तकांत. एक काव्यात्म ऊपहासपूर्ण निबंदांचो झेलो - अर्दे विनोदन आनी तितलेच गंभीरपणान बंकिमचंद्रांनी हे आपणाले पुस्तक सगल्यांत बरें अशें मानलां. ध्येयवादाकडल्यान आपणाले बळगे घेवन हांगा कल्पकता, उपहास, विद्वता, बुद्धीचातुर्य बी सगली हातांत हात घालून खेळटाना दिसतात. 'कमलाकांतेर दप्तरा'चे प्रेरणेबाबतीत टिकाकार चिंतीत आयल्यात पुण तांचे समाधान जाल्ले दिसना. कमलाकांत हो एक अफु खावपी. ताचे निबंद म्हळ्यार ताका जाल्ले दिष्टावे. द क्वीन्सीच्या 'कन्फेशन्स ऑफ ॲन ओपियम ईटर' वेल्यान बंकिमचंद्राक कमलाकांत सुचले आसू येता अशें काय टिकाकारांचे मत. हेर काय जाण म्हणटात त्याप्रमाण मॅजिस्ट्रेटाच्या कोर्टांतलो देखाव ताणी 'पिकविक पेपर्स' वयल्यान कित्याक घेतला आसू नज? ह्या दोनूय प्रसंगातले सारकेपण इतले ऊणे आसा की ताका साहित्याातले दायजीपण म्हूण कडेक उडोवन कमलाकांताक मौलिक रचना म्हूण पळोवप चड बरें जातले. अशेंतरेचे कल्पकता आनी वास्तव, काव्यात्म कल्पना आनी तीख उपहास, उंचेली अलिप्तताय आनी खर आसक्ती, हांचो इतलो सोबित ताळमेळ खयच्याच साहित्यांत इतलो सोबित बरो जाल्ल्यो चडसो पळोवक मेळचोना. कमलाकांत हो गरीब पुण विद्वान. ताचे अफुचे वेसन, तशीच दुदाची आवड मजेशीर. हे एक जायजायशें दिसपी मोगाळ पात्र, सामके नाखटामेरेन जिते जीवे तटतटीत.

बंकिमचंद्रांनी सामाजिक विचाराक आनी आध्यात्माक दिल्ल्या देण्याचो विचार पयली केलाच. सुवातेचे अडचणेक लागून चड फोडणीशी करपाक मेळना. तांचे विज्ञानाविशीचे निबंद उल्लेख करपासारके. विज्ञान जनसामान्याक सोपे भाशेत समजावपाची तरा ताणी दाखयली. पुण साहित्य म्हूण ते चड काळ तिगलेना. घडये साहित्यीक सत्याइतली विज्ञानीक सत्या अजरंवर नासतात म्हूण अशें जाला जायत. ताणी एकदोन फावटी शालेय पाठ्यपुस्तकाच्या मळारूय प्रयत्न केल्ले पुण ताचेरूय चड समिक्षा वा चर्चा करपासारके व्हडलेशें काय ना. तांचे जायते

समीक्षात्मक बरपावळीचेर एक अखेरचे भाष्य करू येता, चड करून तातूंत दिसपी ताचे समीक्षात्मक नदरेचेर. बंकिमचंद्रांनी साहित्यात अमूकच एक अशें उद्दिष्ट वा मोख दवरलीना.

तांच्या मतान साहित्याची उद्दिष्टा दोन - सौदर्य वा मनशाच्या कल्याणाक पडपी गजालीची निर्मिती. पुण प्रस्न येता, जे बरें तेच कल्याणकारी न्हय व्हय? ताणी साहित्याचे दोन कुणगे केल्यात. भितल्ले उमाळे आनी उंचेल्ले आवडे जागोवपी साहित्य आनी ईश्वरचंद्र गुप्तावरी अवलोकन करून वर्णूपी, उक्ते करपी, भौतिक सता दाखोवपी, साहित्य. कवी हो जयदेवाभाशेन इंद्रियांची सुखा जागोवपी आसू येता वा वर्डस्वर्थाभाशेन आत्मीकताय फुलोवपी आसू येता. ही दोनूय तोंका कडेक दवरपाची. बंकिमचंद्रांनी ह्या दोनूय विचारांचे एकत्रिकरण करपाचो शास्त्रिक म्हूण प्रयत्न केल्लो दिसना. तांच्या स्वताच्या बरपांतुय ते नितीचे शिक्षक आनी सुंदरकायेचे निर्मूपी अशा दोनूय रूपांनी दिसतात. 'कृष्णकांतेर वील', 'आनंदमठ' ह्या कादंबऱ्यानी आनी 'मृणालीनी' कादंबरेच्या मनोरमांत ही दोनूय उद्दिष्टा एकवटीत जावन राविल्ली दिष्टी पडटात. 'कपालकुंडला'त सत्यम् आनी शिवंमूच्या द्वैतापासून कला वयल्या पावड्यार गेल्या; 'विषवृक्ष' आनी 'रजनी'चे बाबतीतूय चडशें अशेंच जाला म्हूणू येतां. पुण अदिमदी वेगळाचार दिसता. 'राजसिंह', 'देवी चौधुराणी' आनी 'सीताराम' ह्या कादंबऱ्यांनी, सर्जनशील कल्पना, प्रचाराच्या हावेसाच्या सावटांत लिपून गेल्ली दिसतां. ऑस्कर वायल्डान म्हणील्ले 'ऑल आर्ट इज इंम्मॉरल' (सगळी कला नितीभायली आसता). पुण सगळी सर्जनशील कला नितीक मानपी आसता हेवूय तिवलेच खरें. मनशाची चालचलणूक एके सौदर्यशास्त्रीय फास्केत बसोवन, आमची सहानभूती वाडोवन, मनांतले विस्व ती विस्तारायता. ह्या अर्थान बंकिमचंद्रांनी जेन्ना सुंदरकाय निर्मिल्या, त्याचबरोबर ताणी ही व्हडली नितूय शिकयल्या आनी पयलीची सयबालीनी ही घड्ये उपरांतचेपरस चड नितीकारी चित्रण आसू येता. मनोरमा ही सुर्यमुखी वा आयेशाचेपरस व्हडले नितीशास्त्र शिकयता. लवंगलतेचे 'दुर्बळपण' चड मनोरंजक आनी सामाजिक नदरेन तिच्या 'सबलपणा' परस उण्या मोलाचे न्हय.

परिशीष्ट

# बंदे मातरम् [1876 - 1976]

संस्कृत आनी बंगालीच्या मिश्रणांत बरयल्ये बंकिमचंद्रांचे 'बदे मातरम्' हे भारतीय संस्कृतायचे एक अद्वितीय भांडार. राष्ट्रीय गीता आनी देशभक्तीपर कविता हांका मुखेलपणान एक प्रादेशीक सया आसता. हांकालागून खयच्याय एका देसाच्या राष्ट्रगीताची सर दुसऱ्या देसाच्या राष्ट्रगीतावांगडा करूक मेळना. हांचे कारण, अशेंतरेची सगळी गीता त्या त्या प्रदेशाचो भूगोल, इतिहास आनी परंपरा हाचे कडेन बांदिल्ली उरतात. इतलेय जावन अशें म्हणू येता की 'बंदेमातरम्' इतलों व्यापक आनी खोल प्रतिसाद ख्यंच्याच दुसऱ्या गीताक केन्ना मेळूक ना. ह्या गीतांन जागयले तितल्या लोकांक दुसऱ्या खयच्याच गीतांन आजवेर जागयले ना.

पयलेच फावट हे गीत उजवाडा आयले ते 'आनंदमठ' हे कादंबरेत. ही कांदंबरी वांट्या वांट्यानी पयली 'बंगदर्शनां'तल्यान उजावाडायली. उपरांत 1882त ती पुस्तकरूपान उजवाडा आयली. हे गीत कादंबरेच्या कथानकाच्या मूळ गाभ्याकडेन पुरायेन समरस जाला. ते ज्या उत्स्फूर्तपणान मुखेल पात्रांच्या तोंडातल्यान येता ते पळयल्यार वाचप्याक अजाप जातले. चडकरून जेन्ना तांका कळटा की हे गीत एक अचकीत स्फूर्तविळार 1875 / 76 म्हणल्यार हे क्रांतीकारक कादंबरेपयली काय वर्सा बरयल्ले. ह्या गीतात त्या काळाच्या आदोलनाचो सार आयला. तरीयजावन, भारताचे पयले राष्ट्रपती राजेंद्रप्रसाद हांणी म्हळा तेभाशेन बंगालाभायर जायत्या सुवातानी व्यासपीठाचेर लोक हे गायताले आनी घोषणा दिताले तरी खयचे कथेत हे आयला ते मात तांका खबर नाशिल्ले.

बंकिमचंद्रानी 1882 त 'आनंदमठ' उजवाडायली त्या वेळार देशांतले वारे स्फोटक राजकी आंदोलनांत धुवताले आनी युरोपी लोकावांगडा देशी लोकांक बरो न्याय दिवंचो अशी मांगणी वाडीक लागील्ली. त्याचबरोबर देशाच्या प्रशांसनातूय तांका चड हक मेळचे अशी नेटान मागणी जाताली. हे मागणेक 1885 त भारतीय राष्ट्रीय कॉंग्रेस स्थापन ज़ाली तेन्ना जाहिर अभिव्यक्ती मेळ्ळी. हे कॉग्रेसीन उपरांत भारताचो फुडार घडवपांत बरोच मोटो हातभार लायलो. दरेक व्हड कलाकृतीक 'एकेच नदरेन ओडून घेवपा' सारकीली मर्यादीत फासकी आसता. त्याभायर तिणे एक वैश्विक अर्भूय दाखोवपाचो आसता. अशेंतरेन 'आनंदमठत हे कादंबरेत रचणूकेचे एकात्मतेपासत एका थळाव्या उठावाचो संदर्भ आसा त्याच बराबर आर्विल्या भारतात जाल्ल्या स्वतंत्र झुजाचेय ती प्रतिक जाल्ली. ह्या देशात जायते प्रांत आनी तरेकवार जाती कांतीचे लोक रावतात. एका फाटल्यान एक मनिस करिकरीत जायत्या लोकांनी ते आपसूक वेचून काडले आनी घा वर्साभितर

ते राष्ट्रीय गीत जावक पावले. 1896 त कॉंग्रेसच्या अधिवेशनात भारताचो म्हालगडो कवी खासा रविंद्रनाथ टागोर हाणीय ते गायले (हेमचंद्रं बंदोपाध्याय हांचे 'राखी - बंदन' कवीतेचो आदार घेवन काय जाणनी म्हणला की हे गीत सगळ्यात पयले 1886 च्या अधिवेशनात गायील्ले पुण ह्या मत्ताक व्हडलोसो घट आदार ना. हेमचंद्र, 1896तल्या अधिवेशनाक संदर्भ म्हूण घेता काय दिसता. तांच्या समग्र साहित्याच्या एका झेल्यात राणी व्हिक्टोरीया ज्युबिली [1887] आनी बंकिमचंद्रांच्या मार्णाचेर [1894] बरयल्ले कवीतेउपरांत 'राखी - बंदन' येता.

त्याफुडल्या दशकाचे अखेरक लॉर्ड कर्झनाची बंगालची फाळणी येता. तांतूंत राजकी अस्वस्थतायेक चिड्डूपाचो दुष्ट हेत आशिल्लो पुण तो थंड जावचे बदला चड्डूच नेटान वयर येवंक लागलो. फाळणीविरोधी आंदोलनाक स्वदेश चळवळ आनी बहिश्कार चळवळीचोय तेंकों मेळ्ळो आनी अशेंतरेन एकंदर आंदोलनान पुराय स्वातंत्र्य लड्याचे रूप घेतले. एका नामचेच्या उलोवप्यान म्हळें तशें हे आंदोलन गावागावांनी, शाराशारांनी आनी प्रांताकणकणी फांकारत गेलें. क्रांतीकारक हासत सुळार वचूक भायर सरलें आनी देशभक्तांनी आपणाले सर्वस्व एकाच ध्येयाफाटल्यान ओपले. हे करताना त्यांच्या ओठार 'बंदेमातरम्' रणशिंग कशें घुमताले. श्री अरविंद, जे स्वता एक कवी अशिल्ले, तेय ह्या आंदोलनाचे एक पुरस्कर्ते आशिल्ले. ताणी 1907 आपल्या नेमाळ्याचे नावूंच 'बंदेमातरम्' अशें दवरले. तांतूत ताणी बरयल्ले : 'एका राष्ट्राक जाव मनीस कुळयेक एका हालोवन सोडपी संदेसाची गरज आशिल्ली आनी देवानूच अशेंतरेचो संदेस घुमोवपाखातिर उतरा दिवपी एक तोंड वेचून काडलें. एक आकांताचो दिस्टावो दाखवपाचो आशिल्लो आनी अश्यावेळार ताचीच दिव्य नदर देव उत्की करता'.

(अरविंदांचे साहित्य ग्र 17पा. 344)ह्या असामान्य गीतान राजकी, आर्थिक आनी संस्कृतीक चळवळीक उमेद हाडली आनी अख्ख्या संवसारान पळयले, एक न्हिंदसुरे राष्ट्र न्हिदेतल्यान उठिल्ल्या बळिष्ट मनशावरी आपणाले अजिक्य केस हालयत उबे जाले. राज्यकर्ते गर्भगळित जाले हातूंत अजाप ना. भारतीय उपखंडातले बंदेमातरंम् हे 'जॉन बुलाच्या दुसऱ्या जुव्यांवेलो' तांबडो आगसो जाल्ले. हे गीत बंडाचे सुत्र जाल्ले आनी 'आनंदमठा'चेर नासली तरी बंदेमातरंम् जाहिरपणान गावपाचेर बंदी आयली. त्या दिसांच्या स्फोटक वातावरणाची वळख करून घेतलो जल्यार 1905त घडिल्ले एके गजालीची देखदीन दिसता. वाराणसीच्या भारतीय राष्ट्रीय कॉंग्रेसीच्या अधिवेशनात गोपाळकृष्ण गोखले अध्यक्षपदार आशिल्ले. हाजिर आशिल्या मानेस्तामंदी नामनेची गायिका, टागोरांची भाची, सरलादेवी, हीवूय आशिल्ली. देशभक्त रंभूजीदा चौधरी हांचेवांगडा तिचे थोडे दिस पयलींच लग्न जाल्ले. तिका पळोवन त्या विक्राळ जनसमूदायान तिका 'बंदेमातरम्' गावपाचो आग्रो केल्लो. अशें केल्यार सबंद अधिवेशनाक पोलिस दामून उडयती म्हणपाचो आयोजकांक भय दिसलो आनी तांची आवतीकाय विचित्र जाली. अशें अडचणीत अध्यक्षांनी बेगीबेगीन एके चिटयेर बरोवन

सरलादेवीक सुचयले की तिणे थोढ्योच वळी गावच्यो म्हण्टकच लोकाक थातारूक मेळटले नाजाल्यार लोक हाताभायर वतले. पुण तीणे गीताक सुरवात केल्या मात, उचांबळीत जाल्या उर्बेवंत जनसमुदायान एकच जयघोश केलो आनी अध्यक्षांची सुचवणी कडेक दवरून तिका सगले गीत पुराय म्हणचे पडले. पोलिसानी कायच केलेना, वा म्हणूया, तांका धाडस जालेना. सरकारान आंदोलन चिड्डून उडोवपाचे निष्ठूर यत्न चालूच दवरिल्ले आनी बंदेमातरंम सरकारी ख्यास्तीची भिरांत आसतनाय, घडये भिरांतीकलागूनूच, लोकांक स्फूर्त दीत रावले. पयल्या संवसारीक म्हाझूजाच्या अंतान संवसाराच्या राटावळीत आनी चड करून भारताच्या वेव्हारात नवे युग हाडले. वसाहतवादाचे खरे भिषण रूप दाखोवपी जालियानवाला बाग हत्याकाडान आनी असहकार आंदोलनान परतेय बंदेमातरंम् गाजूक लागले. प्रशासकांकय दिसले की आता चडूच ओडून धरप समा न्हय. ताणी हे गीत आनी घोषणांत तोंड घालपाचे धोरण सोडले. पयलीची बंदी आपसूकूच नाच जावन गेली. शासकीय दडपशाहीचे उपरांतूय बंदेमातरंम् जैतिवंतपणान तिगले तरी ताका अंतर्गत घातपाताक तोंड दिवपाचे कठिण काम करचे पडले. हिवूय एक वसाहतवादी मुत्सद्देगीरीचीच चालबाजी आशिल्ली. व्हडलीशी नामना नाशिल्ल्या लॉर्ड मिटोक जेन्ना कर्झनाचे सुवातेर व्हायसरॉय नेमलो तेन्ना कर्झनान अजापान म्हळें 'म्हजेफाटल्यान मिटो' पुण मोब सबावाच्या मिटोन कर्झन जय कमी पडिल्लो थय व्हडली बाजी मारली. मोरली वांगडा ताणे मवाळ हिंदू राजकारण्यांक आपलेवटेन ओडपाक काय सुदारणा - सवलतीं दिल्यो, वा म्हणूया, दिवपाचे नाटक केले आनी हिंदू आनी मुसलमानांक वेगळें मताधिकार दिवन तांचेमदी एक कायंम फूट घाली. बंगालची फाळणी जरी परती सांदील्ली तरी 'फोडा आनी राज्य करात' धोरणाचे परिणाम अखेरेक वांशिक दंगलीत जावंक लागले आनी बंदेमातरंम् घुरयेचे एक लक्ष्य जाले.

विसाव्या शेकड्यांचे तिशित जेन्ना राज्यांनी काँग्रेसी मंत्रीमंडळां घडली तेन्ना बंदेमातरंम् हे राष्ट्रगीत म्हूण स्वीकृत जाले पुण काय लोकांनी हें गीत हिंदू बहुदैवतांचो पुरस्कार करता अशी तिव्र हरकत घेतली. ह्या वायट वादाचो इतिहास जायतेकडेन वांचूक मेळटा पुण राजेंद्र प्रसादाच्या 'इंडिया डिवायडेड' [1945] ह्या पुस्तकांतलेवरी तटस्थपणान दुसरेकडेन खयच चर्चा केल्ली दिसना. ह्याच कालखंडात थोड्या काळाखातिर ते काँग्रेशीचे अध्यक्ष आशिल्ले. पयली कीट पडली ती 1937 त जेन्ना काँग्रेसीचे वावूरपी समितीन 'बंदेमातरंम्' क राष्ट्रगीताचो भौमान चालूच दवरलो. पुण संक्षिप्त आनी संपादीत रूपान हातूंतली फक्त पयली दोनूच कडवी जाहिर सभेत म्हणपांक दवरील्ली. पुण धा वरसांभितर बंगालाची फाळणी करपाचो प्रस्ताव परतोय वयर आयलो आनी परतून एक फावट फाळणी हे एक 'थारायल्ले' सत्य जाले. इतिहासान मात अखेर जैत जोडलेच. 1947तले फाळणेबराबर ब्रिटिशांचे भारतांतले राजवटीचोय अंत जालो. हेच फाळणेमार्फत 1905त लॉर्ड कर्झनान ब्रिटिश राजवटीक थिगी लावन घट करपाचो यत्न केल्लो!

स्वतंत्र भारतान टागोरांच्या ' जनगणमन' गीतांक सरकारी पावेड्यार राष्ट्रीय गीताचो मान दिला. हे गावपाचे सोयीखातिर आनी थोड्याभोव प्रमाणांत धार्मिक कोडसाण जाग्यार घालचे पासत केला जाल्यारूय देशाच्या भाव विश्वांतल्यान आनी जाणवीकायेच्या आवांठांतल्यान 'वंदेमातरंम्' क हुमट्टुन उडोवप अशक्य अशेतरेन ते पाळामुळा घट्ट रोमून आसा; म्हणटकीर ते एक सह - राष्ट्रगीत म्हूण स्विकृत जाला. स्वातंत्र्या उपरांत आता तीन दशकांवयर गेल्यात आनी पोरण्या वादाचे इंगळे आता पालवल्यात. देखून आता आमच्यांनी कसलोच पुर्वग्रह दवरीनासतना 'वंदेमातरंम्' चे काव्यगुण आनी राष्ट्रीय गीत म्हूण ताचे आकर्शण हांचेर नदर भोवडाव येता. 'जनगणमन' ही एक बरीच कवीता, गोड आनी नादमय आनी ती भारतीय राष्ट्रियत्वाचे एक सोबित चित्र नदरे मुखार उबे करता पुण हे कवीतेक आनी ताच्या कार्याचो पुराय आदर राखूनूय म्हणचे पडटा की तातूंत 'वंदेमातरंम्' चो नेट आनी हुनसाण ना आनी बंदेमातरंमच्या इतिहासीक संदर्भ उगडासाचीय ओलसाण ना. धार्मिक हरकतीकडेन बारिकसाणीन पळेल्यार दिसता की हाका लागूनूच तर हे गीत राष्ट्रीय गीत म्हूण चड सोबित दिसता. भारत देस हो बहुधर्मी, बहुजातीय, बहुढंगी देस जाल्ल्यान आनी बहुदेवतांचो हे गीत पुरस्कार करता देखून ते राष्ट्रगीत जाव नज अशें म्हणटाले. हिंदू देवसमुहातल्या देवतांचो तातूंत निश्चित उल्लेख आसा ही खरी गजाल. पुण अशेंतरेची विचारसरणी ही वयलेवयर आनी दिशाभूल करपी कशें दिसता. काव्याचे नदरेंन आनी ध्येय धोरणात्मक बाबतीत 'बंदेमातरंम्'चे खरेले आकर्षण आसा ते हे गजालीत : ते माता हे संकल्पनेकडेन सर्वव्यापी आनी आधिभौतिक हे नदरेन पळयता. कार्डूचीच्या 'ओड ऑन द क्लीटम्नस' परस हे गीत वेगळे थारता ते हाकाच लागून. ताणी आपणाल्या गीतांत इटालीया ह्या देसांचे भूयेत आनी इतिहासांत ताची मुळा रोयल्यात. काय वेळार तो आदल्या देवांचेय संदर्भ दिता. पुण ते गीत सदच्या वेव्हारी पावंड्यावेल्यान वयर सरचना. टागोरांचे 'जनगणमन' आनी तत्सम कवीतांपरसूय ते वेगळे. हांगा भारताक एका देवाच्या अधिपत्याखाला दाखयला जो भारताचे भाग्य राखता वा एकाद्रो अनंत रथकार जो ह्या देशाची आनी हेर देसांची सुत्रा चलयता. ज्या वेगवेगळया देवीचो संदर्भ आयला ती सगळीं एकेच अष्टताशी मातेची विविधरूपा हे संकल्पनेक सर करीसारकी गजाल म्हजो ईष्ट एन्. सी. एम्. हाणी म्हज्या लक्षात हाडून दिली, ती डेल्फीक प्रीस्टहूड नावाचो एके गुपती सोसायटीच्या ब्रीदवाक्यामेत आनी आचारसंहितेत मेळटा. ही सोसायटी एकोणीसाव्या शेकड्याचे सुखेक इटलीच्या स्वातंत्र्याखातीर आनी एकवटाखातीर वावूरताली. हे नावूच तशें पळेल्यार भौतिकताय सुचयता. द डेल्फीक प्रीस्ट, देशभक्त पाद्री, पाद्रीसैनिक अशें तरेन उलयलो : म्हजे मातेक दर्याची ओड व्हडले व्हडले दोंगर हे तिचे मानदंड आनी जेन्ना ताची आवय कोण काय म्हूण विचाल्ले तेन्ना ताणे सांगले. 'काळ्या काळ्या केसांची बायल, जिचे अलंकार म्हणजे सोबितकाय, बुद्धी आनी आदल्या काळार शक्त, फुलपी बाग ही तिची दोत

जातूंत परमळाची फुला आसात, जय ओलीव आनी वायन फुलतात आनी जी आता काळजांत सुरी तोपिल्ल्यान कळवळटा' ('द सिक्रेट सोसायटीज् ऑफ ऑल एजस् अॅन्ड कंन्ट्रीज्' बरोवपी : सी. डब्ल्यु. हेकेथॉर्न, लंडन, 1897, ग्रंथ II, पा. 188). आनंदमठाचो नायक सत्त्यानंद होवूय एक देशभक्त धर्मोपदेशक, एक सैनिकी पाद्री जो माता जशी अशिल्ली, जशी आसा आनी जशी आसतली हाच्यो प्रतिमा चितारता. बॅकिमचंद्र हे एक व्हड सर्जनशील कलाकार आशिल्ले तशेंच एक खोलायेन अभ्यास करपीय आशिल्ले जांका व्हडल्या आवाठाची जिज्ञासूवृत्तीय आशिल्ली. डेल्फीक सोसायटीविशीय तांका किते खबर बी आशिल्ले काय?

# गीत

('बंदेमातरम्' हे गीत हरशीय आपलेपरिन स्वतंत्रपणान लोकांच्या मनांत घर करून रावतलेच आशिलले. पुण तांतलो संदेस लोकांमंदी पातळावपाक आनी ताका भारतीय राष्ट्रवाद्यांखातीर रणशींग जावपाचे बळगे दिवपाक खरो पालव दिलो जाल्लयार तो श्री अरवींद हांणीच. ताणी ह्या गीताचो अणकार गद्यांत तसो पद्यात इंग्लिशीत केलो. पद्यांतलो अणकार चड नामनेक पावलो तरी ते एक जश्यातशें भाशांतर म्हणचे परस अनुसर्जन जाला अशें म्हणूक जाय. भाशांतरांतल्यान मुळ कवितेची सोबितकाय दिसना आनी गीत कळना. तरीय वाचप्यांक हांगा दिल्ल्या गद्य अणकारांतलया बंकिमचंद्रांच्या गीतांची कल्पना येवये. हे भांशांतर शब्दशः केला.)

## वंदेमातरम्

(अणकारप्याली टीप)

बंगालाच्या ह्या राष्ट्रगीताक पद्यातूच दुसर खयचेच भाशेत अणकारप सोपे न्हय ह्या गीताक आपणाली खाशेली सुरबुससाण, सामान्य सरळपण आनी उंच्वेल्ले काव्यात्मक नेट आसा. जाणी अणकारपाचो येत्न केला तांका कोणांक येस मेळुक ना. बंगाली नकळो आशिल्लया वाचप्याक मुळ गीताक सामको लार्गी हाडून वळख करून दिवपाक हांव हांगा प्रत्येक वळीचो अणकार गद्यांत दिता.

**वंदन तुका माते.**
**जळान चकचयाळ फळांनी गिरेस्त**
**दक्षिणवाऱ्यान थंडथंडशी**
**पिकेवेल्या कणसांनी दाटगर्द**
**ही माता!**

**तिच्यो राती चांन्याचे गिरेस्तकायेंत धुंद,**
**तिची धर्तरी झाडांनी फुल्लल्या न्हेसलली,**
**म्होवाळ हाश्याची, सुरबूस वाणीची**
**ही माता, सर्गदानी, आनंद दिवपी!**

सात कोटी जनगर्जन मुखांतल्यान गाजता
आनी हाचे दुपेट हातांतल्या तरसादीची धार
कोण म्हणटा हे माते तुका अशी अबला
इतली अष्टतासा तुज्यांत आसताना

हे तारक मातेक नमन
दुस्मानदळां धावडावपेक नमन
नमन हे मातेक!

तूच विद्या तूच धर्म
तूच काळीज तूच मर्म
तूच प्राण आमचे कुडीत गे!
तूच बळ ह्या भुजांत माते
तूच हृदयी आमच्या मोग शक्ती
तुजीच मंदिरी आमच्या भक्ती

तूच दुर्गा धाशस्त्रांधारपी
साळकांमदली कमळा खेळपी
आनी वाणी विद्या दिवपी नमन तुका गे
नमन कमलेक अमलेक अतुला
सुजले सुफले हे माते

वंदन तुका माते
जळान चकचयाळ, फळांनी गिरेस्त
सजयल्ली, नटयल्ली सोबीत हांसपी
संपत बाळगुपी, गिरेस्तकाये अस्तुरी
नमन तुका माते.

SHIMLA
115764
9/11/04

## बंकिमचंद्राली ग्रंथ संपदा

1 ललिता ओ मानस : भुरगेपणातल्यो कविता 1856
2 दुर्गेशनंदिनी : कादंबरी 1865
3 कपालकुंडला : कादंबरी 1866
4 मृणालिनी : कादंबरी 1869.
5 विषवृक्ष (विखाचो रूख) : कादंबरी1873
6 इंदिरा : कादंबरी 1873
7 जुगलंगुरिया ( जुंवळ्यो मुदयो ) : कादंबरी 1874
8 लोक रहस्य ( सामाजीक प्रहसनां) : हासोवण्या व्यक्तीचित्रांचो झेलो 1874
9 विज्ञान - रहस्य ( विज्ञानाची गुपितां) : विज्ञानावयल्या निबंदाचो झेलो 1875
10 चंद्रशेखर : कादंबरी 1875
11 राधाराणी : कादंबरी 1875
12 कमलाकांतेर दप्तर (कमालाकांताची कागदां) 1875
13 विविध - समालोचना ( विंगड विंगड समीक्षा) : लेख 1876
14 रजनी : कादंबरी 1877
15 कृष्णकांतेर विल ( कृष्णकांताचे मृत्युपत्र ) : कादंबरी 1878
16 कविता - पुस्तक (कवितांचे पुस्तक) : कविता 1878
17 साम्य ( समानताय ) : निबंद संग्रह 1879
18 प्रबंध - पुस्तक ( निबंदांचे झेलो ) : निबंद 1879
19 राजसिंह : कादंबरी 1882
20 आनंदमठ ( आनंदाचे वसतीस्थान ) : कादंबरी 1882
21 मुचिराम गुरेर जिवनचरित ( मुचिराम गुर हांचे चरित्र) : उपहास 1884
22 देवी चौधुराणी : कादंबरी 1884
23 कृष्ण - चरित्र : निबंद 1886
24 सीताराम : कादंबरी 1887
25 विविध प्रबंध ( सरभरस निबंद ) पयलो वांटो : निबंद 1887
26 धर्मतत्व ( धर्माची तत्वां ) पयलो वांटो : अनुशीलन ( संस्कृताय ) 1888
27 विविध प्रबंध ( सरभरस निबंद ) दुसरो वांटो 1892
28 सहज रचना शिक्षा ( रचनेचे सोपे पाठ ) : पाठ्यपुस्तक दुसरी आवृत्ती 1894
29 सहज इंग्रजी शिक्षा ( इंग्लीशीचे सोपे पाठ ) : पाठ्यपुस्तक तिसरी आवृत्ती 1894 ( पुस्तकाची प्रत मेळना )
30 श्रीमद् भगवद्गीता : गीतेचो अणकार आनी फोडणीशी ( अपुर्ण, मरणाउपरांत उजवाडायले ) 1902
31 राजमोहन्स् वायफ : इंग्लिशीत कादंबरी, ' इंडियन फील्ड' नेमाळ्यांत क्रमान पयली उजवाडायली, 1935 त पुस्तकरूपान उजवाडायली.

बंकिमचंद्र चटर्जी ( 1838-1894 ) बंगालच्या साहित्य संवसारांत वयर सल्ले ते सामके मळबांत सूर्य उदेवंचो ते भाशेन. तांच्या साहित्यांचेमौ लिकतेविशी वा गुणवत्तेविशी आमी कितेंय म्हणू. एक गजाल खरी की आधुनिक भारताचो पयलो कादंबरीकार म्हुण तांची सुवात थीर आसा. आमच्या व्हड कादंबरीकारा मदले एक अशेंच तांकां लेखतले.

बंकिमचंद्र व्हड कादंबरीकार तर आसलेच. त्या भायर ते एक नामनेचे टीकाकारुय आसले सृजनशील कलाकार म्हुण तांची नामना जाली आनी आधुनिक भारतीय पुनरुत्थानाक तांचो खूब हातभार लागलो. हाकाच लागून तांच्या समिक्षा साहित्याकडेन आनी तत्सम वावराकडेन आमचे दुर्लक्ष जाला.

बंकिमचंद्राचे 'वंदेमातरम्' म्हणजे भारतीय संस्कृतायेचें एक अनुपम भांडार ह्या गीतान आनी चडकरून ताचे सुरवेचे घोशणेन भारताच्या राजकी आनी सांस्कृतीक स्वातंत्र्य संग्रामांत खूब स्फूर्त दिली. भारतीय राष्ट्रवाद्यांचे ते एक घोषवाक्य जाल्ले.

डॉ. सुबोधचंद्र सेनगुप्त हे एक नामनेचे व्यासंगी. बंकिमचंद्रांच्या साहित्यांचे जाणकार ताणी ह्या पुस्तकांत बंकिमचंद्रानचा कादंबरीकार, निबंदकार आनी टीकाकार ह्या व्यक्तिमत्वांचो सूक्षीमपणान परामर्श घेतला. भारतांतल्या सर्वश्रेष्ठ कादंबरीकारांमदल्या एकाची वळख करून घेवपाक हे सुपुल्ले पुस्तक बंकिमचंद्राच्या अभ्यासकांक उपकरा पडरले अशें म्हणू येता.

Bankimchandra Chatterjee ( Ko
ISBN 8

SAHITYA AKADEMI
REVISED PRICE Rs. 15-00

Library IIAS, Shimla
KO 891.440 92 C 392 S
00115764